ಮೌನಿ ಬೊಂಬ್

ಜೋನ್ ಸುಂಟಿಕೊಪ್ಪಚ್ಯಾ ಕವಿತೆಂಚೊ ಪಯ್ಲೊ ಜಮೊ

ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನ್

5967
P→KON
JOH

ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನಾಚೊ ತೆತ್ತೀಸಾವೊ ಬೂಕ್



ಜೋನ್ ಸುಂಟಿಕೊಪ್ಪ

1983 ಇಸ್ವೆಚ್ಯಾ ಅಕ್ತೋಬರ್ 26 ತಾರಿಕೆರ್ ಮಡಿಕೇರಿ ಗಾಂವಾಂತ್ ಜಲ್ಮಾಲ್ಲೊ ಜೋನ್ ಪಾವ್ಲ್ ಡಿ'ಸೋಜ್ B.A. (English Literature), ಪದ್ವೆಚೆಂ ಶಿಕಪ್ ಸಂಪವ್ನ್ D.Ed, B.Ed ಶಿಕಪ್ ಸಂಪವ್ನ್ ಸದ್ದ್ಯಾಕ್ M.A. (English Literature) ಪದ್ಯುತ್ತರ್ ಶಿಕಪ್ ಜೊಡುನ್ ಆಸಾ. ವೃತ್ತೆನ್ ಸರ್ಕಾರಿ ಇಸ್ಕೊಲಾಂತ್ ಶಿಕ್ಷಕ್ ಹೊ ಅಪ್ಲೊಚ್ಚ್ ಬ್ಲೋಗ್ ಸಯ್ತ್ ಆಸ್ಚೊ ಹೊ ಕೊಂಕ್ಣೆಶಿವಾಯ್ ಕಾನಡಿ ಭಾಸೆಂತ್ ಸಯ್ತ್ ಕವಿತಾ, ಕಾಣ್ಯೊ ತಶೆಂಚ್ ಪ್ರಭಂಧ್/ಲೇಕನಾಂ ಬರಯ್ತಾ.

ದೆ। ಜೋಸೆಫ್ ಡಿ'ಸೋಜ್ ಅನಿ ಮಾನೆಸ್ತಿಣ್ ಮೇರಿ ಡಿ'ಸೋಜ್ ಹಾಂಚೊ ಸುಪುತ್ರ್ ಜೋನ್ ಸುಂಟಿಕೊಪ್ಪ ಅಪ್ಲಿ ಪತಿಣ್ ಒಲಿವಿಯಾ ಅನಿ ಧುವ್ ಜ್ಯೋತ್ಸ್ನಾಸವೆಂ ವಸ್ತಿ ಕರುನ್ ಆಸಾ.

– ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನ್

ಮೊನಿ ಬೊಂಬ

ಜೋನ್ ಸುಂಟಿಕೊಪ್ಪಚ್ಯಾ ಕವಿತೆಂಚೊ ಪಯ್ಲೊ ಜಮೊ

ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನ್

ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನಾಚೊ ತೆತ್ತೀಸಾವೊ ಬೂಕ್

Konkani Language & Cultural Foundation (R.) ★ Mangaluru

'MONI BOB' - *Collection of Konkani Poetry in kannada script by John D'Souza, Suntikoppa. This collection is edited by Valley Quadras and published by Ashawadi Prakashan, 1801, Skylark Tower, 18th Floor, Plot 7, Ghansoli Sector 15, New Palm Beach Road, Navi Mumbai 400701, MH.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN

First Edition: 2017
Copies: 500

Cover	:	Assisi Press, Mangalore
Layout	:	Assisi Press, Mangalore
Pages	:	88
Price	:	Rs.125
Paper	:	80 gsm, N.S. Maplitho
Printed at	:	Assisi Press, Mangalore

5967
P->Kon
JOH

For complete details of Ashawadi Prakashan, visit
www.ashawadi.com or Email at ashawadi@gmail.com

ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಪಾನಾಂನಿ

ಪ್ರಸ್ತಾವನ್: ಕೊಶೆಡ್ಡಾಚ್ಯಾ ಕಾನಾಂಕ್ ಆಯ್ಕುಂಚಿ ಬೋಬ್ ಹಿ 5
ಸುರ್ವಿಲಿಂ ಉತ್ರಾಂ 12
1. ಜೀಬ್ ಆನಿ ರೂಕ್ 14
2. ದೆವಾಚೆಂ ರಾಜ್ 15
3. ಮನ್ ಕಿ ಬಾತ್ 16
4. ಆವಯ್ 17
5. ಕವಿತಾ ಜಾಂವ್ಚಿ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ? 18
6. ಏಕ್ ಮಾಗ್ಣೆಂ 19
7. ದೆಸಾಂತರ್ 20
8. ವಾಯ್ದ್ಯಾಚಿ ಖೊಂಕ್ಲಿ 21
9. ದುಕಿಚೆ ಮಿಸ್ತೆರ್ 22
10. ಜಿಹಾದಿಂಚ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್ 23
11. ಸಂಘಟನ್ 24
12. ಟ್ರೆಕ್ಕಿಂಗ್ 25
13. ಗರಮ್ 26
14. ಫುಲ್ ಫುಲ್ಚೆಂ ವೇಳ್ 27
15. ಕೂಡ್ 28
16. ಉಶೆಂ 29
17. ಮೊಡ್ಯಾ ತಪಾಸ್ಣಿ 30
18. ತುಂ ಗೆಲ್ಲೆ ರಾತಿಂ 31
19. ಘಾಯ್ 32
20. ಗರ್ಭಾಪಾತ್ 33
21. ಪುನರ್ ಜಿವಂತ್‌ಪಣ್ 34
22. ಮರಣ್ 35
23. ಏಕ್ ಫುಟ್ 36
24. ಉದ್ಕಾಮೂಳ್ 37
25. ಹೊ ದೇಶ್ 38
26. ಪಾಸ್ 39
27. ಉರ್ಬಾ? 40
28. ಮರಣ್ ಶಾಸನ್ 41
29. ಕಾನ್ಸ್ಪಿಪೇಶನ್ 42
30. ಮಾಸ್ 43
31. ಥೊಡ್ಯೊ ಚುಕಿ 44
32. ಚೂಕ್ – 1 44
33. ಚೂಕ್ – 2 44
34. ಚೂಕ್ – 3 44
35. ಚೂಕ್ – 4 44
36. ಚೂಕ್ – 5 44
37. ಚೂಕ್ – 6 44

ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನ್ (2002 ಥಾವ್ನ್ 2017 ಪರ್ಯಾಂತ್)

2002

ಆಶಾವಾದಿ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)

2003

ಚ್ಯಾರ್ ಮುಖಾಂ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಜಿವಿತಾ ಸೊಭಾಣ್ (ಜೊರ್ಜಿ ಪೀಂತ್ ಆಯ್ಕೊಳ್)
ಖಿಳೊ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)

2004

ಕಟ್‌ಪುತ್ಳಿ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಕಯ್ದ್ಯಾಂಚ್ಯೊ ಕವಿತಾ (ಎಚ್ಚೆಮ್)
ವ್ಹಾಊ ವ್ಹಾಊ ವ್ಹಾಳ್ ವ್ಹಾಳ್ಯಾ (ಆಂಡ್ರ್ಯೂ ಎಲ್. ಡಿ'ಕುನ್ಹಾ)

2005

ವಿಂಚ್ಣಾರ್ ಚಿಂತಾಪ್ ಆನಿ ಭಗ್ಣಾಂ (ಜೆಮ್ಮಾ ಪಡೀಲ್)
ಸತಾಂ ಆನಿ ಖತಾಂ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಸರ್ಗಾವಯ್ಲಿ ಮಾಂಯ್ (ರೊನಾಲ್ಡ್ ಒಲಿವೆರಾ)
ಕಂಗಾಲ್ ಆನಿ ತಾಚಿ ಕುಕ್ಕೆಹಳ್ಳಿ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಮೊತಿಯಾಂ ಆನಿ ತಾರಾಂ (ವೆವೆಗ್ಲೆ ಕವಿ)
ಕವಿತಾಪಾಶ್ - 1 (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)

2006

ಪಾಟಿಂ ಗಾಂವಾಕ್ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಬ್ರಾಮುಣಾಂಚೆಂ ಚೆಡುಂ (ಎಚ್ಚೆಮ್)
ದರ್ಬಾರಾಂತ್ಲಿ ಪಿಂರ್ಗ್ಲೊಣ್ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ದರ್ಯಾಕ್ ಉದಾಕ್ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಸಾಗೊರಾಚ್ಯಾ ವಾಟೆಚ್ಯೊ ಝುರಿ (ವೆವೆಗ್ಲೆ ಕವಿ)

2007

ಆಡೊಸಾಂತ್ಲಿಂ ಫುಲಾಂ (ಆಸ್ಟಿನ್ ಡಿ'ಸೋಜ್ ಪ್ರಭು)
ಆಟ್ವಾ ರಂಗಾಚೊ ಧೊಣು (ಮೆಲ್ವಿನ್ ಜೆ. ವಾಸ್)
ಶಿಂಪಡ್ಲೆಲಿಂ ಮೊತಿಯಾಂ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಮುಖಾಂ ಪಾಟ್ಲಿಂ ರುಪಾಂ (ಅನಿಲ್ ಪೆರ್ನಲ್)
ಮೊಳ್ಬಾವಯ್ಲಿಂ ಸ್ವಪ್ಣಾಂ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಕುಲ್ಕುಲೊ (ಸಿಜ್ಯೆಸ್ ತಾಕೊಡೆ)
ತಿಂತೆರಾಂತ್ ಪಿಂತುರಾಂ (ವೆವೆಗ್ಲೆ ಕವಿ)
ಕಾಳೊಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ ಗಾಂವ್ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)

2008

ಮ್ಹೊಂವ್ ಆನಿ ಮೂಸ್ (ಮೆಲ್ವಿನ್ ಪಿಂಟೊ ನೀರುಡೆ)

2017

ಬಂಧ್ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಅಪವಿತ್ರ್ ಸಂಬಂಧ್ (ವಾಲ್ಟರ್ ಲಸ್ರಾದೊ)
ಸರ್ಗಾವಯ್ಲಿ ಮಾಂಯ್ (ರೊನಾಲ್ಡ್ ಒಲಿವೆರಾ)
ಬಜಾರ್ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಮುಗ್ದನಾತ್ಲಿಂ ಗಿತಾಂ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಮೊನಿ ಬೋಬ್ (ಜೋನ್ ಸುಂಟಿಕೊಪ್ಪ)
ಮುಖಾಮುಖಿ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)

ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನ್

[ಪ್ರಸ್ತಾವನ್] ಕೊಶೆಡ್ದಾಚ್ಯಾ ಕಾನಾಂಕ್ ಆಯ್ಕುಂಚಿ ಬೋಬ್ ಹಿ

The only thing that is constant in this world is change (ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ ಥಿರ್ ಆಸ್ಚಿ ಎಕ್‌ಚ್ ಆನಿ ತಿ ಜಾವ್ನಾಸಾ ಬದ್ಲಾವಣ್) ಚಲ್ಚೊ ಮನಿಸ್ ವಾರ್‍ಯಾರ್ ಉಭುಂಕ್ ಸಕ್ಲೊ, ಉದ್ಕಾಚೆರ್ ಪಯ್ಣ್ ಕರುಂಕ್ ಪಾವ್ಲೊ, ಯಂತ್ರಾಂಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ತಂತ್ರಾಂಚೊ ಉಪೇಗ್ ಕರುನ್ ವೆವೆಗ್ಳ್ಯೊ ಧುಸ್ಪಟೆಚ್ಯೊ ಸಕ್ತ್ಯೊ ರಚುಂಕ್ ಪಾವ್ಲೊ ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಸಕ್ತೆಚೊ ಪರಿಣಾಮ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಜ್ ಏಕ್ ಗಾಂವ್ ಖಿಣಾನ್ ಭಸ್ಮ್ಂಕ್ ಸಕ್ಲೊ. ದಿಸಾನ್‌ದಿಸಾ ಬದ್ಲುಂಚ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ ಕಿತೆಂಚ್ ಥಿರ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ನಾ ಮ್ಹಣ್ತಚ್ ಸುರ್‍ಯಾನ್ 'ಉಜ್ವಾಡ್ ಫಾಂಕಂವ್ಚೆಂ', ದರ್‍ಯಾನ್ 'ಉದಾಕ್ ವ್ಹಾಳಂವ್ಚೆಂ', ವಾರ್‍ಯಾನ್ 'ವ್ಹಾರೆಂ' ಸೊಡುಂಕ್ ನಾ. ಮನಿಸ್ ಜಾವ್ನ್ ಜಿಯೆತಲೊ ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಚ್ಯಾ ಖಂಚ್ಯಾಯ್ ಮುಲ್ಯಾಂತ್ ಜಿಯೆಂವ್, ಪುಣ್ ಬದ್ಲುಂಚ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ ತೊ ಅಪ್ವಾದ್ *Exception* ನ್ಹಯ್.

ಕವಿ ಸಯ್ತ್ ಸಂಯ್ಬಾನ್ ಏಕ್ ಮನಿಸ್ ಮ್ಹಣ್ತಚ್, ಹ್ಯಾ ಬದ್ಲುಂಚ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ ಬದ್ಲನಾಸ್ತಾನಾ ಕಸೊ ರಾವ್ತಲೊ? ಹೆಂ ಮಹತ್ವಾಚೆಂ ಸವಾಲ್. ಕವಿಸಂಯ್ಬ್ ಏಕ್ ದೇಣ್, ಏಕ್ ಜವಾಭ್ದಾರಿ ಶಿವಾಯ್ ಹವ್ಯಾಸ್ ವ ಪಿಸಾಯ್ ಮಾತ್ರ್ ನ್ಹಯ್ ಮ್ಹಣ್ ಪಾತ್ಯೆತಲೊಂ ಹಾಂವ್ ಎಕ್ಲೊಂ ದೆಕುನ್ ಹಿಚ್ ಪಾತ್ಯೆಣಿ ಆಸ್ಚ್ಯಾಂಚಿ ಬರ್ಪಾಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಚಡಿತ್ ಮೊಲಾಧಿಕ್ ಮ್ಹಣ್ ಭಗ್ತಾ, ಹೆಚ್ ಚಿಂತ್ಪಾಚ್ಯಾ ಬುನ್ಯಾದಿಚೆರ್ ಹ್ಯೆ ಬದ್ಲಾವಣೆವಿಶಿಂ ಮುಕಾರುನ್ ಸಾಂಗೊಂ ತರ್; ಮನಿಸ್/ಜಾನ್ವಾರ್ ಕಿತ್ಲಿ ಬದಲ್ಲ್ಯಾರೀ, ಅಪ್ಲೊ ಸಂಯ್ಬ್ ಸೊಡುನ್ ದೀನಾ, ಜಶೆಂ ವಾಗ್ ತಣ್ ಖಾಯ್ನಾ, ವ ಬೊಕ್ಡಿ ಮಾಸ್ ಖಾಯ್ನಾ. ತೆಚ್‌ಪರಿಂ ಕವಿ ಸಯ್ತ್ ಅಪ್ಲ್ಯೆ ಮುಳಾವೆ ಜವಾಭ್ದಾರೆಥಾವ್ನ್ ಸುಟ್ಕಾ ಜೊಡುಂಕ್ ಸಕಾನಾ.

ಜೆದ್ನಾಂ ಹಾಂವ್ ಯುರೋಪಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಸ್ವೀಡನಾಂತ್ ಕಾಮ್ ಕರುನ್ ಆಸ್ತಾನಾ, ಘಾಟಾಚ್ಯಾ 'ಸುಂಟಿಕೊಪ್ಪಾಚೊ ಜೋನ್' ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾಚಿ ಕವಿತಾ ವಾಚ್ತಚ್, ಹ್ಯಾ ಕವಿಚೊ ಅಭಿಮಾನಿ ಜಾಲೊಂ. ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಅಭಿಮಾನಾಚೆಂ ಪ್ರಮುಕ್ ಕಾರಣ್ ಆಮ್ಚೆಂ ಎಕಾಮೆಕಾಚೆಂ ಚಿಂತಪ್ ತಾಳ್ ಪಡ್ತಾಲೆಂ, ಕವಿತಾ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಏಕ್ ಜವಾಭ್ದಾರಿ – ತಿ ಪಯ್ಲಿ ಕವಿನ್ ಖುದ್ದ್ ಪಾಳುಂಕ್ ಆಸ್ಚಿ ಮ್ಹಣ್ ಖರೆಂಪಣಿಂ ಪಾತ್ಯೆತಲೊಂ ಹಾಂವ್, ಆನಿ ಜೋನ್ ಸಯ್ತ್ ಹೆಚ್ ಚಿಂತ್ಪಾಚೊ ಮ್ಹಣ್ತಚ್ ತಾಚ್ಯಾ ಬರ್ಪಾಂಚೆರ್ ತಶೆಂಚ್ ವೆಕ್ತಿತ್ವಾಚೆರ್ ಮ್ಹಜೊ ಅಭಿಮಾನ್ ಖರೊ.

ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ ಸರ್ವಾಂಕ್ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಜಾಯ್, ಪುಣ್ ಕೋಣ್‌ಚ್ ಅಪುಣ್ ಖುದ್ದ್ ಜಾವ್ನ್ ಬದ್ಲುಂಕ್ ತಯಾರ್ ನಾ. ಪ್ರಗತಿಶೀಲ್ ಚಿಂತ್ಪಾಚಿ ಬುನ್ಯಾದ್ ಸಯ್ತ್ ಹಿಚ್; ಪ್ರಗತಿ, ಪುಣ್ ಪಯ್ಲಿ ಅಪ್ಣಾಚಿ, ಅಪ್ಲೆಂ ಚಿಂತಪ್, ಅಪ್ಲಿ ಅಭಿವ್ಯಕ್ತಿ, ಅಪ್ಲಿಂ ಕಾಮಾಂ ಬರಿಂ ಜಾಲಿಂ ತರ್ ಸಂಸಾರ್ ಅಪ್ಲೊಚ್ ಬದಲ್ತಾ ಶಿವಾಯ್, ಪೊಕೊಳ್ ಉತ್ರಾಂ ಗುಂತುನ್ ಸಮಾಜೆಕ್ ಪೊಕೊಳ್ ಸೂತ್ರಾಂ ಭಾಂದುನ್ ಕಾಂಯ್ ಎಕ್ಲ್ಯಾ ದೊಗಾಂಕ್ ಫಟವ್ಯೆತ್ ಪುಣ್ ಖುದ್ದ್ ಅಪ್ಣಾಕ್ ಫಟವ್ನ್ ಫೆಂವ್ಕ್ ಅಸಾಧ್ಯ್. ಸಾಹಿತ್ ರಚ್ತೆಲೆ ಸಯ್ತ್ ಎಕಾಚ್ ಇರಾದ್ಯಾನ್ ಸಾಹಿತ್ ರಚಿನಾಂತ್, ನಾಂವ್ ಜೊಡ್ಚಾಕ್, ಮಾನ್ ಜೊಡ್ಚಾಕ್, ಹವ್ಯಾಸಾಕ್ ವ ಖೊರೊಜ್ ಕಾಡ್ಚಾಕ್ ತರ್ ಮ್ಹಾಕಾ

ಕಿತ್ಯಾಕ್‌ಗೀ ಸಾಹಿತ್ ಏಕ್ ಜವಾಭ್ದಾರಿ ಮ್ಹಣ್ ಭಗ್ಲೆಂ ದೆಕುನ್ ಆಮಿ ಎಕ್ವಟಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ಭಲಾಯ್ಕೆಭರಿತ್ ಸಮಾಜ್ ಘಡ್ಚೆ ದಿಶೆಂತ್ ಭಲಾಯ್ಕೆಭರಿತ್ ಚಿಂತಪ್ ಉಟವ್ಯಾಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆ ಇರಾದ್ಯಾನ್ ಆಮಿ ಏಕ್ ಪಾಟ್‌ಥಳ್ ಆಸಾ ಕರುಂಕ್ ಮ್ಹಣುನ್ 'ಪ್ರಗತಿಶೀಲ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಬರವ್ಪಿ' ಮ್ಹಳ್ಳಿ ವೇದಿ ಭಾಂದುಂಕ್ ಏಕ್ ಮೇಟ್ ಕಾಡ್ಲೆಂ. ಥೊಡೆ ಜಮ್ಲೆ, ಥೊಡೆ ತಾಂಚ್ಯಾ ಸದಾಂಚ್ಯಾ ಸಂಯ್ಯಾಪರಿಂ ಪಯ್ಸ್ ಉರೊನ್ ತಮಾಸೊ ಪಳೆಲಾಗ್ಲೆ ಆನಿ ಉಣ್ಯಾ ಭಾವಾಡ್ತ್ಯಾಚ್ಯಾ ಥೊಡ್ಯಾಂಕ್ ಸುರು ಜಾಲ್ಲಿ ಪೊಡ್ಕಾಣಿ ಅಜೂನ್ ಆಸುನ್ ಖೊರ್ಬುನ್ ಘೆತೆಚ್ ಆಸಾತ್, ಆಸುಂ. ಪುಣ್ ಹ್ಯಾ ಚಿಂತ್ಪಾಚಿ ಬುನ್ಯಾದ್ ಸಮ್ಜುನ್ ಘೆತ್‌ಲ್ಲಿಂ ಭೊವ್‌ಚ್ ಥೊಡಿಂ. ಆನಿ ತಾಂತುಂ ಜೋನ್ ಸುಂಟಿಕೊಪ್ಪ ಎಕ್ಲೊ ಮ್ಹಣುನ್ ತಾಚಿಂ ಬರ್ಪಾಂಚ್ ಗೊವಾಯ್ ದಿತಾತ್.

ಆಮಿಂ ಯಂತ್ರಾಂಚಿಂ ಇತ್ಲಿಂ ಗುಲಾಮ್ ಜಾಲ್ಯಾಂವ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್, ಆಮ್ಚೆಚ್ಚ್ ಸೆಜಾರಾ ಮೋರ್ನ್ ಜಾಲ್ಯಾರೀ, ಜೆದೊಳ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಮಾಧ್ಯಮಾಂನಿ ವ ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಜಾಳಿಜಾಗ್ಯಾಂನಿ ತಾಂಚೆವಿಶಿಂ ಉಲ್ಲೇಕ್ ನಾ, ತೆದೊಳ್ ಮ್ಹಣಾಸರ್ ತಿ ಖಬರ್‌ಚ್ ನ್ಹಯ್ ದೆಕುನ್ ಆಮಿ ತಿ ಪಾತ್ಯೆನಾಂವ್. ಇತ್ಲೆಂಚ್ ನ್ಹಯ್, ಅಸಲ್ಯಾ ಮಾಧ್ಯಮಾಂನಿ ವ ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಜಾಳಿಜಾಗ್ಯಾಂನಿ ಖಬರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಕ್‌ಚ್ ಘಡ್ಯೆತ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯೊ ಖಬ್ರೊಯ್ ಆಸಾತ್, ಖಬ್ರೊ ರಚ್ಪಿಯೀ ಅಸಾತ್, ಕೊಣಾಕ್ ಫುಲಾಂತುರೆ ತರ್ ಆನಿ ಕೊಣಾಕ್ ಖಾಂಟ್ಯಾಭಾಲೆ ತೊಪುನ್ ಗುಪ್ತಿಂ ಪೋಟ್ ಭರ್ಚೆ ಆಣ್ವೆ ಸಯ್ತ್ ಚಡುನ್ ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್, ಅಪ್ಲ್ಯಾ ಮೊಗಾಚ್ಯಾಂಚೆರ್ ಅಪ್ಣಾಕ್ ಆಸ್ಚೊ ಮೋಗ್ ರುಜು ಕರುಂಕ್ ಸಯ್ತ್ ಮಾಧ್ಯಮಾಂ, ಸಮಾಜಿಕ್ ಜಾಳಿಜಾಗ್ಯಾಂನಿ ಗಾಜಂವ್ಚೆಂ, ಗುಮಾಟ್ ವಾಜಂವ್ಚೆಂ ಸಾಮಾನ್ಯ್ ಜಾಲಾಂ. ಆಮ್ಚ್ಯಾ ದೆವಾಚೆರ್, ಧರ್ಮಾಚೆರ್ ಆಸ್ಚಿ ಪಾತ್ಯೆಣಿ ರುಜು ಕರುಂಕ್ ಸಯ್ತ್ ಆಮಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಫೇಸ್‌ಬೂಕ್/ವಾಟ್ಸ್‌ಆಪಾಚೆರ್ ಡಿಪಿ ಬದ್ಲುನ್ ಸಂಸಾರಾಕ್ ಧಾಖಂವ್ಚಿ ಗರ್ಜ್ ಮ್ಹಣ್ ಪಾತ್ಯೆಂವ್ಚೆ ಪಿಶೆ ಚಡ್ಲ್ಯಾತ್. ಆಮ್ಚಿ 'ಜಿಯೆಂವ್ಚಿ ಜಿಣಿ' ಆನಿ ಆಮಿ ಸಮಾಜೆಕ್ 'ಧಾಖಂವ್ಚಿ ಜಿಣಿ' ಹ್ಯಾ ದೊನಾಂ ಮಧೆಂ ಆಸ್ಚೊ ಖಂದಕ್ ರೂಂದ್/ಗೂಂಡ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಯ್ಲಾ ತರ್‌ಯೀ ರಂಗಾ-ರುಪಾಕ್ ಸಂಸಾರ್ ಭುಲ್ತಾ ದೆಕುನ್ ಹೆಚ್ಚ್ ಕರ್ನ್ಯೆಕ್ ಆಮ್ಚೆ ಕವಿ ಲಾಗ್ಲ್ಯಾತ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಭೋವ್ ಮಾರ್ಮಿಕ್ ಸತ್.

'ಮೊನಿ ಬೋಬ್' ಕವಿತಾಜಮ್ಯಾಂತ್ 'ಅಪ್ಲೆಚ್ಚ್ ಭರುನ್ ಗೆಲ್ಲ್ಯಾ ಜಮ್ಯಾಂತ್ ಎಕ್ಸುರೊ ಜಾಂವ್ಚೆಂ' ಚಿಂತಪ್ ಆಸಾ,

'ಮೊನಿ ಬೋಬ್' ಜಮ್ಯಾಂತ್ಲಿಂ ಎಕೆಕ್ ಕವಿತಾ ಕಾಂಯ್ ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ವಾಚುನ್ ವಿಸರ್ಚೆ ತಸಲಿಂ ನ್ಹಯ್, ಕೊಶೆಡ್ಡ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾಂಕ್ ತರ್‌ಯೀ, ಎಕೆಕಾ ಕವಿತೆಂತ್ ದಿಸ್ಚಿ/ಆಯ್ಕುಂಚಿ ಬೋಬ್ ಮಾತ್ ಸ್ವಷ್ಟ್ ಆಯ್ಕತಾ. ಹಿ ಬೋಬ್ ಶಿವಾಯ್, ರುದಾನ್ ವ ಕಿಂಕ್ರಾಟ್ ನ್ಹಯ್, ಹ್ಯಾ ಕವಿತೆಂನಿ ಅವಾಜ್ ನಾ, ಗಾಜ್ ನಾ, ವಾ ಸಂಸಾರಾಕ್ ಘಟಂವ್ಚೆ ಜಾಂವ್ ಮನ್ಶ್ಯಾಪಣಾಕ್ ಫುಟಂವ್ಚೆಂ ಜಾಂವ್ ನಾ. ಪರತ್ ಪರತ್ ವಾಚುಂಕ್, ಆನಿ ಎಕೇಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ವಾಚ್ತಾನಾ ನವೆಂಚ್ ಕವಿತೆಚೆಂ ಅಮಾಲ್ ದಿಂವ್ಚೆಂ ಪ್ರಾಮಾಣಿಕ್ ಚಿಂತಪ್ ಆಸಾ.

ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ ದೋನ್ ವರ್ಗಾಚೆಂ ಚಿಂತಪ್ ಚಿಂತೆಲೆ ಯೆತಾತ್. ಏಕ್; ಹೆರಾಂಕ್ ಗಳ್ಸುನ್ ಜಿಯೆತೆಲೆ, ದೋನ್; ಅಪ್ಣಾಥಾವ್ನ್ ಹೆರಾಂಕ್ ತ್ರಾಸ್ ಜಾಯ್ನಾಯೆ ಮ್ಹಳ್ಳೆ ಚಿಂತ್ಪಾಚೆ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಚಿಂತಪ್ ಉಟಂವ್ಚಿಂ ಕವಿತಾ;

'ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮೊರ್ನಾಚಿ ಖಬರ್ ಪಾಚಾರುಂಕ್
ಇಗರ್ಜೆಚಿ ಘಾಂಟ್ ಮಾರಿನಾಕಾತ್
ಉಭ್ಯಾ ಸುಕ್ಣ್ಯಾಂಕ್ ತ್ರಾಸ್ ಜಾಯ್ತ್
ನೆಣ್ತ್ಯಾಂಕ್ ಜಾಗ್ ಜಾಯ್ತ್' [**ಮರಣ್ ಶಾಸನ್**]

ಹ್ಯಾ ಮತ್ಲಭಿ ಸಂಸಾರಾಂತ್ 'ಬಳ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾಂಚೆಂಚ್ ಬೊಳ್ಕೆಂ' ಆನಿ ಹೆಂ ಬೊಳ್ಕೆಂ ಕರುನ್ ಅಪ್ಲೆಂ ಜೊಳ್ಕೆಂ ಭರ್ತೆಲ್ಯಾಂಚಿ ಸಮಾಜಿಕ್ ಹಕೀಗತ್ ಆಟಾಪ್ಚಿ ಕವಿತಾ;

ಉಜೊ ಪೆಟಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಫಾರಿಜೆವಾನೊ
ವೆಗಿಂಚ್ ಪಾರ್ವ್ಯಾ ಸಂಪಯಾ
ಜಾತಾತಿತ್ಲ್ಯಾ 'ಬರಾಬ್ಬಸಾಂಚಿ ಫವ್ಜ್'
ಭಾಂದುಂಕ್ ಜಾಯ್ [**ದೆವಾಚೆಂ ರಾಜ್**]

ರಾಜಕೀಯ್ ಶೆತಾಂತ್ ವಾಂಟ್ಲ್ಲೆಂ ವೀಕ್ ಕಶೆಂ ಸಮಾಜಿಕ್ ತಾಸಯ್ತಾ, ಕೊಚಾಯ್ತಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಚಿಂತಪ್ ಆಟಾಪ್ಚಿ ಕವಿತಾ;

ಗೊರ್ವಾಂ ಸರ್ವ್ ಗಾಯೊ ಜಾವ್ನ್
ಗಾಯೊ ಸರ್ವ್ ದೇವ್ ಜಾವ್ನ್
ದೇವ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂಚ್ ನೆಣಾಸ್ತೆ ಸರ್ವ್
ದೇವ್ ರಕ್ಷಕ್ ಜಾವ್ನ್ [**ಮನ್ ಕಿ ಬಾತ್**]

ಮನ್ಶ್ಯಾಭಾಂದಾಂತ್ ವರ್ತೊ ಭಾಂದ್ ಆವಯ್ – ಹ್ಯಾ ಭಾಂದಾಚೆರ್ ವಿಣ್ಲಲಿ ಕವಿತಾ;

'ಆವಯ್..
ಹಿ ಚರಿತ್ರಾ ಕೊಣಾಕ್ ಜಾಯ್ ಸಾಂಗ್
ಪೊಟಾಥಾವ್ನ್ ಉಸ್ಕ್ಯಾಕ್
ಉಸ್ಕ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ಬಾವ್ಲ್ಯಾಂಕ್
ಉಪ್ರಾಂತ್ ಮೊಡ್ಡೆಕ್ ನಿಸರ್ನ್ ನಿಸರ್ನ್
ಚರಿತ್ರೆಚೆಂ ಪಾನ್ ಜಾಂವ್ಚಿ' [**ಆವಯ್**]

ಪೊಕೊಳ್ ಸಬ್ದ್ ಗುಂತುನ್ ರಂಗಾಳ್ ರೂಪ್ ಸಜವ್ನ್ ಸಮಾಜ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆ ಬಜಾರಾಂತ್ ವಿಕ್ತೆಲ್ಯಾಂಚೆರ್ ಬರಯಿಲ್ಲಿ ಕವಿತೆಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಪಳೆಯಾತ್;

ಆಯ್ಲೆವಾರ್ಚ್
ವೀಜ್ ಖಾಂಬ್ಯಾಕೀ ರಸ್ತ್ಯಾಕೀ
ವಾರ್ಡಿಕ್ ಜಾವ್ನ್
ಕವಿತೆಚೆಂ ಮರಣ್ ಜಾಲಾಂ' [**ಕವಿತಾ ಜಾಂವ್ಚಿ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ**]

ರಂಗಾಚ್ಯಾ ನಿಬಾನ್ ಸಮಾಜ್ ಮೊಡ್ತೆಲ್ಯಾಂಕ್ ವ್ಹಾರೆಂ, ಉದಕ್ ಸಯ್ತ್ ಸೊಡುಂಕ್ ನಾಕಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂಚ್ ಚಿಂತಪ್ ವ್ಹಾಳಂವ್ಚಿ ಕವಿತಾ;

'ದಗ್ದೋಣಿಚ್ಯಾ ಸುರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಉಜ್ವಾಡಾಕ್
ಪರ್ಜಳ್ಚೆಂ ಉದಕ್ ತುಂ
ಪಾಚ್ವೆಂ? ಯ ನಿಳ್ತೆಂ?
ಮ್ಹಾಕಾ ಅಜ್ಯಾಪ್..' [ದೇಸಾಂತರ್]

ಕವಿ ಪಯ್ಸ್ ಆಸ್ಲ್ಯಾರ್‍ಯೀ ತೊ ಸರ್ವ್ ಪಳೆತಾ, ಪಾರ್ಕಿತಾ, ಆನಿ ವೊರಾವ್ನ್ ಪಳೆತಾ ಅನಿ ಮವ್ನ್ ಜಾವ್ನ್ ಉತ್ರಾಂನಿ ಬೊಬ್ ಘಾಲ್ತಾ ಅಶಿ;

'ತರ್ ಅಲೋಚನ್ ಬಂಧ್ ಕರ್
ದೊಳೆ ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರಿ ದೀಶ್ಟ್ ಲಾಯ್ನಾಕಾ
ದರಬಸ್ತ್ ಬೋಲ್ಸ್ ಭರುಂದಿ
ಕಿತೆಂ ಕರುಂ
ಮ್ಹಾಕಾ ವಾಯ್ದ್ಯಾಚಿ ಖೊಂಕ್ಲಿ' [ವಾಯ್ದ್ಯಾಚಿ ಖೊಂಕ್ಲಿ]

ಹರ್ಯೆಕಾ ಸಮಾಜೆಂತ್ ಮನ್ಶ್ಯಾಪಣಾಚೊ ಭೊಂಗೊಸ್ಲೊಳ್ ಜಾಂವ್ನೊ ಏಕ್ ಪ್ರಾಮಾಣಿಕ್ ಕವಿ ಜಾವ್ನ್ ಕಸೊ ಸೊಸುಂಕ್ ಸಕ್ತಾ? ದೆಕುನ್ ಹಿ ಕವಿತಾ ಉಭಿ ಜಾಲ್ಯಾ;

'ಸುಕ್‍ಲ್ಲ್ಯಾ ಧರ್ಣೆಂತ್ ಕಿರ್ಲಂವ್ಚ್ಯಾ
ಬೊಂಬ್ ಬಂದುಕೆಂಕ್ ಕಿತ್ಲೆಂ ಮ್ಹಣ್
ಹುಮ್ಬುನ್ ಕಾಡುಂ' [ದುಕಿಚೆ ಮಿಸ್ತೆರ್]

ಆವಾಜ್-ಗಾಜ್ ಭರ್‍ಲ್ಲ್ಯಾ ವರ್ತುಲಾಂತ್, ಜಾಯ್ತೆಪಾವ್ಪಿಂ ಮನ್ಶ್ಯಾಪಣ್ ಥಕುನ್ ಘೆಂವ್ಚೆಂ ವಾಜ್ಬಿ ಚಿಂತಪ್ ಹಾಂಗಾಸರ್ ಆಸಾ;

'ಖಿಣಾನ್ ಹಾಂವ್
ಬುಗುರಿ ಜಾಲೊಂ' [ಜಿಹಾದಿಂಚ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್]

ಹಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಕಾಂಯ್ ನವಿಂ ನ್ಹಯ್, ಬಗಾರ್ ಚಡ್ತಾವ್ ಸಂಘಟನಾಂಚಿ ಹಕೀಗತ್;

'ತಿಂ ಮಾತ್ರ್ ಉಲವ್ನ್ಯಾಚ್ ಆಸ್ಲಿಂ
ಮಾಯಾಕ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಗಾಯ್ರಾಂವಿಶಿಂ
ಗುರ್ವಾರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಚೆಡ್ವಾಂವಿಶಿಂ' [ಸಂಘಟನ್]

ಕವಿ ವೊಗೊ ತರ್‍ಯೀ ತೊ ಜಾಗೊ, ದೆಕುನ್ ಹಿಂ ಉತ್ರಾಂ;

'ರಸ್ತ್ಯಾ ಲಾಂಭಾಯ್ಕಿ
ಘೊಂಕ್‍ಲ್ಲೆ ಸಬ್ಧ್' [ಗರಮ್]

ಹಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಕಾಂಯ್ ಕವಿಚ್ಯಾ ಪ್ರಾಮಾಣಿಕ್ ಚಿಂತ್ಪಾಚಿ ಕುರುಃ ದಿತಾ, ಎಕಾ ಪ್ರಗತಿಶೀಲ್ ಚಿಂತ್ಪಾಚೊ ಕವಿ ಕೆದಿಂಚ್ ಕೊಣಾಯ್ಚೆಂಯ್ ವಾಯ್ಟ್ ಚಿಂತಿನಾ, ಗುಪ್ತಿಂ/ಸುಪ್ತಿಂ ಮಾನ್ ಕಾಡುಂಕ್ ವಾ ವಾಯ್ಟ್ ಕರುಂಕ್ ವಚಾನಾ, ಹೆಂಚ್ ಚಿಂತಾಪ್ ಹ್ಯೆ ಕವಿತೆಂಚ್ ದಿಸ್ತಾತ್;

'ಮ್ಹಾಕಾಯ್ ಆಸಾ ಆಶಾ
ಉಸ್ವಾಸ್ ಕಾಡುಂಕ್
ಸೊಭಾಯೆಚೆಂ ಫುಲ್ ಫುಲಂವ್ಕ್' [ಫುಲ್ ಫುಲ್ಚೊ ವೇಳ್]

ಪುಣ್ ಕವಿಲಾಗಿಂ ಉತ್ರಾಂಚೊ ಬೊರ್‍ಗ್ಳೊ ನಾ, 'ಉಶೆಂ' ಕವಿತೆಚ್ಯೊ ಹ್ಯೊ ವೊಳಿ ಕಿತ್ಲ್ಯೊ ಅಪುರ್ಬಾಯೆಚ್ಯೊ ಪಳೆಯಾ;

'ಜಲ್ಮ್-ಮರಣಾಚ್ಯಾ ತ್ಯಾ
ಚೆಕ್ ಪೋಸ್ಟಾ ಭಂವಾರಿಂ
ಪಾಸಾಯೊ ಮಾರುಂಕ್
ಉಶೆಂಚ್ ಪರ್ವಣ್ಗಿ' [ಉಶೆಂ]

ರೊಮ್ಯಾಂಟಿಕ್ ಚಿಂತ್ಪಾಚ್ಯಾ ಬುನ್ಯಾದಿಚೆರ್ ಉಭಿ ಜಾಲ್ಲಿ ಕವಿತೆಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ;

'ತುಂ ಗೆಲ್ಲೆ ರಾತಿಂ
ತೆಂ ಬಾಗಿಲ್ ಉಗ್ತೆಂಚ್ ಆಸ್ಲೆಂ
ಕಾಳ್ಜಾಚ್ಯಾ ಗುಂಡಾಯೆಕ್
ರೊಂಬ್ಲಲಿಂ ತಾಂಬ್ಡಿಂ ಪಾಳಾಂ
ಅಪ್ಲೇಸ್ತಕಿಂ ಚಿರ್ತಾಲಿಂ' [ತುಂ ಗೆಲ್ಲೆ ರಾತಿಂ]

ಮೊನಿ ಬೋಬ್ ಭೋವ್ಹಾ ಹಿಚ್ಚ್;

'ಮ್ಹಜೆ ಭಿತರ್ಲೊ ಘಾಯ್
ಗಾಯನ್ ಜಾವ್ನ್
ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್ಲಾ' [ಘಾಯ್]

ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಪಾತ್ಕಿ ಅಂತಸ್ಕರ್ಣಾಕ್ ಖೊಂಚ್ತಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಪಳೆಯಾತ್;

'ಆಮ್ಚೆಂ ಕಾಮುಕ್‌ಪಣ್
ಥೊಡೆ ಪಾವ್ಟಿಂ
ಪಾಳ್ಣೆ ಧಲ್ತಾ
ಆನಿ ಥೊಡೆ ಪಾವ್ಟಿಂ
ಖಿಚ್ರ್ಯಾ ಡಬ್ಬೊ ಭರ್ತಾ' [ಗರ್ಭಾಪಾತ್]

ಚಡ್ತಾವ್ ಕವಿತಾ ಅಪುರ್ಬಾಯೆಚ್ಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಚ್, ತಾಂತುಂ ಏಕ್-ದೋನ್ ಕವಿತಾ ವಿಂಚುಂಕ್ ತ್ರಾಸ್, ಹ್ಯಾ ಕವಿತೆಚ್ಯೊ ಥೊಡ್ಯೊ ವೊಳಿ ಪಳೆಯಾ;

'ಮೆಲ್ಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್
ಹಾಂವ್ ಏಕ್ ಸವಾಲ್ ಜಾವ್ನ್‌ಚ್
ಉರೊಂಕ್ ಜಾಯ್
ಕೊಣ್ಯ್‌ಯೀ ಚಲಾನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ
ವಾಟೆಂತ್ ಚಮ್ಕುಂಕ್ ಜಾಯ್
ನಿಗೂಡ್‌ಪಣಾಚ್ಯಾ ಸುಳಿಂತ್ ಶೂನ್ಯ್ ಜಾಯ್ಜಯ್
ಆನಿ ಪರತ್ ಹಾಂವ್ ಜಲ್ಮಾಜಾಯ್
ಧರ್ನ್ ಥಾಂಬೆಂವ್ಚ್ಯಾ ತಣಾ ಥಾವ್ನ್
ಮನ್ಶಾಕುಳಾಕ್ ಜೀವ್ ದಿಂವ್ಚೊ
ರೂಕ್ ಜಾವ್ನ್
ಅಖೇರಿಕ್ ಪುಣ್ಯ್‌ಯೀ ನಿಸ್ವಾರ್ಥಿ ಜಾಯ್ಜಯ್' [**ಮರಣ್**]

ಧಾರ್ಮಿಕ್ ವಿಚಾರಾಂಚೆರ್ ಉಭಿಂ ಕೆಲ್ಲಿಂ ಸವಾಲಾಂ;

'ಘೊವಾ
ಪುನರ್ ಜಿವಂತ್‌ಪಣ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್
ಫಕತ್ ಮರಣಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ಲೆ
ವಿಚಾರ್ ನ್ಹಯ್' [**ಏಕ್ ಪುಟ್**]

ತಾತ್ವಿಕ್ ಚಿಂತ್ಪಾಚ್ಯೆ ಬುನ್ಯಾದಿಚೆರ್ ಉಭಿ ಕೆಲ್ಲಿ ಕವಿತಾ;

'ಪಾಚ್ವೆಂಪಣ್ ಜಿವೆಂಪಣ್
ಕರ್ಗೊನ್ ಕರ್ಗೊನ್
ದಾಧೊಸ್ಕಾಯೆಚೊ ಕಾಳ್ ಸಂಪ್ಲಾ' [**ಉದ್ಕಾಮೂಳ್**]

ಮನ್ಶಾಪಣಾಚೆರ್ ಅಸ್ಕತ್ಯಾಂಚೆರ್ ಜಾಂವ್ಚೊ ಜುಲುಮ್ ಉತ್ರಾಂನಿ ಘಾತ್ರಾಂವ್ಚಿ ಕವಿತಾ;

'ನಿರಪ್ರಾಧಿ ಇಮಾಜಿ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್
ಕೊಯ್ತಿ ಪಾಜ್ತೆಲೆ
ಹಾತ್ ಜೋಡ್ನ್ ದಿಂಬಿ ಘಾಲ್ತಚ್
ಚಾಮ್ಡೆಂ ಸೊಲ್ತಾಲೆ' [**ಹೊ ದೇಸ್**]

ವಿಡಂಬನಾತ್ಮಕ್ ಚಿಂತ್ಪಾಚಿ ಕವಿತಾ;

'ತೊ ಉಮ್ಕಳಾಯಿಲ್ಲೊ ಪಾಸ್
ಅನಿಕಿ ಥಂಯ್ಚರ್ ಆಸಾ
ಆಸುಂದಿ ಸೊಡಾ
ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಪರ್ತ್ಯಾನ್
ಹಾಂವೆಂ ಗಳೊ
ಪಾಸಾಕ್ ಲಾಯ್ಲಯ್' [**ಪಾಸ್**]

ಹಿ ಕವಿತಾ ಕಾಂಯ್ ವಾಸ್ತವ್ ಸಮಾಜಿಕ್ ಕಾಣಿ ಸಾಂಗ್ತಾ;

'ಪುಣ್ ಕುಕ್ಕರಾಂತ್ಲೆಂ ಮಾಸ್ ಮಾತ್ರ್
ಭಾಯ್ರ್ ಚರುನಾಸಾ ಸವ್ಕಾಸ್
ಪರ್ಮಳ್ ಜಾವ್ನ್
ಚರುಂಕ್
ದೂದ್ ದೀಂವ್ಕ್' [**ಮಾಸ್**]

ಕವಿತೆಚೆಂ ಅಮಾಲ್ ಚಡಂವ್ಚಿ ಕವಿತಾ ಹಿ;

'ಬೆಬ್ದೊ ಬಾಪುಯ್ ಪುರ್ಸುರಿ ಮಾಂಯ್
ಹಾಂಚಿ ಲಡಾಯ್ ಆಬ್ಲೆಸ್ ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್
ನೆಣ್ತ್ಯಾಚೆಂ ರಡ್ಣೆಂ
ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಘರ್‌ಭರ್ ಮವ್ನ್
ವಾಸ್ತ್ಯಾ ವೊಂಟಾಂಕ್
ಪಾಳ್ಣ್ಯಾ ಗಿತಾಂಚಿ ಜಡಾಯ್' [**ಥೊಡ್ಯೊ ಚುಕಿ**]

ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕವಿತೆಂಚೆ ಥೊಡೆ ಜಮೆ ಹಾಚ್ಯಾಥಿಂ ಹಾಂವೆಂ ಬುಕಾರುಪಾರ್ ಪರ್ಗಟ್ ಕೆಲ್ಯಾತ್; ದೆ। ಜೊರ್ಜ್ ಪೀಂತ್ ಆಯ್ಕೊಳಾಚೊ ಪಯ್ಲೊ ಕವಿತಾಜಮೊ **'ಜಿವಿತಾ ಸೊಭಾಣ್'** (2003), ಎಚ್ಚೆಮಾಚೆ **'ಕಯ್ದ್ಯಾಚ್ಯೊ ಕವಿತಾ'** (2004), ಆನಿ **'ಬಾಮುಣಾಂಚೆಂ ಚೆಡುಂ'** (2006), ಡಾ।ಆಸ್ಟಿನ್ ಡಿ'ಸೋಜ್ ಪ್ರಭುಚೊ **'ಆಡೊಸಾಂತ್ಲಿಂ ಫುಲಾಂ'** (2007), ಆಂಡ್ರು ಎಲ್. ಡಿ'ಕುನ್ಹಾಚೊ ಪಯ್ಲೊ ಕವಿತಾಜಮೊ **'ವ್ಹಳೂ ವ್ಹಳೂ ವಾಳ್ ವ್ಹಾಳ್ಯಾ** (2004)', ಮೆಲ್ವಿನ್ ಜೆರಾಲ್ಡ್ ವಾಸಾಚೊ **'ಆಟ್ವ್ಯಾ ರಂಗಾಚೊ ಥೊಂಬು'** (2007), ಅನಿಲ್ ಪೆರ್ನಾಲಾಚೊ **'ಮುಖಾಂ ಪಾಟ್ಲಿಂ ರುಪಾಂ'** (2007), ಮಾ।ಬಾ।ಮೆಲ್ವಿನ್ ಪಿಂಟೊ ನೀರುಡೆಚೊ ಪಯ್ಲೊ ಕವಿತಾಜಮೊ **'ಮ್ಹೊಂವ್ ಆನಿ ಮೂಸ್'** (2008) ಆನಿ ಹೆರ್ ಬೂಕ್. ಪುಣ್ ಥೊಡ್ಯಾ ಕವಿತಾಜಮ್ಯಾಂನಿ ಮ್ಹಾಕಾ ತೆ ಪರ್ಗಟ್ ಕರುಂಕ್ ಮನ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಭೋವ್ ಚಡ್ ದಾಧೊಸ್ಕಾಯ್ ಭಗ್‌ಲ್ಲಿ, ತಾಂತುಂ **'ಮೊನಿ ಬೋಬ್'** ಖಂಡಿತ್ ಏಕ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ ಮ್ಹುಣುನ್ ಪ್ರಾಮಾಣಿಕ್ ಜಾವ್ನ್ ಉಚಾರ್ಲಿ ಕರ್ತಾಂ.

ಏಕಾ ವಾಟೆರ್ ಆಮಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಚ್ಯಾರ್ ರಾಜ್ಯಾಂನಿ ಉಲಂವ್ಚಿ, ಪಾಂಚ್ ಲಿಪಿಯೆಂತ್ ಪರ್ಜಳ್ಚಿ, ಚಾಳಿಸಾಂವಯ್ರ್ ಬೊಲಿಂನಿ ಪ್ರಚಾರಾರ್ ಆಸ್ಚಿ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಭಾಸ್ ಮ್ಹುಣುನ್ ಹರ್ಧಿಂ ಪೆಟ್ತಾಂವ್ ತರ್ ಹಕೀಗತೆಂತ್ 'ಹೆ ಆಪ್ಲೆ ದೆಕುನ್ ಸಾರ್ಕೆಂ' ತೆ ಪಯ್ಸಿಲೆ ದೆಕುನ್ ತಾಂಚೆಂ ಬರೆಂಪಣ್ ಸಮ್ಜುಂಚಿ ಶ್ಯಾಥಿ ಸಯ್ತ್ ನಾಸ್ತೆ ಕುಡ್ಡೆ ಆನಿ ದೊಡೆಂ ವೆಕ್ತಿತ್ವ್ ಆಪ್ಣಾಯಿಲ್ಲೆ ಹಿಪೊಕ್ರೆತ್. ಆಮ್ಚಿಂ ಬರಿಂ ಕಾಮಾಂಚ್ ಆಮ್ಚಿ ಪಯ್ಲಿ ಅಭಿವ್ಯಕ್ತಿ ಜಾಂವ್. ಕೊಂಕ್ಣೆಚೊ ಪ್ರಾಮಾಣಿಕ್ ಹುಸ್ಕೊ ಆನಿ ಅಭಿಮಾನ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಕೊಣೆಂಯ್ ಏಕಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಮನ್ತ್ಯಾಚೆರ್ ಕರ್ಜೊ/ಕೆಲ್ಲೊ ಕಸ್ಲೊಯ್ ಗುನ್ಯಾಂವ್ ಕೊಂಕ್ಣೆಚೆರ್ ಕರ್ಜೊ/ಕೆಲ್ಲೊ ಮ್ಹುಣುನ್ ಸಮ್ಜುಂಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ. ಆಮ್ಚೊ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸ್ಪಿರಿತ್; ಪರ್ಮಳಿಕ್ ವ್ಹಾರೆಂ ಜಾವ್ನ್ ಮೆರೊ ಉತ್ರೊನ್ ವಚುಂದಿ, ಭಲಾಯ್ಕೆಚೆಂ ಉದಾಕ್ ಜಾವ್ನ್ ಸಾಗೊರಾಚ್ಯೆ ವಾಟೆರ್ ವ್ಹಾಳುಂದಿ. ಆನಿ ಹ್ಯಾ ದಿಶೆನ್ ಹಿ ಮೊನಿ ಬೋಬ್ ಆಯ್ಕುಂಕ್ ಸರ್ವಾಂಚ್ಯಾ ಕೊಶೆಡ್ಡಾಚಿಂ ದಾರಾಂ ಉಗಡುಂದಿ ಮ್ಹಳೆಂಚ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಖಾಲ್ತೆಂ ಮಾಗ್ಣೆಂ.

– ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್

ನವೆಂಬರ್, 2017

ಸುರ್ವಿಲಿಂ ದೋನ್ ಉತ್ರಾಂ

ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಶೆತಾಂತ್ ಮ್ಹಜೊ ಪಯ್ಲೊ ಕವಿತಾ ಜಮೊ ಘೆವ್ನ್ ಹಾಂವ್ ಆಯ್ಲಾಂ. ಹ್ಯಾ ವೇಳಾರ್ ಹಾಂವ್ ಮ್ಹಾಕಾಚ್ ಕೊಡ್ಗ್ಗಾಚೊ ವಿರಾಜ್ ಪೇಟ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕ್ರೀಸ್ತಾಂವ್ ಕುಟ್ಮಾಂಚೊ ಏಕ್ ಸಾದೊ ಪ್ರತಿನಿಧಿ ಮ್ಹಣ್ ಲೆಕುಂಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಅಭಿಮಾನ್ ಭೊಗ್ತಾ. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಟಿಪ್ಪು ಸುಲ್ತಾನಾಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಮಂಗ್ಳೂರ್ ಪ್ರಾಂತ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ಝುಜ್ ಕಯ್ದಿ ಜಾವ್ನ್ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಭಾವಾಡ್ತಾ ಖಾತಿರ್ ಮಾಡ್ತಿರ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಆನಿ ಕೊಡ್ಗಾಚೆ ರಾಯಾನ್ ದಾಖಯಿಲ್ಲೆ ಕುರ್ರೆನಿಮ್ಹಿಂ ಕೊಡ್ಗಾಂತ್‌ಚ್ ವಸ್ತಿ ಕರ್ನ್ ಸ್ಥಳೀಯ್ ಸಂಸ್ಕೃತಿಂಚೊ, ಭಾಸೆಂಚೊ ಹಲ್ಲೊ-ಪ್ರಭಾವ್ ಸೊಸುನ್ ಆನಿ ಆತಾಂ ಮಂಗ್ಳೂರಾಂತ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಉಲಯ್ತಾನಾ ಏಕಾ 'ದಲಿತ' ತಶೆಂ ಭೊಗ್ತಾ. ಸರ್ವ್ ಕೊಡಗು ಕ್ರೀಸ್ತಾಂವ್‌ಂಚೊ ಹಾಂವ್ ಏಕ್ ಸಾಂಸ್ಕೃತಿಕ್ ಪ್ರತಿನಿಧಿ ಮ್ಹಣ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಭೊಗ್ತಾ.

ಮ್ಹಜಿ ಮಾಯ್‌ಭಾಸ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ತರ್‌ಯೀ ಮ್ಹಜೆಂ ಕಾಳ್ಜಾಚೆಂ ಭಾಸ್ ಕಾನಡಿ. ದೀಸ್ ರಾತ್ ಬೂಕಾಂ ಭಿತರ್ ರಿಗೊನ್ ಸಾಹಿತ್ಯಾಚೊಚ್ ಉಸ್ವಾಸ್ ಕಾಡ್ನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ಮ್ಹಜೊ ಪಪ್ಪಾ ದೆವಾದಿನ್ ಜೋಸೆಫ್ ಡಿ'ಸೋಜಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಶೆತಾಚಿ ರೂಚ್ ಚಾಕಯಿಲ್ಲೊ ಪಯ್ಲೊ ವೆಕ್ತಿ.. ಆನಿ ಹೆಂ ವಾಸ್ಟಂ ಪಿಶೆಂಪಣ್ ಮ್ಹಾಕಾಯ್ ಲಾಗ್ಲೆಂ ಆನಿ ಹಾಂವ್ ಸವ್ಯಾಸ್ ಬರೊಂವ್ಕ್‌ಯೀ ಲಾಗ್ಲೊಂ. ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ದಲಿತ-ಬಂಡಾಯ್-ಪ್ರಗತಿಶೀಲ್ ಸಾಹಿತ್ಯ ಚಡ್ ರುಚ್ಲೆಂ.

ಜರ್ ತರ್ ಸಾಹಿತ್ಯ ವಾಸ್ತವಿಕತಾ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ಸರ್ತಾ ತೆದ್ನಾ ತೆಂ ಫಕತ್ ಸಪಣ್ ಜಾತಾ. ಕೊಡ್ಗಾಂತ್ ದುಬ್ಳಿಕುಟ್ಮಾಂತ್ ಜಲ್ಮಲ್ಯಾಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ ದಲಿತ-ಬಂಡಾಯ್-ಪ್ರಗತಿಶೀಲ್ ಚಿಂತಾಪ್ ಚಡ್ ವಾಸ್ತಾವಿಕ್ ಜಾವ್ನ್ ದಿಸ್ಲೆಂ.

ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಮ್ಹಜೊ ಪಯ್ಲೊ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಮಿತ್ರ್ ದೆವಾದಿನ್ ಲ್ಯಾನ್ಸಿ ಪಿಂಟೊ ಆನಿ ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಮ್ಹಜಿ ಪಯ್ಲಿ ಕವಿತಾ ಪರ್ಗಟ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ 'ಕಿಟಾಳ್'ಚೊ ಸಂಪಾದಕ್ ಬಾಬ್ ಎಚ್ಚೆಮ್ ಪೆರ್ನಾಲಾಕ್ ಹಾಂವ್ ಹ್ಯಾ ವೆಳಾ ಆಭಾರಿ ಜಾವ್ನಾಸಾಂ.

ಹ್ಯಾ ದಿಸಾನಿಂ ಸಬಾರ್ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಮಿತ್ರಾಂಚೆಂ ಇಷ್ಟಾಗತ್ ಕರ್ಚೆಂ ಭಾಗ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಮೆಳ್ಳಾಂ ಪುಣ್ ತೇಗ್ ಸಾಹಿತಿ ಮಿತ್ ಮ್ಹಜೊ ಖರೊ ಈಷ್ಟ ಜಾವ್ನ್ ಹಾಂವ್ ಬರೊಂವ್ಕ್ ಪ್ರೇರಣ್ ಮ್ಹಣ್ ಸಾಂಗುಂಕ್ ವರ್‍ತೊ ಅಭಿಮಾನ್ ಭೊಗ್ತಾ. ತೆ ಬಾಬ್ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್, ಮಾ.ಬಾ. ಜೋಸಿ ಸಿದ್ದಕಟ್ಟೆ ಆನಿ ಬಾಬ್ ಕಾಜೂರು ಸತೀಶ್. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯ ಕಿತ್ಲೆಂ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಆನಿ ವಿಶಿಷ್ಟ್. ಹರ್ಯೆಕಾ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಆಪ್ಲೆ ಮಾಯ್‌ಭಾಸೆಚೆರ್ ಆಸ್ಚಿ ಜವಾಬ್ದಾರಿ ಕಸಲಿ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವ್ ಬಾಬ್ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸಾ ಥಾವ್ನ್ ಶಿಕ್ಲೊಂ. ಹಾಂವ್ ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಬರೊಂವ್ಕ್ ಪ್ರೇರಕ್ ಜಾವ್ನ್, ಮಾರ್ಗದರ್ಶಕ್ ಜಾವ್ನ್, ಈಷ್ಟ ಜಾವ್ನ್ ಏಕ್ ಭಾವಾ ಸಾರ್ಕೊ ಮೋಗ್ ದೀವ್ನ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಸ್ಟಾಂತ್ ತಶೆಂ ದುಕಾಂತ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಧಯ್ರ್ ದೀವ್ನ್ ಆಜ್ ಹೊ ಬೂಕ್ ಫಾಯ್ಸ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಕಾರಣ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಬಾಬ್ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸಾಕ್ ಹಾಂವ್ ಜೀಣ್‌ಭರ್ ಆಭಾರಿ ಜಾವ್ನಾಸಾಂ.

ತಶೆಂಚ್ 'ನಮಾನ್ ಬಾಳೊಕ್ ಜೆಜು'ಚೊ ಸಂಪಾದಕ್ ಮಾ.ಬಾ. ಜೋಸಿ ಆನಿ ಬಾಬ್ ಕಾಜೂರು ಸತೀಶ್‌ಚೊ ಖರೊ ಮೋಗ್ ಆನಿ 'ಪ್ರೇರಣ್'ಖಾತಿರ್ ಹಾಂವ್ ಸೊಮ್ಯಾಕ್ ಅರ್ಗಾಂ ಪಾಟಾಯ್ತಾಂ.

ಮ್ಹಜೆರ್ ಭರ್ವಸೊ ದವರ್‍ನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಮೋಗಾನ್ ಮಾರ್ಗದರ್ಶನ್ ದಿಲ್ಲೆ ಕೊಂಕ್ಣೆಚೆ ನಾಮ್ನೆಚೆ ಕವಿ/ಸಾಹಿತಿ ಬಾಬ್ ಮೆಲ್ವಿನ್ ರಾಡ್ರಿಗಸ್, ಬಾಬ್ ಆಂಡ್ರ್ಯೂ ಎಲ್. ಡಿಕುನ್ಹಾ, ಬಾಬ್ ಡೊ.ಎಡ್ವರ್ಡ್ ನಜ್ರೆತ್ ಆನಿ ಬಾಬ್ ಜಿ.ವಿ.ಕಾರ್ಲೊ ಹಾಂಕಾಂ ಹಾಂವ್ ಆಭಾರಿ ಜಾಂವ್ನಾಸಾಂ. ಪೊಯೆಟಿಕ್ಸ್ ವಾಟ್ಸಾಪ್ ಗ್ರೂಪಾ ಮುಖಾಂತ್ರ್ ಸರ್ವ್ ಸಾಹಿತಿ ಮಿತ್ರಾಂಚೆ ಮೋಗ್ ಮೆಳಾಶೆಂ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಬಾಬ್ ವಿಲ್ಸನ್ ಕಟೀಲ್ ಆನಿ ಮ್ಹಜೆಂ ಕವಿತಾ ಪರ್ಗಟ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಸರ್ವ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಪತ್ರಾಂಚ್ಯಾ ಸಂಪಾದಕಾಂಕ್ ಹಾಂವ್ ಅರ್ಗಾಂ ಪಾಟಾಯ್ತಾಂ.

ಮ್ಹಾಕಾ ಪ್ರೇರಕ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಮಾ.ಬಾ.ಎಡ್ವರ್ಡ್ ವಿಲಿಯಂ ಸಲ್ಡಾನಾ, ಮಾ.ಬಾ.ಸ್ಟೀಪನ್ ಪಿರೇರ್, ಬಾಬ್ ಸ್ಟಾನಿ ಟ್ರಿವೇಂಡ್ರಮ್, ಬಾಬ್ ಮಾಚಯ್ಯ, ಫ್ಲಾವಿಯಾ ಆಲ್ಬುಕರ್ಕ್, ಮ್ಹಜೊ ಭಾವ್ ಬಾಬ್ ಜೆರೋಮ್, ಮಾಯ್ ಮೇರಿ, ಭಯ್ಣಿ ಜಾಕ್ಲಿನ್ ಆನಿ ರೀಟಾ ಸಕ್ಡಾಂಚೊಯೀ ಹಾಂವ್ ಹ್ಯಾ ವೆಳಾ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಕಾಡ್ತಾಂ.

ಕಾಜಾರಿ ಜಿವಿತಾಚೆ ರಾಟಾವಳಿಂತ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಹೆಂ ಪಿಶೆಂಪಣ್ ಸೊಸುನ್ ವರ್ಚ್ಯಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪತಿಣ್ ಒಲಿವಿಯಾಚೊ ಆನಿ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂ ಜೋತ್ಸ್ನಾಚೊ ಪಾಟಿಂಬೊ ವರ್‍ತೊ ಜಾವ್ನಾಸಾ.

ಆಖೇರಿಕ್ ಹೊ ಬೂಕ್ ಕೊಡಗು ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಶೆತಾಕ್ ಏಕ್ ಪ್ರಸ್ತಾವನ್ ಜಾಂವ್ದಿ ಆನಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಂನಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಸೆಚೆರ್ ಮೋಗ್ ವಾಡೊಂದಿ ಮ್ಹಣ್ ಆಶೆವ್ನ್ ಸಮೇಸ್ತಾಂಕ್ ಬರೆಂ ಮಾಗ್ತಾಂ.

– **ಜೋನ್ ಸುಂಟಿಕೊಪ್ಪ.**

ಇಮೇಯ್ಲ್:johnpaul.oliviya@gmail.com

ಕೊಡಗು, ನವೆಂಬರ್ 2017

ಅರ್ಪಣ್

ದೋನ್ ಶೆಕ್ಡ್ಯಾಂಧಿಂ ರಾಜಕೀಯ್ ಕಾರಣಾಂಕ್ ಲಾಗುನ್ ಮಾಯ್‌ಗಾಂವ್ ಸಾಂಡುನ್ ಕ್ರೀಸ್ತಿ ಭಾವಾಡ್ತಾಖಾತಿರ್ ಖಬರ್ ನಾಸ್ತಾಂಚ್ ಮಾಡ್ತಿರ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಸರ್ವ್ ಪುರ್ವಜಾಂಕ್ ಅಭಿಮಾನಾನ್ ಹಿ ಮ್ಹಜಿ ಪಯ್ಲಿ ಕೃಥಿ ಸಮರ್ಪಿತಾಂ

– ಜೋನ್ ಸುಂಟಿಕೊಪ್ಪ

1. ಜೀಬ್ ಆನಿ ರೂಕ್ ..

ತೊ ವಚೊನ್
ತೇಂಪ್ ಕಿತ್ಲೊ ಜಾಲೊಗಿ...
    ದೀಸ್ ರಾತ್ ಜಾವ್ನ್
    ರಾತ್ ಅನಿಕೀ ಕಾಳ್ಕಿ ಜಾವ್ನ್
    ಪ್ರಾಯ್ ಭರೊನ್ ಪಿಂರ್ಗತಾ!
ಕಾಳೊಕಾಚೆ ಕಣ್ ಕಣ್‌ಯೀ
ಮಾಂಯ್ಚಿ ಮಾಂಯ್
ಸುನೆಚಿ ಸುನ್ ಮ್ಹಣ್
ಚಾಬೊನ್ ಪಡ್ಲ್ಯಾಂತ್
    ಮಾತಿಯೆಂತ್ ಮಾತಿ ಜಾಲ್ಲಿ
    ಕೂಡ್ ಅನಿಕ್‌ಯೀ ಸಲ್ವಾನಾ
    ತಿ ಜೀಬ್
    ತಿ ಜೀಬ್ ಆತಾಂ ಖಿರ್ಲೊನ್
    ವ್ಹಡ್ ರೂಕ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಡ್ ಪಡ್ಲ್ಯಾ
    ವ್ಹಾಳ್ಚ್ಯಾ ವಾರ್‍ಯಾಕ್‌ಯೀ
    ಕಾಂತಾಳೊ.. ದುರ್ಸೊಣ್
ಜೀಬ್ ರೂಕ್ ಜಾವ್ನ್
ರೂಕ್ ಜೀವ್ ಜಾವ್ನ್
ಎಕೇಕ್ ಪಾಳ್‌ಯೀ
ಮಾಂಯ್ ಸುನ್ ಮ್ಹಣ್ ಝುಗಡ್ತಾನಾ
ಹ್ಯಾ ಮಾತಿಯೆಕೀ ವಿರಾರಾಯ್..
    ಆತಾಂ
    ಖಂಯ್ ಥಾವ್ನ್‌ಗೀ
    ಉಭೊನ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಕಾವ್ಳ್ಯಾನ್
    ರುಕಾಚೆರ್ ವಸ್ತಿ ಕೆಲ್ಯಾ;
    ಸುಕ್ಲ್ಲೆ ಜಿಬಾಂಕ್ ಆತಾಂ
    ಬಂಧನಾಚೆಂ ಭ್ಯೆಂ
    ಬಂಧನಾಚೆಂ ಭ್ಯೆಂ..

– [ಸಪ್ತೆಂಬರ್, 2016]

2. ದೆವಾಚೆಂ ರಾಜ್

ಅಬ್ಬಾ!
ಅಖ್ರೇಕ್ ತರ್ಯೀ ಆಯ್ಲೆಂಚ್
ದೆವಾಚೆಂ ರಾಜ್!

ಕಿತ್ಲೆಶೆ ಪುನೆವಂತ್‌ಗೀ
ಘಾತ್ರಾಂವ್ಕ್ ಘಾತೊರ್‌ಚ್ ಮೆಳಾನಾಂತ್!
ಧರ್ಣಿಚೆರ್ ಬರಂವ್ಚ್ಯೊ
ಖಂಯ್ ಗೆಲೊಗೀ ನೆಣಾ!

ಉಜೊ ಪೆಟಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಫಾರಿಜೆವಾಂನೊ
ವೆಗಿಂಚ್ ಪಾರ್ಯ್ವೊ ಸಂಪಯಾ..
ಜಾತಾತಿತ್ಲ್ಯಾ 'ಬಾರಾಬ್ಬಾಸಾಚಿ ಫವ್ಜ್'
ಭಾಂದುಂಕ್ ಜಾಯ್.

ಯೇ ತುಂ ಜಮ್ಯಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಪೆದ್ರು
ತುಕಾಯ್ ಚತ್ರಾಯ್
ಕುಂಕಾಡ್ ಸೊಡ್
ಗಾಯ್ ಬೊಬಾಟಿನಾತ್ಲ್ಯಾರ್ ಜಾಲೆಂ.

ಕೊರೊಡ್ ದೆವಾಂಚ್ಯಾ ದೆಸಾಂತ್
ಮೊರ್ಚ್ಯಾಧಿಂ
ಹರ್ಯೆಕ್ ಜೀವ್ ಕಿಂಕ್ರಾಟ್ತಾ
'ದೆವಾ ತಾಂಕಾಂ ಭೊಗ್ಸಿ'

3. ಮನ್ ಕಿ ಬಾತ್

ಏಕ್ ದುದಾಚೆಂ ಆಯ್ದಾನ್ ಆಸ್ಲೆಂ
ಅನ್ಯೇಕ್ ಕೊಯ್ತೊ;

ಭರ್ತಿ ಯೇಂವ್
ಸುಕ್ತಿ ಯೇಂವ್
ದೊಗ್ಯಿೀ ವೆಳಾಕಾಚೆ ಈಶ್ಟ್

ಪಯ್ಸ್ ಥಾವ್ನ್ ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ
ವಯ್ಲೊ ಆವಾಜ್ ಆಯ್ಕಾಲೊ;
"ಮೆರೆ ಪ್ಯಾರೆ ದೇಶ್ ವಾಸಿಯೋಂ.."
ಕೊಯ್ತಿಕ್ಯಿೀ
ದುದಾಚ್ಯಾ ಆಯ್ದನಾಕ್ಯಿೀ
ಕಿತೆಂ ಜಾಲೆಂ ನೆಣಾಂ..!?
ಗೊರ್ವಾಂ ಸರ್ವ್ ಗಾಯೊ ಜಾವ್ನ್
ಗಾಯೊ ಸರ್ವ್ ದೇವ್ ಜಾವ್ನ್
ದೇವ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂಚ್ ನೆಣಾಸ್ಲೆ ಸರ್ವ್
ದೇವ್ ರಕ್ಷಕ್ ಜಾವ್ನ್..
ಅಖೇರಿಕ್ ದೇವ್ಚ್ಚ್ ಘುಸ್ಪೊಡುನ್
ಮೊಡಿಂ ಉಮ್ಕಳುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಿಂ

ಉಮ್ಕಳ್ಚ್ಯಾ ದುದಾಚ್ಯಾ ಆಯ್ದನಾಕ್ಯಿೀ
ತ್ಯೇ ಕೊಯ್ತಿಕ್ಯಿೀ
ಆತಾಂ ದಿಶಾಚ್ ದಿಸಾನಾ ಜಾಲ್ಯಾ..

ದಯಕರ್ನ್ ಸಮ್ಜುನ್ ಘೆಯಾತ್
ಮೇರೆ ಪ್ಯಾರೆ ದೇಶ್ ವಾಸಿಯೋಂ..

4. ಆವಯ್

ಆವಯ್...
ಚರಿತ್ರೆಚೆಂ ಪಾನ್ ಜಾಲ್ಯಾ;
  ಹಾಂವ್ ಮಾತ್
  ವ್ಹಾಣೊಂ ಲಿಪವ್ನ್ ಮುರ್ಗಟ್ತಾಂ,
  ಮಾತಿಯೆಚೆ ಕಣ್ ಕಣ್‌ಯೀ
  ಅವಯ್ಚೆಂ ಪೋಟ್ ಜಾತಾನಾ
  ಹಾಂವ್ ಆಶಿಂಚ್ ಪಡ್ತಲಿಂ;
ಆವಯ್
ಖಂಯ್ಚ್ಯಾ ಮಾತಿಯೆಂತ್ ಮಾತಿ ಜಾಲಿಗೀ,
ಖಂಚ್ಯಾ ತಾನೆಕ್ ಬಲಿ ಜಾಲಿಗೀ,
ಖಂಯ್ ಮ್ಹಣುನ್ ಸೊಧುಂ!?
  ಆವಯ್ಚೆ ಪೊಟಾಂತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ
  ಕಿತ್ಲೆಶೆ ದೀಸ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಸತಾಯ್ತಾತ್,
  ಭುಕೆಚೆ-ಘಾಮಾಚೆ ಉಸ್ವಾಸ್
  ಭುಸ್ ಭುಸ್ ಸೊಡ್ಚೆ ಸುಸ್ಕಾರ್
  ಲೊಳುಂಕ್-ಸುಖಾಕ್ ಆಡೊವ್ ದವರ್ಲ್ಲ್ಯಾ
  ತ್ಯಾ ಆವಾಜ್ ನಾಸ್ಚ್ಯಾ ಕಿಂಕ್ರಾಟಿಂಕ್ ಸಯ್ತ್
  ಗರ್ಭಾಭಿತರ್ ಆಯ್ಕುಂಕ್ ನಾ ಮ್ಹಣ್ತಾಯ್?
ಆವಯ್..
ಹಿ ಚರಿತ್ರಾ ಕೊಣಾಕ್ ಜಾಯ್ ಸಾಂಗ್
ಪೊಟಾಥಾವ್ನ್ ಉಸ್ಕ್ಯಾಕ್
ಉಸ್ಕ್ಯಾಥಾವ್ನ್ ಬಾವ್ಲ್ಯಾಂಕ್
ಉಪ್ರಾಂತ್ ಮೊಡ್ಕ್ಯೆಕ್ ನಿಸರ್ನ್ ನಿಸರ್ನ್
ಚರಿತ್ರೆಚೆಂ ಪಾನ್ ಜಾಂವ್ಚಿ
ಸದಾಂ ಆಸ್ಚೆಂಚ್..
ಥೂ... ಖೊಟೊ ಸಂಸಾರ್
ಗೊಂಗೊ ಯೇನಾಜಾಲ್ಯಾರ್ ಪುರೊ
ಅಶಿಂಚ್ ಮುರ್ಡತಾಂ..
ಬೆಶ್ಟಿಂಚ್ ಪಡ್ತಾಂ.

[ಪಯ್ಣೂರಿ.ಕೊಮ್‌ಚೆರ್ ಆಸಾ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ 'ಚಿತ್ರಾಂ-ವಿಚಿತ್ರಾಂ' ಕವಿತಾ ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾಂತ್ 'ಮಯ್ನ್ಯಾಚಿ ಕವಿತಾ' ಇನಾಮ್ ಆಪ್ಣಾಯಿಲ್ಲಿ ಕವಿತಾ]

5. ಕವಿತಾ ಜಾಂವ್ಚಿ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ?

ಪಾಂಯ್ ಉಕಲ್ನ್ ಮುತೊಂಕ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ
ರಸ್ತ್ಯಾ ಪೆಟ್ಯಾಕ್
ಏಕ್ ವೀಜ್ ಖಾಂಬೊ ವಿಚಾರಿ

ಕಾಳೊಕಾ ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಉಜ್ವಾಡಾಕ್
ಉಜ್ವಾಡಾ ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳೊಕಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್
ಬಾಂಗ್ ದಿಂವ್ಚಿಚ್ಚ್ ಕವಿತಾ ಮ್ಹಣಾಲೊ ಪೆಟೊ-
ವೀಜ್ ಖಾಂಬ್ಯಾಕೀ ನೀಜ್ ಮ್ಹಣ್ ಭಗ್ಲಾಂಸ್ಯೆತಾ-
ತಿತ್ಲ್ಯಾರ್ ವೀಜ್ ವಚೊನ್
ಕಾಳೊಕಾ ಉಜ್ವಾಡಾ ಮಧೆಂ ಗಲಾಟೊ ಜಾವ್ನ್
ರಸ್ತ್ಯಾಲಾಂಬಾಯೆಕ್ ಬಾಂಗ್ ದಿಂವ್ಚಿ ಕವಿತಾ ಜಾಲಿ;

ಕವಿತಾ ಜಾಂವ್ಚಿ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ?
ಪರಪರ ಉಲೊ ಮಾರೀತ್
ಪಾಂಯ್ ವೊಡ್ನ್ ಚಲ್ತೆಲ್ಯಾ ಪಿಶ್ಯಾಕ್
ಏಕ್ ರಸ್ತೊ ವಿಚಾರಿ..
ಉತ್ರಾ ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಅರ್ಥಾಂಕ್
ಅರ್ಥಾ ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂಕ್ ಪಳೆವ್ನ್
ಗಳಗಳ ಹಾಸೊನ್ ರಡ್ಚಿಚ್ಚ್ ಕವಿತಾ ಮ್ಹಣಾಲೊ;

ರಸ್ತ್ಯಾಕೀ ನೀಜ್ ಮ್ಹಣ್ ದಿಸ್ಲಾಂಸ್ಯೆತಾ-
ತಿತ್ಲ್ಯಾರ್ 'ತೆಂ-ಹೆಂ' ಖಾತೆಲ್ಯಾಂ ಮಧೆಂ ಝುಗ್ಡೆಂ ಜಾವ್ನ್
ಉತ್ರಾಂಕ್‌ಯೀ ಅರ್ಥಾಂಕ್‌ಯೀ ಝುಗ್ಡೆಂ ಜಾವ್ನ್
ರಸ್ತ್ಯಾ ಲಾಂಭಾಯೆಕ್ ಹಾಸೊ-ವಿಳಾಪ್ ಕವಿತಾ ಜಾಲಿ..

ಆಯ್ಲೆವಾರ್‌ಚ್...
ವೀಜ್ ಖಾಂಬ್ಯಾಕ್‌ಯೀ ರಸ್ತ್ಯಾಕ್‌ಯೀ
ವಾರ್ಧಿಕ್ ಜಾವ್ನ್
ಕವಿತೆಚೆಂ ಮರಣ್ ಜಾಲಾಂ..

6. ಏಕ್ ಮಾಗ್ಣೆಂ

ಆವಯ್...
ಮ್ಹಜ್ಯೆ ವಾಟ್ಲೆಂತ್ ಕಾಂಯ್ ಥೊಡಿ
ಕ್ರಾಂತಿ ವೋತ್...!
ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾ-ಗುಂಡಾಯೆಂತ್ಲೆಂ
ಬಂಡಾಯಾಚೆಂ ಕೀಟ್
ಪೆಟುನ್ ಜಳುಂದಿ..
ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ದೀಷ್ಟ್ ಲಾಯ್..
ಮ್ಹಜ್ಯೆ ಭಿತರ್ಲೆಂ ಕಿಟಾಳ್
ಪೆಟುಂಕ್ ಉಸ್ಮಡ್ತಾ.
ಉಜ್ಯಾನಳಿ ಧರುನ್
ಫೂ.. ಫೂ.. ಕರುನ್
ಫುಂಕುನ್ ಥಕಲ್ಲೊ ಬ್ರೆಕ್ಟ್
ಧುಂವ್ರಾಚ್ಯೆ ಧುಂವ್ರೆಕ್ ದುರ್ಸ್ಲೊಂಚೊ ವೊಲ್ಟೇರ್
ದೊಳ್ಯಾಂ ಹುಲೊಪ್ ಸಾಂಗುನ್
ನಪಂಯ್ಚ್ ಜಾಲ್ಯಾತ್.
ರಗತ್ ಲೆಂವ್ಪುನ್ ಲೆಂವ್ಪುನ್
ಶಿಜಲ್ಲ್ಯಾ ಆತ್ಮ್ಯಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಕಿತೆಂಗಿ
ತ್ಯಾ ಗಿಲೋಟಿನಾಕ್‌ಚ್ ಮಾತಿ ಖೆಲ್ಯಾ
ಉರ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಜಿ ಜೀಬ್ ಮಾತ್ರ್.
ಪೊಡ್ ಜಿಬೆಜ್ ಪಾಸ್ ಅಂರ್ದುಂಚ್ಯಾ ಪಯ್ಲೆಂ
ಮ್ಹಜೊ ಪ್ರಾಣ್ ಪಿಸುಡ್
ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಉಜ್ವಾಡಾಕ್ ಸುಟ್ಕಾ ಲಾಭುಂ...

7. ದೆಸಾಂತರ್

ಎಡಿನ್‌ಬರ್ಗಾಚೆಂ
ಥಂಡ್ ವ್ಹಾರೆಂ ಏಕ್
ಘಾಟಾಕ್ ಚಡ್ಲಾಂ:
ದಿಷ್ಟಿಕ್ ಪಾವ್ತಾ ತಿತ್ಲೆಂ
ದರ್ಯಾ ವಿಸ್ತಾರಾಯೆಚೆಂ ಪಾಚ್ವೆಂ.
ಪಾವ್ಲಾಂ ಕಾಡ್ತಾಯ್ ತಿತ್ಲಿ
ವೊಲಿ, ವೊಲಿ ರೇಂವ್.
ದಗ್ದೊಣಿಚ್ಯಾ ಸುರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಉಜ್ವಾಡಾಕ್
ಪೆರ್ಜಳ್ಚೆಂ ಉದಕ್ ತುಂ.
ಪಾಚ್ವೆಂ? ಯಾ ನಿಳ್ಶೆಂ?
ಮ್ಹಾಕಾ ಆಜ್ಯಾಪ್,
ಮ್ಹಜಿ ಕಾತ್ ಧವ್ಯೆಲ್ಯಾ.
ಮ್ಹಜೆ ಭಿತರ್ ಆನಿ ಭಾಯ್ರ್
ತ್ಯಾಚ್ ವೀರ್ಯಾಚೆಂ ಆಮಾಲ್.
ಶಿರಾಡಿ ಘಾಟಿಚ್ಯಾ ಘುಂವ್ಡೆಂನಿ
ವ್ಹಾಳ್ಚ್ಯಾ ಟ್ವೀಡ್ - ಥೇಮ್ಸಾಂಚಿ ಸೊಭಾಯ್.
ಖಡ್ಪಾಂಚ್ಯಾ ಇಡ್ಯಾಂನಿ ಚಲ್ತಾ
ಉಗ್ತೆಂ ಮಯ್ಧುನ್.
ಥಂಯ್ಸರ್ ಗಾವುನ್ ಆಸಾ
ಕುರುಬಾಂಚೆಂ ಖೊಮಟ್.
ಜ್ಯಾಸ್ ಗಿತಾರಾಚ್ಯಾ ನಾದಾಕ್
ಖಬರ್ ನಾಸ್ತಾಂ ಫುಲುನ್ ಆಸಾ.
ಸಾದ್ ಘಾಲ್ಚ್ಯಾ ಕೊಂಬ್ಯಾಕೀ ಆಸಾ
ಅಂತರಾಷ್ಟ್ರೀಯ್ ವೇಳಾಕಾಳಾಚೊ ದುಬಾವ್,
ಪಿಂಜ್ಕರ್ ಕಾಂಬ್ಳಿಂತ್ಲಿಂ
ಹುನ್ ಹುನ್ ಸ್ವಪ್ಣಾಂ
ಮ್ಹಜೆಂ ಆಪ್ಲೆಪಣ್
ಆಪುಡ್ನ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಪಾರ್ಕುನ್ ಆಸಾತ್.
ಕಾಳ್ಜಾಚೆ ತಾನೆಕ್
ಅಟ್ಲಾಂಟಿಕಾಚಿಂ ಲ್ಹಾರಾಂ ಖಾಲಿ ಕರ್ತಾ ನಾ
ಮೊಳ್ಬಾಚೆರ್ ಪೆರ್ಜಳ್ಚೊ ಚಂದ್ರ್
ಹಾಸುನ್ ಹಾಸುನ್ ಲಿಪುನ್ ವೆತಾ.

8. ವಾಯ್ದ್ಯಾಚಿ ಖೊಂಕ್ಲಿ

ಕಿತೆಂ ಖೊಂಕ್ಲಿಗಿ.....!?

ವ್ಹಯ್ ... ಖೊಂಕ್ಲಿ...

ತರ್ ಆಲೋಚನ್ ಬಂಧ್ ಕರ್

ದೊಳೆ ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರಿ ದೀಷ್ಟ್ ಲಾಯ್ನ್ಯಾಕಾ

ದರಬಸ್ತ್ ಬೋಲ್ಸ್ ಭರುಂದಿ

ಕಿತೆಂ ಕರುಂ....

ಮ್ಹಾಕಾ ವಾಯ್ದ್ಯಾಚಿ ಖೊಂಕ್ಲಿ...

ತರ್ ಪಾಜ್ಲ್ಲಿ ಕೊಯ್ತಿ ಭುಕೆತ್

ಘಾಂತ್ಯಾಫಾರಾರ್ ಬಂದೂಕ್ ಸೊಧುನ್ ಯೇತ್

ವಿರಾರಾಯ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್,,,,!?

ಛೆ.... ಮ್ಹಜೊ ವಿಳಾಸ್

ಕೊಯ್ತಿ ಬಂದೂಕೆಂಕ್ ವಿನತಿ ಕರ್

'ದಯಾಕರ್ನ್ ದಾಕೈನಾಕಾತ್....'

"..........."

9. ದುಕಿಚೆ ಮಿಸ್ತೆರ್

ತುಂ ವೆಚ್ಯಾ ಪಯ್ಲೆಂ
ತಶೆಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ನ್ಹಜೊ ಆಸ್ಲೆಂ...
ಕಾಳೊಕಾ ಕುಡಾಂತ್ಲ್ಯಾ ತ್ಯಾ
ಬಾರೀಕ್ ವಾರ್‍ಯಾಕ್‌ಯೀ ತುವೆಂ ನೆಗಾರ್ಲೆಂಯ್...
ತುವೆಂ ಬಿಗ್ದಿಲ್ಲಿ ತುಜ್ಯಾ ಹಾತಾಚಿ ಮೂಟ್
ಆನಿಕೀ ತಶಿಚ್ ಆಸಾ...

ತಾಚೆ ಭಿತರ್ಲೆಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಸಪಣ್
ಎದೊಳ್ ಕುಸೊನ್ ಕಿರ್ಲೊನ್
ವ್ಹಡ್ ರೂಕ್ ಜಾಲಾಂ...
ತಾಳೊ ಉತ್ರೊನ್ ಯೇನಾತ್ಲ್ಯಾ
ತುಜ್ಯಾ ಅಸ್ಪಷ್ಟ್ ಉತ್ರಾಂಕ್ ಹಾಂವ್
ಆನಿಕೀ ಡಿಕೋಡ್ ಕರೀತ್ ಆಸಾಂ...
ತೆಂ ಪುನರ್‌ಜಿವಿತಾವಿಶಿಂ
ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ...

ತುಜ್ಯಾ ತ್ಯಾ ನಿರ್ಜೀವ್ ಪಾಂಯಾಂಕ್
ರೆಂವೊಡ್ ಮಾರ್‍ನ್ ಉಮೊ ದಿತಾನಾ ಪುಣಿ
ತಿತ್ಲೊ ನಿರ್ಭಾವುಕ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ನ್ಹಜೊ ಆಸ್ಲೆಂ,
ಅಳೆ...
ತುವೆಂ ನೆಗಾರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ತ್ಯಾ
ವಾರ್‍ಯಾ-ಉಜ್ವಾಡಾಸಂಗಿಂ ಹಾಂವ್ ರಾಕ್ತೇ ಆಸಾಂ...

ಸುಕ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಧರ್ಣಿಂತ್ ಕಿರ್ಲೊಂವ್ಚ್ಯಾ
ಬೊಂಬ್ ಬಂದುಕೆಂಕ್ ಕಿತ್ಲೆಂ ಮ್ಹಣ್
ಹುಮ್ಟುನ್ ಕಾಡುಂ?

ತುಜ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೊ ತಾಂಬ್ಡೊ ರಂಗ್
ಆನಿ ಪುಣಿ ಧವೊ ಜಾಂವ್ದಿ...

10. ಜಿಹಾದಿಂಚ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್

ಹಾಂವ್ ಗೆಲ್ಲೊಂ
ಜಿಹಾದಿಂಚ್ಯಾ ಗಾಂವಾಕ್
ಭಿಯೆವ್ನ್ ಭಿಯೆವ್ನ್ ಘಾಮೆವ್ನ್
ಮೇಟ್ ಏಕ್ ಕಾಡುಂಕೀ
ಪಾಟಿಂ ಮುಕಾರ್ ಪಳೆವ್ನ್ . . .

ಥಂಯ್ಸರ್ ಕುಶಿಲೆ ವಾಡ್ಯಾಂತ್
ಏಕ್ ಮ್ಹಾತಾರೊ ಖೊಂಕ್ತಾಲೊ
ತಾಣೆ ವೊಡ್ಚ್ಯಾ ಹುಕ್ಕಾ ಖಾತಿರ್
ಥಾಂಬ್ಡೆಂ ಥಾಂಬ್ಡೆಂ ಹಡ್ದೆಂ ವಿಂಚ್ತಾಲೊ. . .

ಎಕ್ಸುರೆಂ ಪ್ರಾಯೆಸ್ತ್ ಚೆಡುಂ
ಮಾರ್ಗಾ ದೆಗೆಲೆಂ ಲಾಂಕ್ಡಾಂ ವಿಂಚ್ತಾಲೆಂ
ಭಾಂದ್‍ಲ್ಲೊ ಭೊರೊ ಉಕಲ್ನ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಗೆಲೊಂ
ಭೊರ್ಯಾಂತ್ ಲಾಂಕ್ಡಾಂ ನಾತ್ಲಿಂ
ಲಾಂಬ್ ಹಾಡಾಂತ್ಲೆ ಮಾಸ್ ಕುಸ್‍ಲ್ಲೆಂ ದಿಸ್ತಾಲೆಂ . . .

ಚೆಡೊ ಎಕ್ಲೊ ಖೆಳ್ತಾಲೊ
ರಗ್ತಾಂತ್ ಭಿಜ್‍ಲ್ಲೆಂ ಕಾಳಿಜ್ ಘೆವ್ನ್
ರಗ್ತಾಚ್ಯಾ ಶಿರಾಂನಿ ಬಿಗ್ಡುನ್
ಬುಗುರಿ ಖೆಳ್ತಾಲೊ;
ಮ್ಹಾಕಾಯೀ ಆಪಯ್ಲೆಂ
ಯೇ ಗುನ್ನ ಖೆಳ್ಯಾಂ. . .

ಹಾಂವ್ ಧಾವೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊಂ
ಜಿಹಾದಿ ಎಕ್ಲೊ ಜಾಂಗೆ ಥಾಪ್ಡುನ್ ಬೊಬಾಟ್ಲೊ

ಆನಿ ಖಿಣಾನ್ ಹಾಂವ್ ಬುಗುರಿ ಜಾಲೊಂ.

11. ಸಂಘಟನ್

ದೊಗಾಂ ಉಲಯ್ತಾಲಿಂ
ಖಾಸ್ಗಿ ಉತ್ರಾನಿಂ
ಮ್ಹಜೆ ಹಾಜಿರ್‌ಪಣ್ ಕಳ್ಳೆಂ ನಾ ತಾಂಕಾ
ಯಾ ಚಿಂತ್ಲಿಂ ಕೊಣ್ಣಾ–
ಹಾಂವ್‌ಯೀ ತಾಂಚೆ ಮಧೆಂ ಎಕ್ಲೊ!

ಉಲವ್ಣೆಂ ಚಲ್ತಾಲೆಂ
ಹಾಂಚ್ಯಾ ಸಂಘಟನಾ ವಿಶಿಂ
ತಾಂಚ್ಯಾಯಿ ಸಂಘಟನಾ ವಿಶಿಂ

ಹಾಂಚೆಂ ಆಕ್ರಮಣ್
ತಾಂಚೊ ಎಕ್ವಟ್
ಹಾಂಚಿ ಯೆವ್ಜಣ್
ತಾಂಚೊ ಪ್ರತಿರೋಧ್
ಕಿತ್ಲಿಂ ಗಾಯ್ತ್ರಾಂ ಮಾಯಾಕ್ ಜಾಲಿಂ
ಕಿತ್ಲಿಂ ಚೆಡ್ವಾಂ ಗುರ್ವಾರ್ ಜಾಲಿಂ
ಸಗ್ಳೆಂ ರಾಷ್ಟ್ರ ಕೇಸರಿ ಜಾಂವ್ಚೆ ಕಶೆಂ
ರಾಷ್ಟ್ರಾ ಥಾವ್ನ್ ಪಾಚ್ವೆಂ ನಿಕ್ಳಾಂವ್ಚೆ ಕಶೆಂ

ಹಾಂವ್ ಮಾತ್ರ್
ಖಂತಿರ್ ಪಡ್ಲೊಂ
ಚಿಂತುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊಂ
ಖಂಚೆ ಕೇಸರಿ?
ಖಂಚೆ ಪಾಚ್ವೆಂ?
ಸಗ್ಳ್ಯಾನಿಂ ದಿಸೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆಂ
ತಾಂಬ್ಡೆಂ ಮಾತ್ರ್!

ತಿಂ ಮಾತ್ರ್
ಉಲವ್ನ್‌ಚ್ ಆಸ್ಲಿಂ
ಮಾಯಾಕ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ
ಗಾಯ್ತ್ರಾಂವಿಶಿಂ
ಗುರ್ವಾರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ
ಚೆಡ್ವಾಂವಿಶಿಂ

12. ಟ್ರೆಕ್ಕಿಂಗ್

ತಿಂ ದೊಗಾಂಯಿ ಚಲ್ತಾಲಿಂ
ಸಂತೊಸಾನ್ ಆನಿ ಉಲ್ಲಾಸಾನ್
ತಡಿಯಂಡಮೋಳುಚ್ಯಾ ಟ್ರೆಕ್ಕಿಂಗಾಕ್

ತರ್ನಾಟೊ ಮೆಟಾಂ ಕಾಡ್ತಾಲೊ
ಪಾಟಿರ್ ವೊಜೆಂ ವ್ಹಾವವ್ನ್
ದೊಗಾಂಯಿಚಿ ಪೊಟ್ಲಿ ಎಕ್ಲೊಚ್ ವ್ಹಾವವ್ನ್
ತೆಂ ಚಲ್ತಾಲೆಂ ಸುಡ್ಸುಡಿತ್
ಹಾಸುನ್ ಹಾಸುನ್
ಕಿತ್ಲೆಂ ಸೊಬಿತ್ ಚೆಡುಂ!

ಸಾಂಜ್ ಜಾಲಿ
ಪರತ್ ದಿಶ್ಟಿಕ್ ಪಡ್ಲಿಂ ತಿಂ
ತರ್ನಾಟ್ಯಾಚಿ ಪೊಟ್ಲಿ ಹಳೂ ಜಾಲ್ಲಿ
ಸುಶೆಗಾತ್ ಚಲ್ತಾಲೊ ತೊ
ಆನಿ
ತಾಚ್ಯಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್
ಮೆಟಾಂ ಕಾಡ್ತಾಲೆಂ ತೆಂ ಕಷ್ಟಾನ್
ಭಿಜ್‌ಲ್ಲೆ ದೊಳೆ
ಸುಜ್‌ಲ್ಲೆ ತೊಂಡ್
ದೊಗಾಂಯ್ಚೆಂ ವಜನ್
ತಿಚೆರ್ ಆಸ್ಲೆಂ –
ವಜನ್ ವೊಡೀತ್ ಆಸ್ಲೆಂ.

[ತಡಿಯಂಡಮೋಳು: ಕೊಡ್ಗಾಂತ್ ವ್ಹಡ್ ಶಿಖರ್, ಹಾಂಗಾಸರ್ ಟ್ರೆಕ್ಕಿಂಗಾಖಾತಿರ್‌ಚ್ಚ್ ಚಡ್ ಲೊಕಾಂನಿ ಯೆಂವ್ಚೆಂ]

13. ಗರಮ್

ವೆಗಾನ್
ಘುಂವ್ಚಾ
ಘಾಂಕ್ಯಾಕ್
ಅನಿಕಿ
ಮ್ಹಜೆಂ
ಕಾಮುಕ್‌ಪಣಾಚೆಂ
ಗರಮ್
ಥಂಡ್ ಕರುಂಕ್
ಜಾತಚ್ ನಾ

ತೆಂ ಗರಮ್
ವ್ಹಡ್ ಧ್ಯೆತ್ಯ್ ಜಾವ್ನ್
ವಣದ್ ವಣದಿನಿಂ
ಆಪ್ಪಿಲ್ಲೆ ಬರಿ ಜಾವ್ನ್-
ಭಿಂಯಾನ್ ಹಾಂವ್
ಕೂಸ್ ಪರ್ತುನ್ ನಿದ್ಲೊಂ

ರಸ್ತ್ಯಾ ಲಾಂಬಾಯ್ಕಿ
ಘೊಂಕ್‌ಲ್ಲೊ ಸಬ್ಧ್

14. ಫುಲ್ ಫುಲ್ಚೊ ವೇಳ್

ದಬಾವ್ ಫಾಲ್ನ್ ಕೆಲ್ಲೆ
ಮಾಯ್ಯಾಸಾಚೆ ಪೊಶೆ
ಸುಸ್ಕಾರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾಂತ್
ಕಿತೆಂಚ್ ಮತ್ಲಬ್ ನಾ

ಮತ್ಲಬ್ ಆಸ್ಚೆಂ
ತಿಚ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂತ್ಲ್ಯಾ
ರಿತೆಂಪಣಾಂತ್
ವಣದ್ ವಣದಿನಿಂ
ಪ್ರತಿ ಗಾಜುಂಚ್ಯಾ
ಮುಗ್ರಾರಿ ಪಣಾರ್

ಮ್ಹಾಕಾಯ್ ಆಸಾ ಆಶಾ
ಉಸ್ವಾಸ್ ಕಾಡುಂಕ್
ಸೊಭಾಯೆಚೆಂ ಫುಲ್ ಫುಲಂವ್ಕ್

ಪುಣ್
ಮರಣ್ ಪಾವ್ಲ್ಯಾ
ಮೊಗಾ ಮುಕಾರ್
ವೊಮ್ತೆಚ್ ಪಡುನ್
ರುದಾನ್ ಕರಿನಾಕಾಯ್

ಹೆ ಸಾಯ್ಬಾ
ತುಜಿಚ್ ದಯಾ
ಜನೆಲಾಂ ಬಾಗಿಲ್
ಉಗ್ತೆಂ ದವರ್ನ್ ರಾಕುನ್ ಆಸಾಂ
ಆನಿ ವಣದಿ ಫುಟವ್ನ್ ಫಾಲುಂಕ್ ಜಾಯ್

ವಾಡ್ಲಾಂ ತೆಂ
ಮುಗ್ರಾರಿಪಣಾಚೆಂ ರಾಕ್ಕೊಸ್
ಬಾಗಿಲ್ ಜನೆಲಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್
ಭಾಯ್ರ್ ವೆಚೆಂ ನಾ

15. ಕೂಡ್

ಅಬ್ಬೆ
ಜಿಣ್ಯೆಚ್ಯಾ ಕುಡಾಂತ್
ವಸ್ತು ಬದ್ಲಾತೆತ್ ನಾಂತ್

ಭುಕೆಲ್ಲಿ ಜನೆಲಾಂತ್ಲಿ ತಾನ್
ದೊಳೆ ಥಾಂಬೆಂವ್ಕ ಪಳೆತಾ
ಪುಣ್
ಖಿಳಿಂಚೊ ಸಬ್ದ್ ಅನಿಕ್ಯೀ ಬದ್ಲೊಂಕ್ನಾ
ತ್ಯಾ ಮೇಜ್- ಕದೆಲಾಂಚೊ ಸಂಬಂಧ್
ಅನಿಕ್ಯೀ ತಸೊಚ್ ಆಸಾ
ಥೊಡೆ ಪಾಪ್ಡಿಂ ಲಾಗಿಂ
ಥೊಡೆ ಪಾಪ್ಡಿಂ ಪಯ್ಸ್
ಹ್ಯಾ ಮಧೆಂ
ಬರ್ಪಾಕುರೂಚೊ ಸಾಂಖೊವ್
ಹಾಂವ್ ಬಾಂದೀತ್ ಆಸಾಂ

ಆನಿ ತೆಂ ಖಟ್ಲೆಂ
ತಾಕಾ ಅನಿಕಿ ಮರಣ್ ನಾ
ಉಚಾಂಬಳ್ಳೆಂ ತರ್ನ್ಯಾಟ್‌ಪಣ್‌ಚ್
ವೇಳ್ ವಿಭಾಡುನಾಸಾ
ದಾರ್ವಾಟೊ ಉತರ್‍ನಾ
ಕೆದ್ನಾ ಯೇತ್ ಮ್ಹಣ್
ಹಾಂವ್‌ಯೀ ರಾಕುನ್ ಆಸಾಂ
ಪುಣ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಭಿತರ್ಲೊ
ದಾದ್ಲೊ ತಯಾರ್ ನಾ

ಬಾಗ್ಲಾಲಾಗಿಂ ಪಡ್ಲ್ಯಾತ್
ತ್ಯೊ ವ್ಹಾಣೊ
ಭೊಗ್ಣಾಂಚೆ ಜಡಾಯೆಕ್
ಭಿಗ್ಡೊನ್ ಗೆಲಾಂ
ಮ್ಹಾತಿ ಲಾಗೊನ್
ರಂಗ್ ನಾಸ್ತಾಂ ಕಂಗಾಲ್ ಜಾಲಾಂ

ದೋನ್ ವಣದಿ ಮಧೆಂ
ಬಿಗ್ದಿಲ್ಲೆ ತ್ಯೆ ಸರಿಯೆಚೆರ್
ಅನಿಕಿ ಭಿತರ್ಲಿ ಮುಸ್ತಾಯ್ಕಿ ಆಸಾ
ಅಂತಸ್ಕರ್ನಾಚೆ ಜಡಾಯೆಕ್
ಇಲ್ಲೆಶೆಂ ಬಾಗ್ವಾಲಾಂ

ಮಾತಿ ಖೆಲ್ಲ್ಯಾ ತ್ಯಾ ಬಾಗ್ಲಾಚ್ಯಾ
ಖಿಳೆಕ್ ಲಜ್‌ಚ್ಚ್ ನಾ
ಕಿತ್ಲೆಂ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಕೆಲ್ಯಾರ್‌ಯೀ
ಭಿತರ್ ಆಯ್ಲೆಲ್ಯಾಂಚೆಂ ಲೇಕ್
ಮೆಳತ್‌ಚ್ ನಾ
ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್‌ಲ್ಲಿಂ ಕಿತ್ಲಿಂಗಿ
ಆನಿ ಮ್ಹಾಕಾ
ಕುಡಾಂತ್ ಭರ್ಲೆಲ್ಯಾ
ಹಾಸೊ-ದೂಕ್-ಖರಸ್
ಚಡ್ ಜಾವ್ನ್
ಉಸ್ವಾಸ್ ಬಾಂದ್ತಾಸಾ
ಭೊವ್ಶ್ಯಾ
ಬೆಳ್ಳಲ್ಲಿ ಘಾಣ್
ಕುಡಾಚ್ಯಾ ಭಾಯ್ರ್‍ಯೀ ಆಸಾ

16. ಉಶೆಂ

ಉಶೆಂ
ಹಾತ್ ಉಭಾರ್ನ್?
ಆಪಯ್ತ್ ಆಸಾ
ಏಕ್ ಮೂಟ್
ಸಾಂತ್ವಾನ್ ಜಾವ್ನ್

ಬಾಂಧುನ್ ಧರ್‍ಲೆಲೆಂ ದೂಕ್ ವ್ಹಾಳ್ಚೆಂ
ಉಶ್ಯಾಂತ್‌ಚ್.
ಉಜ್ವಾಡ್ತಾನಾ
ದೊಳೆ ಮಾತ್ರ್ ತಾಂಬ್ಡೆ ತಾಂಬ್ಡೆ

ಕಾಮುಕ್‌ಪಣ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ ಮೋಗ್
ಮೋಗ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ಕಾಮುಕ್‌ಪಣ್
ಉಶ್ಯಾಚಿ ಸುಕ್ತಿ ಭರ್ತಿ?
ಕೆದಿಂಚ್ ಯೇನಾತ್ಲೊ ಬಾಪುಯ್
ಬರಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್ನಾತ್ಲಿ ಕವಿತಾ
ಆರಾವ್ನ್ ವೇಂಗ್ ಮಾರ್ತಾ
ಮೊಗಾನ್

ಜಲ್ಮ್- ಮರಣಾಚ್ಯಾ ತ್ಯಾ
ಚೆಕ್ ಪೋಸ್ಟಾ ಭೊಂವಾರಿ
ಪಾಸಾಯೊ ಮಾರುಂಕ್
ಉಶೆಂಚ್ ಪರ್ವಣ್ಗಿ

ಉಶ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮೊವಾಳಾಯೆಂತ್ ಆಸಾ
ಕಿತ್ಲಿ ದಾದೊಸ್ಕಾಯ್
ದೀಸ್ ರಾತ್ ಚಾಬೊನ್ ಪಡ್ತಾನಾ
ನಿದೆಚೆಂ ಋಣ್ ಫಾರಿಕ್ ಜಾಯ್ನಾಸ್ತಾನಾ

ಹಾಂವ್‌ಯೀ ರಾಕುನ್ ಆಸಾಂ
ಮಾತ್ಯೆಕ್ ಉಶೆಂ ಕರ್ನ್ ಘೆಂವ್ಕ್
ಕೆದಿಂಚ್ ಪಳೆನಾತ್ಲಿಂ ಸ್ವಪ್ಣಾಂ
ದೀಸ್ ರಾತ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್

17. ಮೊಡ್ಯಾ ತೆಪಾಸ್ಣಿ

ಮೊಡ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಕುಡಾಂತ್
ನಿದಾಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ತಿಕಾ
ನಾಕ್‌ಭರ್ ಪಿಯೆಲ್ಲೊ ಎಕ್ಲೊ
ಚಿರುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ
ಸೊಭಾಯೆಚ್ಯಾ ಹರ್ದ್ಯಾಂತ್
ಚುರಿ ರೊಂಬ್ತಚ್
ಘಾಯಾ ಥಾವ್ನ್ ದೊಳ್ಯಾಗೊಂಗೆ
ಎಕಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಏಕ್
ಭಾಯ್ರ್ ಸರುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆ
ತ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾ ಗೊಂಗ್ಯಾಂ ಮಧೆಂ
ಮೊಡೆಂ ಚಿರ್ತೆಲ್ಯಾಂಚೆಂಯೀ ದೊಳ್ಯಾ ಗೊಂಗೆ
ಖಬರ್ ನಾಸ್ತಾಂ ಸೆರ್ವಾಲೆಂ

ಶಿಂದ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ತಿಚ್ಯಾ
ಆಕರ್ಶಿಕ್ ಕುಡಿ ಥಾವ್ನ್ ಘಾಯ್
ಬೊಟಾಂಕ್ ಭಾಯ್ರ್ ಘಾಲೆಂ
ಬಸ್ಸಾಂತ್ ರೈಲಾಂತ್
ಪಾಂಯ್‌ವಾಟೆರ್ ಯಾ ಲಿಫ್ಟಾರ್
ಸ್ಪರ್ಶಿಲ್ಲಿಂ ಬೊಟಾಂ ತಿಂ
ಮೊಡೆಂ ಚಿರ್‍ಲ್ಯೊ
ದೊಳ್ಯಾಗೊಂಗೆ ಆನಿ ಬೊಟಾಂ ಕಾಡ್ನ್
ವಿವಿಂಗಡ್ ಪೊಟ್ಲೆಂನಿ ಭರ್ತಾಲೊ

ಟಕ ಟಕ ಮಾರ್‍ನ್
ಆಖೇರಿಕ್ ಫುಟ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ
ತಿಚ್ಯಾ ಕಟ್ಪ್ಯಾಥಾವ್ನ್
ಭ್ಯೆಂ-ಸುಖ್-ದೂಕ್ ಸಕ್ಕಡ್
ಸುಟ್ಕಾ ಮೆಳ್‌ಲ್ಲೆಬರಿಂ
ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್ಲಿಂ
ಆನಿ ತಿಂ
ಘಾಯಾಂಚೆಂ ಗಾಯನ್ ಜಾವ್ನ್
ಅಪಾಪ್ಲ್ಯಾ ಪೊಟ್ಲ್ಯಾಂನಿ ಭರ್ಲಿಂ

ಚೀರ್‍ನ್ ಚೀರ್‍ನ್
ಮೊಡ್ಯಾಚ್ಯಾ ಕುಡಾಂತ್
ಪೊಟ್ಲೆಂಚಿ ರಾಸ್‌ಚ್ ರಾಸ್
ಆಖೇರಿಕ್
ಮರಣಾಕ್ ಕಾರಣ್ ಜಾಲ್ಲೊ
ಮೋಗ್ ಮೆಳ್ಳೊ
ಮೋಗ್ ತಿಚ್ಯಾ ಪೊಟಾಂತ್ ಆಸ್ಲೊ
ಆನಿ ತೊ
ವಾಡತ್ತ್ ಆಸ್ಲೊ

18. ತುಂ ಗೆಲ್ಲೆ ರಾತಿಂ

ತುಂ ಗೆಲ್ಲೆ ರಾತಿಂ
ತೆಂ ಬಾಗಿಲ್ ಉಗ್ತೆಂಚ್ ಆಸ್ಲೆಂ
ಕಾಳ್ಜಾಚ್ಯಾ ಗುಂಡಾಯೆಕ್
ರೊಂಬ್ಲಲಿಂ ತಾಂಬ್ಡಿಂ ಪಾಳಾಂ
ಅಪ್ಲೇಸ್ತಕಿಂ ಚಿರ್ತಾಲಿಂ
ಪಾಂಗ್ರಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ತಿತ್ಲೆಂ ನಿದಾನಾತ್ಲ್ಯಾ
ಹ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾ ಆಸ್ಡೆಂಕ್‌ಯೀ
ಖಾಂಚಿಯೆನಿ ದೆಂವ್ಚ್ಯಾ
ದುಕಾಂಚೆ ಗುಪ್ತಾಹೆರ್
ತುಂ ಗೆಲ್ಲೆ ರಾತಿಂ
ನಿಜಾಯ್ಕಿ ಚಾನ್ನೆ ನಾ
ಆನಿ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಳ್ಯಾರೀ
ತ್ಯಾ ನೆಣ್ತೆಂಚ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂತ್
ಸೊದುಂಕ್ ಜಾಯ್
ತುಂ ಗೆಲ್ಲೆ ರಾತಿಂ
ತಾಂಬ್ಡ್ಯಾಕ್‌ಯೀ – ಧವ್ಯಾಕ್‌ಯೀ
ಸೊಲ್ಲೊ ಕರ್ಚಿ ಜಮಾತ್
ತೆ ದೊಗೀ ಮೆಟಾಂ ಕಾಡ್ನ್
ಆತಾಂ ಸಗ್ಳೊ ಕಾಳೊಕ್
ವ್ಹಯ್ ವ್ಹಯ್
ತುಂ ಗೆಲ್ಲೆ ರಾತಿಂ
ತೆಂ ಬಾಗಿಲ್ ಉಗ್ತೆಂಚ್ ಆಸ್ಲೆಂ
ಬಂದೂಕೆಚ್ಯಾ ನಳಿಯೆನ್
ಥೊಡೆಂಚ್ ತಿಳ್‌ಲ್ಲೆಂ
ಕೊಯ್ತಿ ಚುರಿಯೆಂನಿ
ಥೊಡೆಂಚ್ ತಾನೆಲ್ಲೆಂ
ಶ್!!
ಮಾತಿ ಪಾಂಗ್ರೊನ್
ನಿದ್ಲಾಂ ಬಾಳ್ಕೆಂ
ಜಾಗೆಂ ಜಾಯ್ತ್
ಜಾಗೆಂ ಜಾಯ್ತ್

19. ಫಾಯ್

ಮ್ಹಜೆ ಭಿತರ್ಲೆ ಫಾಯ್
ಗಾಯನ್ ಜಾವ್ನ್
ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್ಲಾಂ

ತೆಂ ಗಾಯನ್
ಜಬ್ಬೊರ್ ದುಕಿನ್
ತಾಳ್ ಚುಕೊನ್
ವಣೊದಿ ವಣೊದಿನಿಂ
ವಿರಾರಾಯ್
ಜನೆಲಾಂ ಬಾಗಿಲಾನಿಂ ಉಮಾಳೆ

ಮ್ಹಜೆ ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ
ಸಕ್ಕಡ್ ಫಾಯಾಂಕ್‌ಯೀ
ಮರಣ್ ಜಿವಿತಾಚಿ ಚರ್‍ಚಾ
ಕೂಡ್‌ಭರ್ ದೂಕ್
ಆತ್ಮ್ಯಾಕ್ ಮಾತ್ರ್ ನಾ ಖಂತ್

ಆನಿ ಆತಾಂ
ಹಾಂವ್‌ಚ್ ಆತ್ಮೊ ಮ್ಹಣ್ ಚಿಂತುನ್
ಫಾಯಾಂಕ್ ದಿವ್ಪಿ ಕರ್‍ತಾಂ
ತ್ಯಾ ದಿವ್ಪಿ ಥಾವ್ನ್
ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಉಜ್ವಾಡಾನ್
ಜನೆಲಾಂ ಬಾಗ್ಲಾಂಕ್
ಸಮಾಧಾನ್ ಕರುಂಕ್ ಜಾಯ್
ಜಿಣಿ ನಂದನ್ ಕರುಂಕ್ ಜಾಯ್

5967

20. ಗರ್ಭಪಾತ್

ಭುಕೆಲ್ಲೊ ಕಾಳೊಕ್
ಸಬ್ದ್ ಕರ್ತಾ
ರೆವೊಡ್ ಮಾರ್ಚ್ಯಾ
ಸಾಂಗಾತ್‌ಪಣಾ ಖಾತಿರ್

ಹುನ್ ಉಸ್ವಾಸ್
ಕುಡಾಂತ್ ಪ್ರತಿಗಾಜೆತಾ
ಧಾರುಣ್‌ಪಣಾಕ್ ಸಾಕ್ಸ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ
ವಣದಿ ಖಾತಿರ್

ಖರಸ್- ಅಸಮಧಾನ್
ಸಾಕ್ಸ್ ಜಾತಾ
ನಿಗೂಢ್ ಮಾವ್ಳ್‌ಪಣಾಖಾತಿರ್

ಕುಶಿಕ್ ನಿದ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ
ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಕ್‌ಯೀ
ಆತ್ತಾಂ ರೋವ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾ
ನೆಣ್ತಾಂ ಭುರ್ಗ್ಯಾಕ್‌ಯೀ
ಕಿತೆಂ ಅಂತರ್?
ಆಮ್ಚಿ ಪ್ರಾಯ್
ಆಮ್ಚೆಂ ಕಾಮುಕ್‌ಪಣ್
ಥೊಡೆ ಪಾಪ್ಚಿಂ
ಪಾಳ್ಣೆ ಧಲ್ತಾ
ಆನಿ ಥೊಡೆ ಪಾಪ್ಚಿಂ
ಖಚ್ರ್ಯಾ ಡಬ್ಯೊ ಭರ್ತಾ

ರೋವ್ ಆಯ್ಲಲೆಂ ಭ್ರೂಣ್
ತಾಂಬ್ಡೆ ತಾಂಬ್ಡೆಂ ಥೆಂಬೆತಾ
ಪಳೆನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ನೆಣ್ತ್ಯಾಚ್ಯಾ
ಮವ್ಳ್ ರುದಾನಾಕ್
ನವೆಂಚ್ ಏಕ್ ನ್ಯಾಪ್ಕಿನ್
ತಾಂಬ್ಡೆಂ ಜಾತಾ

Konkani Language & Cultural Foundation (R.) * Mangaluru

21. ಪುನರ್ ಜಿವಂತ್‌ಪಣ್

ಜಾಗೆಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್
ಆಮಿ ಆನಿ ತುಮಿ
ಹ್ಯಾ ಮರಣಾ ಥಾವ್ನ್

ದಿಸಾ ಸ್ವಪ್ಣಾಂಚೊ ಕಾಳೊಕ್
ಶೆಕ್ಡ್ಯಾ ಶೆಕ್ಡ್ಯಾಂಕ್ ಪಾಂಗ್ರುನ್ ನಿದ್ಲಾ

ಥಾಪಡ್, ಉಜ್ಯಾಗುಳ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್
ಕಿತೆಂಚ್ ಫಾಯ್ದೊ ನಾ

ಹುನ್ ರಗತ್
ಅಪುಣ್ ವ್ಹಾಳ್ಚೆಂ ವಿಸರ್ಲಾಂ
ವ್ಹಾಳ್ಚೆಂ ರಾವುನ್ ತೇಂಪ್ ಕಿತ್ಲೊ ಜಾಲಾ

ಧಗಿ ಘೊಡ್ಯಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಧಾಂವ್ಚೆಂ
ಆನಿ ಪುಣಿ ರಾವಯಾಂ

ಸಾಯ್ಬಾ
ಉಜೊ ವೊಂಕ್ಚ್ಯಾ ಬಂದೂಕೆಚಿ ನಳಿ
ಸುಕ್ಣ್ಯಾಂಚೆ ಗುಡ್ ಕರ್
ದರ್ಬಲಾಬರಿ
ಆಸ್ಲೆಲೆ ಉಜ್ಯಾಗುಳೆ
ಮೆಣಾಬರಿ ಕರ್ಗಾಶೆಂ ಕರ್
ಥಂಯ಼್ರ್ ಮೊಗಾಚ್ಯೊ ರೊಂಪ್ಯೊ
ಪಾಳ್ ರೊಂಬೊನ್ ವ್ಹಾಡೊಂದಿತ್
ಶಿರಾ ಶಿರಾಂನಿ ಮಾಯ್ಪಾಸ್
ವ್ಹಾಳೊಂದಿ

22. ಮರಣ್

ಹಾಂವ್ ಮೊರ್ಚೆಂ ಆದಿಂ
ಮ್ಹಜ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾ ಖಾಂಚಿಯೆನಿ
ಆನಂದಾಚಿ ದುಃಖಾಂ ದೆವೊಂಕ್ ಜಾಯ್
ಮಾತ್ಯೆಂತ್ ಮಾತಿ ಜಾವ್ನ್
ಮ್ಹಾಕಾ ಸುಟ್ಕಾ ಮೆಳ್ಚಾ ಆದಿಂ
ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಪಾವ್ಲಾಚೊ ಮಾತ್ಯೆ ಪರ್ಮಳ್
ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಉಗ್ಡಾಸಾಕ್ ಯೇಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್

ಹಾಂವ್‌ಯೀ ಮೊರೊಂಕ್ ಜಾಯ್
ಸಕ್ಟಾಂಬರಿ ಅವ್ಚಿತ್ ಪಣಾನ್
ಭಿಂಯೆನಾಸ್ತಾಂ ದಳ್ದಿರ್ ಸಂಸಾರಾಥಾವ್ನ್
ಖಬರ್ ನಾಸ್ತಾಂ ನಪಂಯ್ಚ್ ಜಾಯ್ಜಯ್
ವ್ಹಯ್ ಹಾಂವ್ ಸಾಂತ್ ಜಾಯ್ಜಯ್
ಮರಣಾಂತ್‌ಯೀ ಸಂತೊಸ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಲೊ ತೊ
ಬುದ್ಧ ಜಾಯ್ಜಯ್

ಮೆಲ್ಲ್ಯಾಉಪ್ರಾಂತ್
ಹಾಂವ್ ಏಕ್ ಸವಾಲ್ ಜಾವ್ನ್‌ಚ್
ಉರೊಂಕ್ ಜಾಯ್
ಕೊಣ್‌ಯೀ ಚಲಾನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ
ವಾಟೆಂತ್ ಚಮ್ಕೊಂಕ್ ಜಾಯ್
ನಿಗೂಡ್‌ಪಣಾಚ್ಯಾ ಸುಳಿಂತ್ ಶೂನ್ಯ ಜಾಯ್ಜಯ್
ಆನಿ ಪರತ್ ಹಾಂವ್ ಜಲ್ಮಾಜಾಯ್
ಧರ್ನ್ ಥಾಂಬೆಂವ್ಚ್ಯಾ ತಣಾ ಥಾವ್ನ್
ಮನ್ಶ್ಯಾಕುಳಾಕ್ ಜೀವ್ ದಿಂವ್ಚೊ
ರೂಕ್ ಜಾವ್ನ್
ಆಖೇರಿಕ್ ಪುಣ್‌ಯೀ ನಿಸ್ವಾರ್ತಿ ಜಾಯ್ಜಯ್

23. ಏಕ್ ಫುಟ್

ಇಗರ್ಜ್ ಮಾತೆಚೊ ಫಾತೊರ್ ಪೆದ್ರುನ್
ಜೆಜುಕ್ ತೀನ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ನೆಗಾರ್ ಕೆಲೆಂ
ಧರ್ಮ್ ಭಷ್ಟ್ ಜುದಾಸಾನ್
ಫಕತ್ ತೀಸ್ ಶೆಕುಲಾಂಕ್
ಮೆಸ್ತ್ರಿಕ್ ಉಮೊ ದಿಲೊ
ವಿವೇಕಿ ಶಿಸ್ ಥೊಮಸ್
ಜೆಜುಚೆರ್ ದುಭಾವ್ಲೊ

ಆನಿ ಮ್ಹಜೆ ಕಾಣಿ
ಹಾಂವ್ ಫಾತೊರ್
ಹಾಂವ್ ಭಷ್ಟ್
ಯಾ ವಿವೇಕಿ ನೆಣಾಂ

ಇಗರ್ಜೆಚೆಂ ಘಾಂಟಿಚೊ
ಅದ್ಭುತ್ ನಾದ್
ಜಿಬೆಂತ್ ಕರ್ಗೊಂಚೊ
ಪವಿತ್ರ್ ಕುಮ್ಸಾರ್
ಆನಿ ತ್ಯಾ ಕುಮ್ಸಾರಾಚೆಂ ಪವಿತ್ರ್‌ಪಣ್
ಸಕ್ಕಡ್ ಮ್ಹಾಕಾ
ಗೊಂದೊಳ್ ಕರ್ತಾತ್
ಆನಿ ಹಾಂವ್ ಘುಸ್ಪೊಡ್ತಾಂ

ಮ್ಹಜೆ ಖಾತಿರ್ ಜೆಜುನ್
ಖುರ್ಸಾರ್ ಮೊರ್ಚೆಂ?
ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ
ಮೊರುನ್, ತೀನ್ ದಿಸಾಂನಿ
ಪರತ್ ಉಟ್ಚೆಂ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ

ಫೊವ್ತ್
ಪುನರ್ ಜಿವಂತ್‌ಪಣ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್
ಫಕತ್ ಮರಣಾಚೆಂ ಉಪ್ರಾಂತ್ಲೆ
ವಿಚಾರ್ ನ್ಹಯ್

24. ಉದ್ಗಾಮೂಳ್

ತೊ ಪಯ್ಲೊ ಥೆಂಬೊ
ಸುಕ್ಯೆ ಧರ್ಣಿಕ್ ಉಮೊ ದಿತಾನಾ
ಹುನ್ಸಾಣೆನ್ ಮಾತಿಯೆನ್
ಬಂಡಾಯೆಚೊ ಪರ್ಮಳ್ ಪಾಚಾರ್‍ಲೊನಾ

ಥೆಂಬೊ ಕಿಡ್ಕಿಡೊನ್
ಶಿರಾಂಧಾರಿಚೊ ಪಾವ್ಸ್ ವೊತ್ತಾನಾ
ಧುಳಿಚಿ ಮಾತಿ
ಮೊವಾಳಾಯೆಂತ್ ಬಿಜ್‌ಲ್ಲಿ - ಥರ್ಥರ್‍ಲಿ

ಥಂಯ್
ಅಬ್ಬೆ ಪಳೆ ಥಂಯ್ಸರ್
ಖಿಲ್ರಾಲ್ಲ್ಯಾ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ರೊಂಪಿಯೆನ್
ಪಾಚ್ವ್ಯಾ ರಾಜ್ವಟ್ಕೆಕ್
ಬುನ್ಯಾದ್ ಘಾಲ್ಯಾ

ಪಾಚ್ವೆಂಪಣ್ - ಜಿವೆಂಪಣ್
ಕರ್‍ಗೊನ್ ಕರ್‍ಗೊನ್
ದಾಧೊಸ್ಕಾಯೆಚೊ ಕಾಳ್ ಸಂಪ್ಲಾ

ಆತಾಂ ಥಂಯ್ಸರ್ ಪಾಚ್ವೆಂಪಣ್ ನಾ
ವ್ಹಡ್ ಇಮಾರತಾಂ ಆಸಾತ್
ಪಯ್ಯಾಂಚೆ ಪರಾಕ್ರಮೆ ನಿಮ್ತಿಂ
ಹವಾನಿಯಂತ್ರಕ್‌ಚ್ ಪ್ರಕೃತಿ ಜಾಲಾಂ

ಮಾರ್‍ಗಾರ್ ಮಾಗ್ತಾಲೊ ಎಕ್ಲೊ
ಫಾಮೆವ್ನ್ ಭಿಜೊನ್
ಸಾರ್ಕೆಂ ರಾವೊಂಕ್‌ಯೀ ಪೆಚಾಡ್ತಾ
ತಕ್ಲಿ ಉಕಲ್ನ್ ಪಳೆತಾ
ಆನಿ ಪಾವ್ಸಾಚೆಂ ಮೋಡ್
ಕೆದಿಂಚ್ ಪಾಟಿಂ ಪಾವಾನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ
ಗಾಂವಾಕ್ ಚಮ್ಕ್ಯಾತಾ

25. ಹೊ ದೇಶ್

ಹ್ಯಾ ಡಕಾಯ್ತಿಚ್ಯಾ ರಸ್ತ್ಯಾಂರ್ ಚಮ್ಕಾತಾತ್
ಪುರಾಸಾಣೆಚಿ ತಿಂ ಮೆಟಾಂ
ಭೆಟವ್ಣೆಚ್ಯಾ ಜಡಾಯೆಕ್ ಬಾಗ್ವಾತಾತ್
ಉಮ್ಕಳಾಯಿಲ್ಲೆ ರೂಕ್
ಕರ್ಕಟ್ಯಾ ವೊತಾಂತ್ಯೀ ಸಾಸ್ವತಾತ್
ಕ್ರೂರ್‌ಪಣಾಚೊ ಕಾಳೊಕ್ ಭರ್ಲಲೆ ದೊಳೆ
ರಾಜ್ವಟ್ಕೆಚ್ಯಾ ವ್ಹಾಣಾಂ ಪಂದಾಂ
ಗಳೊ ಮೋಡ್ನ್ ಸಾಂಪಡ್ತಾತ್
ಭಷ್ಟಾಲ್ಲಿಂ ನೆಣಾರಿ ಬೆಕುಳಾಂ
    ವ್ಹಾಳ್ಚ್ಯಾ ರಗ್ತಾಚ್ಯಾ ಥೆಂಬ್ಯಾ ಥೆಂಬ್ಯಾಂನಿ
    ಉಜ್ಯಾಗುಳೆ ಭರ್ನ್ ಕಾಣ್ಗೆಲ್ಲೆಲೆ
    ಸ್ತುತಿಸ್ತುತಿ ಮ್ಹಣ್
    ಆಪ್ಣಾಕ್ ಸ್ಫೋಟನ್ ಕರ್ನ್ ಘೆತ್ಲೆಲೆ
    ಧುಂವರ್ ಜಾವ್ನ್ ಧುಂಯೆಂಸ್ ಜಾವ್ನ್
    ಗಾಂವ್‌ಗಾಂವಾಚ್ಯಾ ಹರ್ದ್ಯಾಂತ್ ರಿಗ್ಲೆಲೆ
ಹಾತ್ ಜೋಡ್ನ್ ಹಾಸ್ಚೆ
ಧೊಲ್ಕೆಲ್ಯಾ ಪೊಟಾಂನಿ
ಮತ್‌ದಾರಾಂಕ್ ಭರ್ಲೆಲೆ
ಹಾಡಾಂಮಾಸ್ ಚಾಬೊನ್
ಘಾಮ್ - ರಗತ್ ಪಿಯೆವ್ನ್
ಡರ್ಪ್ರ ಮ್ಹಣ್ ಧೆಂಕ್ ಕಾಡ್ಲೆಲೆ
    ನಿರಪ್ರಾಧಿ ಇಮಾಜಿ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್
    ಕೊಯ್ತಿ ಪಾಜ್ತೆಲೆ
    ಹಾತ್ ಜೋಡ್ನ್ ಧಿಂಬಿ ಘಾಲ್ತಚ್
    ಚಾಮ್ಡೆಂ ಸೊಲ್ತಾಲೆ
    ಹಾಡಾಂ ಮಾಸ್ ವಿಂಗಡ್ ಕರ್ತಾಲೆ
    ಆನಿ ಕಿತೆಂಚ್ ಘಡುಂಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಪರಿಂ
    ಥಂಡ್ ಹಾಸ್ತೆಲೆ ಸ್ತುತಿ ಕರ್ತೆಲೆ
ಸಾಯ್ಬಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ
ಹೆಂ ಸಪಣ್ ನ್ಹಯ್
ಹೆಂ ಸಪಣ್ ನ್ಹಯ್
ವೀರ್ ಶೂರಾಂಚೊ ದೇಸ್ ಹೊ
ಮಾತಿ ಖಾತೆಲ್ಯಾಂಚೊ ದೇಸ್ ಹೊ

26. ಪಾಸ್

ಉಮ್ಕಾಳಾಯಿಲ್ಲೊ ಪಾಸ್
ಅನಿಕಿ ಥಂಯ್ಸರ್ ಆಸಾ
ಘುಂವ್ಚ್ಯಾ ಘಾಂಕ್ಯಾಕ್
ಏಕ್ ಪೂರ್ಣ್ ವಿರಾಮ್
ದವರ್ಲೆಲ್ಯಾ ಬರಿ

ತಾಣಿಂ ತಿಕಾ
ಉಕಲ್ನ್ ವೆಲಾಂ
ಆನಿ ಹಾಂವ್
ತಿಚೆ ಸಂಗಿ ಎಕ್ವಟ್ಲಾಂ

ಆದ್ಲುನ್ ಪಡ್ಲೆಲೆಂ ಕದೆಲ್
ಉಮ್ಕಳ್ಚೊ ಪಾಸ್
ಮ್ಹಜಿಂ ಆರ್ಗಾಂ ಆಶೆತಾ
ವ್ಹಯ್
ಹಾಂವ್ ತಿಚೆಂ ಸಂಗಿ ಎಕ್ವಟ್ಲಾಂ

ಕುಡಾಂತ್ ತೀಳ್ನ್ ಪಳೆಂವ್ಚ್ಯಾ
ತಾಂಚೆಂ ಹರ್ದೆಂ ಧಡ್ದಡುನ್ ಆಸಾ
ಆನಿ ದೊಳ್ಯಾಂನಿ ದೂಕ್
'ಆಸ್ತಾನಾ ನಾತ್ಲೆಲಿಂ
ನಾ ಮ್ಹಣ್ತಾನಾ ಸಾಸ್ಪತಾತ್'
ಭೊವ್ಶಾ ಮ್ಹಜೆ ಬರಿಚ್ಚ್
ಪುಣ್ ಹಾಂವ್
ತಿಚೆ ಸಂಗಿ ಎಕ್ವಟ್ಲಾಂ

ತೊ ಉಮ್ಕಳಾಯಿಲ್ಲೊ ಪಾಸ್
ಅನಿಕಿ ಥಂಯ್ಸರ್ ಆಸಾ
ಆಸುಂದಿ ಸೊಡಾ
ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಪರ್ತ್ಯಾನ್
ಹಾಂವೆಂ ಗಳೊ
ಫಾಸಾಕ್ ಲಾಯ್ಜಯ್

27. ಉರ್ಭಾ?

ಮ್ಹಜೆ ಉರ್ಭೆಚೆಂ ಮೂಳ್
ಮ್ಹಜೆಂ ಹರ್ದೆಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್
ತುರ್ರ್ತಾನ್ ಹರ್ದೆಂ
ಮೋಡ್ನ್ ಘಾಲ್ಚೆಂಚ್ ಬರೆಂ
ನಾ ತರ್
ಹಿ ಕೂಡ್ ನಿರ್ವಸಿತ್ ಜಾಯ್ತ್

ಮ್ಹಜೆ ಉರ್ಭೆಚೆಂ ಮೂಳ್
ಮ್ಹಜೆಂ ರಗತ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್
ಎಕಾಚ್ಯಾಣೆ ಸಗ್ಳೆಂ ರಗತ್
ಆಟಂವ್ಚೆಂಚ್ ಬರೆಂ
ನಾ ತರ್
ಸಗ್ಳಿ ಕೂಡ್ ನಿಳ್ಳಿ ಜಾಯ್ತ್

ಮ್ಹಜೆ ಉರ್ಭೆಚೆಂ ಮೂಳ್
ಮ್ಹಜೊ ಉಸ್ವಾಸ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್
ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಮರಣ್ ಪಾಂವ್ಚೆಂಚ್ ಬರೆಂ
ನಾ ತರ್
ಸ್ವಾಸ್ ಸ್ವಾಸ್ ಸಾಂಗಾತಾ ಮೆಳೊನ್
ಸಗ್ಳೊ ಗಾಂವ್ಚ್ ವಾಯ್ಟಾಕ್ ಪಡಾತ್

ಮ್ಹಜೆ ಉರ್ಭೆಚೆಂ ಮೂಳ್
ಹೊ ಮ್ಹಜೊ ಆತ್ಮೊ ಜಾಲ್ಯಾರ್
ಸಾಯ್ಬಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಭೊಗೊಸ್
ತುರ್ರ್ತಾನ್ ಆತ್ಮೊ
ನಾಸ್ ಕರ್ಚೆಂಚ್ ಬರೆಂ
ನಾತರ್
ತೆಂ ಯೆಮ್ಕೊಂಡ್ ಖುಬಾಳಿತ್

28. ಮರಣ್ ಶಾಸನ್

ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮೊರ್ನ್ಯಾಚಿ
ಖಬರ್ ಮೆಳ್ತಚ್
ದುಕಾಂ ಗಳಯ್ನಾಕಾತ್
ಬೋವ್ ಕಶ್ಟಾಂತ್ ಗೆಲ್ಲೊ ಜೀವ್
ಪರತ್ ಪಾಟಿಂ ಯೇತ್

ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮೊರ್ನ್ಯಾಚಿ
ಖಬರ್ ಪಾಚಾರುಂಕ್
ಇಗರ್ಜೆಚಿ ಘಾಂಟ್ ಮಾರಿನಾಕಾತ್
ಉಬ್ಜ್ಯಾಸುಕ್ಣ್ಯಾಂಕ್ ತ್ರಾಸ್ ಜಾಯ್ತ್
ನೆಣ್ತ್ಯಾಂಕ್ ಜಾಗ್ ಜಾಯ್ತ್

ಮ್ಹಜೆಂ ನಿರ್ಜೀವ್ ಕುಡಿಕ್
ನವಿ ಮುಸ್ತಾಯ್ಕಿ ನ್ಹೆಸಯ್ನಾಕಾತ್
ತ್ಯಾ ಇಗರ್ಜೆಭಾಯ್ರ್ ಮಾಗ್ತೆಲ್ಯಾಂಚೆಂ
ಆಂಗ್ ಧಾಂಪುಂಕ್ ಜಾಯ್ತ್

ಮ್ಹಜೆಂ ಮರಣ್
ಮರಣ್ ಜಾಂವ್ದಿ
ದುಃಖಾಂ ಗಳಯ್ನಾಕಾತ್
ವಾಯ್ಟ್ ಸ್ವಪಣ್ ಕರಿನಾಕಾತ್

ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಫೊಂಡಾವಯ್ರ್
ಫುಲಾಂ ದವರಿನಾಕಾತ್
ಜಳ್ಚ್ಯಾ ರಗ್ತಾಚ್ಯಾ ವೊತಾಕ್
ಸೊಬಾಯ್ ಕರ್ತಾತ್

ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಫೊಂಡಾವಯ್ರ್
ಗ್ರೊಟೊ ಭಾಂದಯ್ನಾಕಾತ್
ಸುಟ್ಕಾ ಮೆಳ್ಲ್ಲೆ ಮ್ಹಜೆ
ಕಣ್ ಕಣ್‌ಯೀ
ಮಾತಿ ಜಾಂವ್ಕ್
ತ್ರಾಸ್ ಜಾಯ್ತ್

29. ಕಾನ್ಸ್ಟಿಪೇಶನ್

ತುಂ ಕುಲೊ ತೆಂಕುನ್
ಬಸುನ್ ಜಲ್ಮಾಯಿಲ್ಲಿಂ
ತಿಂ ತುಜಿಂ
ಸಮಾಧಾನೆಚಿಂ ಭೊಗ್ಣಾಂ
ಉಗ್ಡಾಸಾಕ್ ಹಾಡ್
ತೆದ್ನಾ ಏಕ್ ಪಾಪ್ವಿಂ ಪುಣಿಂ
ಆತ್ಮೊ ನಿರ್ಮಳ್ ಜಾಯ್ತ್

ತುಂ ಜೆದ್ನಾ ಜೆದ್ನಾ
ಖಂಯ್ಸರ್ಯೀ
ಸಂತೊಸ್‌ಭರಿತ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ
ತ್ಯಾ ಸ್ಖಲನಾಂಕ್ ಪುಣಿಂ
ಉಗ್ಡಾಸಾಕ್ ಹಾಡ್
ಏಕ್ ಪಾಪ್ವಿಂ ಪುಣಿಂ
ಆತ್ಮೊ ಸ್ವತಂತ್ರ್ ಜಾಯ್ತ್

ನ್ಹಯ್
ತುಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್
ಒಪರೇಶನಾಕ್ ಭಿಯೆತಾಯ್?
ಸ್ವಪ್ಣಾಂಕ್ ಚೀರ್ನ್
ಸಲೀಸಾಯೆನ್ ಶಿವುಂಕ್ ಜಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ ನಾ
ಖಿರ್ಲ್ವೈತ್
ಫುಲವೈತ್
ಪ್ರುಣ್ ಆತ್ಮ್ಯಾಕ್
ಸುಟ್ಕಾ ಮೆಳಾಜಯ್ಜ್

30. ಮಾಸ್

ಪೆಂಟೆಕ್ ಮ್ಹಣ್ ಗೆಲ್ಲೊಂ ಹಾಂವ್
ಘೆತ್ಲೆಂ ಏಕ್ ಕಿಲೊ ಮಾಸ್
ಆತಾಂ ಪಾಟಿಂ ಘರಾ ಪಾವೊಂಕ್
ಲಾಗ್ತಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಭ್ಯೆಂ
ಥಯ್ಲಿಂತ್ಲೊ ರಂಗ್ ಚಿಂತುನ್ ಕಿತೆಂ
ಹಾಂವ್ ಘಾಬ್ರೆತಾಂ
ಫುಲಾಂ ವಿಕ್ಚೊ ಗೋಪಿ
ಆನಿ ತೊ ಬಾಮುಣಾಂಚೊ ರವಿ
ದುಭಾವಾಚೆ ನದ್ರೆರ್ ಘಾಲ್ತಾತ್ ದೀಶ್ಟ್
ಹಾಂವ್ ಭಿಯೆತಾಂ ಘಾಮೆತಾಂ
ಗಲ್ಲಿಂತ್ಲೆ ಸರ್ವ್ ಜಣ್
'ತೆಂ-ರಕ್ಷಕ್' ಭಾಷೆನ್ ದಿಸ್ತಾತ್
ಭೊಗ್ತಾಕೀ
ಹರ್ಯೇಕ್ಲ್ಯಾಕ್‌ಯೀ ಕಳಿತ್ ಜಾಲಾಂ ;
ಮ್ಹಜಿ ಮೇಟಾಂ
ಧಾಂವೊಂಕ್ ಲಾಗ್ತಾತ್ ಆನಿ
ಘರಾ ಪಾವ್ತಚ್
ಬಾಗಿಲ್ ಜನೆಲಾಂ ಬಂದ್ ಕರ್ತಾಂ
ಥಯ್ಲಿಂತ್ಲೆಂ ಭಾಯ್ರ್ ಕಾಡ್ಲೆಲೆ ಮಾಸ್
ಕೊಯ್ತೊ ಸಂಗಿ ಝುಜ್ತಾ
ಆನಿ ಸುಶೆಗಾತ್ ರಿಗ್ತಾ ಕುಕ್ಕರಾಂತ್
ಉಜ್ಯಾಚೆಂ ಹುನ್ ಲಾಗ್ತಚ್
ಖಿಂತಿರ್ ಪಡ್ತಾ ಕುಕ್ಕರ್
ವೇಳ್ ಪಾವ್ತಚ್
ಆಂಬೆತಾ ಕುಕ್ಕರ್ ಅಪ್ಚಿತ್‌ಪಣಾನ್
ಭಿಂಯಾನ್ ಕಿತೆಂ ಹಾಂವ್
ಚಡಯ್ತಾಂ ಟಿ.ವಿ.ಚೊ ಆವಾಜ್
ಪುಣ್ ಕುಕ್ಕಾರಾಂತ್ಲೆಂ ಮಾಸ್ ಮಾತ್ರ್
ಭಾಯ್ರ್ ಚರುನಾಸಾ ಸವ್ಯಾಸ್
ಪರ್ಮಳ್ ಜಾವ್ನ್
ಚರುಂಕ್
ದೂದ್ ದೀಂವ್ಕ್

31. ಥೊಡ್ಯೊ ಚುಕಿ

ಚೂಕ್ – 1
ಪುಟ್‌ಲ್ಲಿ ವೊಣದ್ ಕಾಂಪ್ತಾ
ಪಿಂಜ್‌ಲ್ಲಿ ಮಾಂದ್ರಿ ಆಂಕುಡ್ತಾ
ನೆಣ್ತ್ಯಾಚೊ ಜಲ್ಮ್
ಆನ್ಯೆಕ್ ಭಾಸಾವ್ನಿ ಜಾವ್ನ್
ದುಬ್ಳ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೆ ಧಾರಾಳ್ಪಣ್ ಜಾವ್ನ್

ಚೂಕ್ – 2
ನೆಣ್ತ್ಯಾಚ್ಯಾ ಎಕ್ಸುರ್‌ಪಣಾಕ್
ಪಳೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಬಾಯೆಚೊ ಸಾಂಗಾತ್
ಚೆಡ್ವಾಚಿ ಆಶಾ ಕಿತೆಂ ಆಸ್ಲಿಗೀ
ಇಸ್ಕೊಲ್ ಚುಕಂವ್ಚಾಂತ್ ಜಾಲೆಂ ಸುಧ್ರಾಪ್

ಚೂಕ್ – 3
ಬೆಬ್ದೊ ಬಾಪುಯ್– ಪುರ್ಪುರಿ ಮಾಂಯ್
ಹಾಂಚಿ ಲಡಾಯ್ ಅಬ್ಲೆಸ್ ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್
ನೆಣ್ತ್ಯಾಚೆಂ ರಡ್ಣೆಂ
ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಘರ್‌ಭರ್ ಮವ್ನ್
ವಾಸ್ಚ್ಯಾ ವೊಂಟಾಂಕ್
ಪಾಳ್ಣ್ಯಾಗಿತಾಂಚಿ ಜಡಾಯ್

ಚೂಕ್ – 4
ಖಿಂಯ್ ಥಾವ್ನ್‌ಗೀ ಕೆನ್ನಾಯ್ ಉಸಳ್ತಾ
ಇಸ್ಕೊಲಾಕ್ ವೆಚಿ ಉರ್ಬಾ
ಪೊಣ್ಣ್ ಘಾಲ್ಲೆ ಬರಿ
'ಬಾ ಬಾಲೆ ಶಾಲೆಗೆ'ಚೆಂ ಪಾಟಿಂಬೊ
ವಿರೋಧ್ ಪಾಡ್ತಿಬರಿ
ಸಮ್ಮಿಶ್ರ್ ಸರ್ಕಾರಾಬರಿ

ಚೂಕ್ – 5
ಬೆಬ್ದ್ಯಾಚೆ ಚುರ್ಚುರೆ
ಆವಯ್ಚೆ ಪಿರ್ಪಿರೊ
ಚೆಡ್ವಾಚೆಂ ನೆಣ್ತೆಂಪಣ್ ಮಾತ್ರ್ ಭಂಗಾಚೆಂ
ಅಧಿಕಾರಿಂಚೆ ದಬಾವ್
ಧರ್ಮಾರ್ತ್ ವಾಂಟ್ಯಾ ಖಾತಿರ್
ಚೆಡುಂ ಸ್ವಪ್ಣಾಂತ್‌ಯೀ ಪಿಂರ್ಗ್ತಾತಾ
ಇಸ್ಕೊಲ್ ಭುರ್ಗೆಂ ಇಸ್ಕೊಲ್ ಭುರ್ಗೆಂ

ಚೂಕ್ – 6
ಚುಕಿ ಅಶ್ಯೊಚ್
ಜಾವ್ನ್‌ಚ್ ಆಸ್ತಾತ್
ಗರಿಬಾಂಚ್ಯೆ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್
ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಚೆಂ ನೆಣ್ತೆಂಪಣ್ ಲಕ್ತಾ
ಹ್ಯಾ ದುಬ್ಳಿಕಾಯೆಚ್ಯಾ ರೇಗೆರ್

३१. थोड्यो चुकि

चूक – १
फूटल्ली वोणद कांप्ता
पिंजल्ली मांद्री आंकुडता
नेणत्याचो जल्म
आन्येक भासावणी जावन
दुबळ्याच्या मोगाचे धाराळपण जावन

चूक – २
नेणत्याच्या एक्सूरपणाक
पळेंवच्या बायेचो सांगात
चेडवाची आशा कितें आसलिगी
इसकोल चुकंवचांत जालें सुध्राप

चूक – ३
बेब्दो बापूय– पुर्पुरी मांय
हांची लडाय अबलेस सोडल्यार
नेणत्याचें रडणें
सोडल्यार घरभर मवन
वासच्या वोंटांक
पाळण्यागितांची जडाय

चूक – ४
खंय थावनगी केन्नाय उसळता
इसकोलाक वेची उर्भा
फेंण्ण घाल्ले बरी
'बा बाले शालेगे'चें पाटिंबो
विरोध पाडतिबरी
सम्मिश्र सर्काराबरी

चूक – ५
बेब्द्याचे चुर्चुरे
आवयचे पिर्पिरो
चेडवाचें नेणतेंपण मात्र भंगाचें
अधिकारिंचे दबाव
धर्मार्त वांटपा खातीर
चेडूं स्वपणांतयी पिंर्गाता
इसकोल भुर्गें इसकोल भुर्गें

चूक – ६
चुकी अश्योच
जावनच आसतात
गरिबांच्ये जिण्येंत
भुर्ग्यांचें नेणतेंपण लक्ता
ह्या दुबळिकायेच्या रेगेर

(R.) ★ Konkani Language & Cultural

जोन सुंटिकोप्प

1983 इस्वेच्या अक्तोबर 26 तारिकेर मडिकेरी गांवांत जल्माल्लो जोन पावल डी'सोज B.A. (English Literature), पद्वेचें शिकप संपवन D.Ed, B.Ed शिकप संपवन सद्याक M.A. (English Literature) पद्युत्तर शिकप जोडून आसा. वृत्तेन सर्कारी इसकोलांत शिक्षक हो अप्लोच ब्लोग सयत आसचो हो कोंकणेशिवाय कानडी भासेंत सयत कविता, काणयो तशेंच प्रभंध/लेकनां बरयता.

दे। जोसेफ डी'सोज अनी मानेसतीण मेरी डी'सोज हांचो सुपुत्र जोन सुंटिकोप्प अपली पतीण ओलिविया अनी धूव ज्योत्स्नासवें वसती करून आसा.

– आशावादी प्रकाशन

मोनी बोब

जोन सुंटिकोप्पच्या कवितेंचो पयलो जमो

आशावादी प्रकाशन

आशावादि प्रकाशनाचो तेत्तीसावो बूक

'MONI BOB' - *Collection of Konkani Poetry in kannada script by John D'Souza, Suntikoppa. This collection is edited by Valley Quadras and published by Ashawadi Prakashan, 1801, Skylark Tower, 18th Floor, Plot 7, Ghansoli Sector 15, New Palm Beach Road, Navi Mumbai 400701, MH.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN

First Edition: 2017
Copies: 500

Cover	:	Assisi Press, Mangalore
Layout	:	Assisi Press, Mangalore
Pages	:	88
Price	:	Rs.125
Paper	:	80 gsm, N.S. Maplitho
Printed at	:	Assisi Press, Mangalore

For complete details of Ashawadi Prakashan, visit
www.ashawadi.com or Email at ashawadi@gmail.com

भितरल्या पानांनी

प्रसतावन: कोशेडदाच्या कानांक आयकुंची बोब ही 5
सुर्विलीं उत्रां 12
जीब आनी रूक 14
देवाचें राज 15
मन की बात 16
आवय 17
कविता जांवची म्हळ्यार कितें? 18
एक मागणें 19
देसांतर 20
वायद्याची खोंकली 21
दुकिचे मिसतेर 22
जिहादिंच्या गांवांत 23
संघटन 24
ट्रक्किंग 25
गरम 26
फूल फुल्चें वेळ 27
कूड 28
उशें 29
मोड्या तपासणी 30
तूं गेल्ले रातीं 31
घाय 32
गर्भापात 33
पुनर जिवंतपण 34
मरण 35
एक फूट 36
उदकामूळ 37
हो देश 38
पास 39
उर्भा? 40
मरण शासन 41
कानस्टिपेशन 42
मास 43
थोड्यो चुकी 44
चूक – १ 44
चूक – २ 44
चूक – ३ 44
चूक – ४ 44
चूक – ५ 44
चूक – ६ 44

आशावादी प्रकाशन (२००२ थावन २०१७ पऱ्यांत)

२००२

आशावादी (वल्ली क्वाड्रस)

२००३

च्यार मुखां (वल्ली क्वाड्रस)

जिविता सोभाण (जोर्जी पींत आयकोळ)

खिळो (वल्ली क्वाड्रस)

२००४

कटपुतळी (वल्ली क्वाड्रस)

कयद्याच्यो कविता (एच्चेम)

व्हळू व्हळू व्हाळ व्हाळ्या (आंड्रयू एल. डी कुन्हा)

२००५

विंचणार चिंताप आनी भगणां (जेम्मा मडील)

सतां आनी खतां (वल्ली क्वाड्रस)

सर्गावयली मांय (रोनालड ओलिवेरा)

कंगाल आनी ताची कुक्केहळ्ळी (वल्ली क्वाड्रस)

मोतियां आनी तारां (वेवेगळे कवी)

कवितापाठ - १ (वल्ली क्वाड्रस)

२००६

पाटीं गांवाक (वल्ली क्वाड्रस)

ब्रामुणांचें चेडूं (एच्चेम)

दर्भारांतली पिंर्गोण (वल्ली क्वाड्रस)

दऱ्याक उदाक (वल्ली क्वाड्रस)

सागोराच्या वाटेच्यो झरी (वेवेगळे कवी)

२००७

आडोसांतलीं फुलां (आसटीन डी सोज प्रभू)

आटव्या रंगाचो धोणू (मेलवीन जे. वास)

शिंपडलेलीं मोतियां (वल्ली क्वाड्रस)

मुखां पाटलीं रुपां (अनील पेर्नल)

मोळबावयलीं स्वपणां (वल्ली क्वाड्रस)

कुल्कुलो (सिज्येस ताकोडे)

तिंतेरांत पिंतुरां (वेवेगळे कवी)

काळोक नातल्लो गांव (वल्ली क्वाड्रस)

२००८

म्होंव आनी मूस (मेलवीन पिंटो नीरुडे)

२०१७

बंध (वल्ली क्वाड्रस)

अपवित्र संबंध (वाल्टर लसादो)

सर्गावयली मांय (रोनालड ओलिवेरा)

बजार (वल्ली क्वाड्रस)

मुगदनातलीं गितां (वल्ली क्वाड्रस)

मोनी बोब (जोन सुंटिकोप्प)

मुखामुखी (वल्ली क्वाड्रस)

आशावादी प्रकाशन

[प्रसतावन] कोशेडदाच्या कानांक आयकुंची बोब ही

The only thing that is constant in this world is change (ह्या संसारांत थीर आसची एकच आनी ती जावनासा बदलावण) चल्चो मनीस वारयार उभुंक सकलो, उदकाचेर पयण करुंक पावलो, यंत्रांच्या काळार तंत्रांचो उपेग करून वेवेगळ्यो धुस्पटेच्यो सक्त्यो रचुंक पावलो आनी ह्या सक्तेचो परिणाम जावन आज एक गांव खिणान भस्मुंक सकलो. दिसानदिसा बदलुंच्या ह्या संसारांत कितेंच थीर म्हळ्ळें ना म्हणतच सूरयान 'उज्वाड फांकंवचें, दरयान' उदाक व्हाळंवचें, वारयान "वारें" सोडुंक ना. मनीस जावन जियेतलो ह्या संसाराच्या खंच्याय मुल्यांत जियेंव, पूण बदलुंच्या संसारांत तो अपवाद *exception* न्हय.

कवी सयत संयबान एक मनीस म्हणतच, ह्या बदलुंच्या संसारांत बदलनासताना कसो रावतलो? हें महत्वाचें सवाल. कविसंयब एक देण, एक जवाभदारी शिवाय हव्यास व पिसाय मात्र न्हय म्हण पात्येतलों हांव एकलों देकून हिच्च पात्येणी आसच्यांची बरपां म्हाका चडीत मोलाधीक म्हण भग्ता, हेच्च चिंत्पाच्या बुन्यादिचेर ह्ये बदलावणेविशीं मुकारून सांगों तर; मनीस/जान्वार कितली बदल्ल्यारी, अपलो संयब सोडून दीना, जशें वाग तण खायना, व बोकडी मास खायना. तेच्चपरीं कवी सयत अपल्ये मुळावे जवाभदारेथावन सुटका जोडुंक सकाना.

जेदनां हांव युरोपांतल्या स्वीडनांत काम करून आसताना, घाटाच्या 'सुंटिकोप्पाचो जोन' म्हळ्ळ्याची कविता वाचतच, ह्या कविचो अभिमानी जालों. आनी ह्या अभिमानाचें प्रमूक कारण आमचें एकामेकाचें चिंतप ताळ पडतालें, कविता म्हळ्यार एक जवाभदारी – ती पयली कवीन खुद्द पाळुंक आसची म्हण खरेंपणीं पात्येतलों हांव, आनी जोन सयत हेच्च चिंत्पाचो म्हणतच ताच्या बरपांचेर तशेंच वेक्तित्वाचेर म्हजो अभिमान खरो.

ह्या संसारांत सरवांक बदलावण जाय, पूण कोणच्च अपूण खुद्द जावन बदलुंक तयार ना. प्रगतिशील चिंत्पाची बुन्याद सयत हिच्च; प्रगती, पूण पयली अपणाची, अपलें चिंतप, अपली अभिव्यक्ती, अपलीं कामां बरीं जालीं तर संसार अप्सोच्च बदल्ता शिवाय, पोकोळ उत्रां गुंतून समाजेक पोकोळ सूत्रां भांदून कांय एकल्या दोगांक फटव्येत पूण खुद्द अपणाक फटवन घेवंक असाध्य. साहीत रचतेले सयत एकाच्च इराद्यान साहीत रचिनांत, नांव जोडचाक, मान जोडचाक, हव्यासाक व खोरोज काडचाक तर म्हाका कित्याकगी साहीत एक जवाभदारी म्हण भगलें देकून आमी एकवटीत जावन भलायकेभरीत समाज घडचे दिशेंत भलायकेभरीत चिंतप उटव्यां म्हळ्ळे इराद्यान आमी एक पाटथळ आसा करुंक म्हणून 'प्रगतिशील कोंकणी

बरवपी' म्हळ्ळी वेदी भांदुंक एक मेट काडलें. थोडे जम्ले, थोडे तांच्या सदांच्या संयबापरीं पयस उरोन तमासो पळेलागले आनी उण्या भावाडताच्या थोड्यांक सुरू जाल्ली पोडकाणी अजून आसून खोर्पून घेतेच आसात, आसूं. पूण ह्या चिंत्पाची बुन्याद समजून घेतल्लीं भोवच थोडीं. आनी तांतूं जोन सुंटिकोप्प एकलो म्हणून ताचीं बरपांच गोवाय दितात.

आमीं यंत्रांचीं इतलीं गुलाम जाल्यांव म्हळ्यार, आमचेच्च सेजारा मोरन जाल्यारी, जेदोळ परयांत माध्यमांनी व सामाजीक जाळिजाग्यांनी तांचेविशीं उल्लेक ना, तेदोळ म्हणासर आमी पात्येनांव. इतलेंच न्हय, असल्या माध्यमांनी व सामाजीक जाळिजाग्यांनी खबर जांवच्याकच घड्येत जाल्ल्यो खबरोय आसात, खबरो रचपियी असात, कोणाक फुलांतुरे तर आनी कोणाक खांट्याभाले तोपून गुप्तीं पोट भर्चे आण्वे सयत चडून येंवच्या ह्या काळार, अपल्या मोगाच्यांचेर अपणाक आसचो मोग रुजू करुंक सयत माध्यमां, समाजीक जाळिजाग्यांनी गाजंवचें, गुमाट वाजंवचें सामान्य जालां. आमच्या देवाचेर, धरमाचेर आसची पात्येणी रुजू करुंक सयत आमी आमच्या फेसबूक/वाटसआपाचेर डिपी बदलून संसाराक धाखंवची गरज म्हण पात्येंवचे पिशे चडल्यात. आमची जिणी आनी आमी समाजेक धाखंवची जिणी ह्या दोनां मधें आसचो खंदक रूंद/गूंड जावन आयला तरयी रंगा–रुपाक संसार भुल्ता देकून हेच्च करनेक आमचे कवी लागल्यात म्हळ्ळें भोव मारमीक सत.

'मोनी बोब' कविताजम्यांत 'अपलेच्च भरून गेल्ल्या जम्यांत एक्सुरो जांवचें' चिंतप आसा,

'मोनी बोब' जम्यांतलीं एकेक कविता कांय एक पावटीं वाचून विसरचे तसलीं न्हय, कोशेडद आसच्यांक तरयी, एकेका कवितेंत दिसची/आयकुंची बोब मात स्वश्ट आयकता. ही बोब शिवाय, रुदान व किंक्राट न्हय, ह्या कवितेंनी अवाज ना, गाज ना, वा संसाराक फटंवचे जांव मनशापणाक फुटंवचें जांव ना. परत परत वाचुंक, आनी एकेक पावटीं वाचताना नवेंच कवितेचें अमाल दिंवचें प्रामाणीक चिंतप आसा.

ह्या संसारांत दोन वरगाचें चिंतप चिंतेले येतात. एक; हेरांक गळसून जियेतेले, दोन; अपणाथावन हेरांक त्रास जायनाये म्हळ्ळे चिंत्पाचे म्हळ्ळें चिंतप उटंवचीं कविता;

'म्हज्या मोरनाची खबर पाचारुंक
इगरजेची घांट मारिनाकात
उभच्या सुकण्यांक त्रास जायत
नेणत्यांक जाग जायत' [मरण शासन]

ह्या मतलभी संसारांत 'बळ आसच्यांचेंच बोळकें' आनी हें बोळकें करून अपलें जोळकें भर्तेल्यांची समाजीक हकीगत आटापची कविता;

उजो पेटयिल्ल्या फारिजेवानो
वेगिंच पारव्यो संपया
जातातितल्या 'बराब्बसांची फवज'
भांदुंक जाय [देवाचें राज]

राजकीय शेतांत वांटल्लें वीक कशें समाजेक तासयता, कोचायता म्हळें चिंतप आटापची कविता;

गोरवां सरव गायो जावन
गायो सरव देव जावन
देव म्हळ्यार कितें म्हळ्ळेंच नेणासचे सरव
देव रक्षक जावन [मन की बात]

मनशाभांदांत वरतो भांद आवय – ह्या भांदाचेर विणलली कविता;

'आवय..
ही चरित्रा कोणाक जाय सांग
पोटाथावन उसक्याक
उसक्या थावन बावळ्यांक
उपरांत मोडकेक निसरन निसरन
चरित्रेचीं पान जांवचीं' [आवय]

पोकोळ सब्द गुंतून रंगाळ रूप सजवन समाज म्हळ्ळे बजारांत विक्तेल्यांचेर बरयिल्ली कवितेचीं उत्रां पळेयात;

आयलेवारच
वीज खांब्याकी रसत्याकी
वारजीक जावन
कवितेचें मरण जालां' [कविता जांवची म्हळयार कितें]

रंगाच्या निबान समाज मोडतेल्यांक वारें, उदक सयत सोडुंक नाका म्हळ्ळेंच चिंतप व्हाळंवची कविता;

'दगदोणिच्या सूरयाच्या उज्वाडाक
परजळचें उदक तूं
पाचवें? य निळशें?
म्हाका अज्याप..' [देसांतर]

कवी पयस आसल्यारयी तो सरव पळेता, पारकिता, आनी वोरावन पळेता अनी मवन जावन उत्रांनी बोब घाल्ता अशी;

'तर अलोचन बंध कर
दोळे सोडल्यारी दीश्ट लायनाका
दरबसत बोल्स भरुंदी
कितें करूं
म्हाका वायद्याची खोंकली' [वायद्याची खोंकली]

हरयेका समाजेंत मनशापणाचो भोंगोसतोळ जांवचो एक प्रामाणीक कवी जावन कसो सोसुंक सक्ता? देकून ही कविता उभी जाल्या;

'सूकल्ल्या धरणेंत कीरलंवच्या
बोंब बंदुकेंक कितलें म्हण
हुमटून काडूं' [दुकिचे मिसतेर]

आवाज–गाज भरल्ल्या वरतुलांत, जायतेपावटीं मनशापण थकून घेंवचें वाजबी चिंतप हांगासर आसा;

'खिणान हांव
बुगुरी जालों' [जिहादिंच्या गांवांत]

हीं उत्रां कांय नवीं न्हय, बगार चडताव संघटनांची हकीगत;

'तीं मात्र उलवनच आसलीं
मायाक जांवच्या गायरांविशीं
गूरवार जांवच्या चेडवांविशीं' [संघटन]

कवी वोगो तरयी तो जागो, देकून हीं उत्रां;

'रसत्या लांभायकी
घोंकल्ले सब्ध' [गरम]

हीं उत्रां कांय कविच्या प्रामाणीक चिंत्पाची कुरूः दिता, एका प्रगतिशील चिंत्पाचो कवी केदिंच कोणायचेंय वायट चिंतिना, गुप्तीं/सुप्तीं मान काडुंक वा वायट करुंक वचाना, हेंच चिंताप ह्या कवितेंच दिसतात;

'म्हाकाय आसा आशा
उस्वास काडुंक
सोभायेचें फूल फुलवंक' [फूल फुल्चो वेळ]

पूण कविलागीं उत्रांचो बोरगोळ ना, 'उशें' कवितेच्यो ह्यो वोळी कितल्यो अपुर्भायेच्यो पळेया;

'जल्म-मरणाच्या त्या
चेक पोसटा भंवारीं
पासायो मारुंक
उशेंच परवणगी' [उशें]

रोम्यांटीक चिंत्पाच्या बुन्यादिचेर उभी जाल्ली कवितेचीं उत्रां;

'तूं गेल्ले रातीं
तें बागील उगतेंच आसलें
काळजाच्या गुंडायेक
रोंबललीं तांबडीं पाळां
अपलेसतकीं चीरतालीं' [तूं गेल्ले रातीं]

मोनी बोब भोवशा हिच्च;

'म्हजे भितरलो घाय
गायन जावन
भायर सरला' [घाय]

आमच्या पात्की अंतसकरनाक खोंकचीं उत्रां पळेयात;

'आमचें कामूकपण
थोडे पावटीं
पाळणे धल्ता
आनी थोडे पावटीं
खचऱ्या डब्बो भरता [गरभापात]

चडताव कविता अपुर्भायेच्यो म्हणतच, तांतूं एक-दोन कविता विंचुंक त्रास, ह्या कवितेच्यो थोड्यो वोळी पळेया;

'मेल्ल्या उपरांत
हांव एक सवाल जावनच
उरोंक जाय
कोणयी चलानातल्ल्या
वाटेंत चमकुंक जाय
निगूडपणाच्या सुळिंत शून्य जायजय
आनी परत हांव जल्माजाय
धरन थांबेंवच्या तणा थावन

मनशाकुळाक जीव दिंवचो
रूक जावन
अखेरीक पूणयी निस्वारथी जायजय' [मरण]

धारमीक विचारांचेर उभीं केल्लीं सवालां;

'भोवशा
पुनर जिवंतपण म्हळ्यार
फकत मरणा उपरांतले
विचार न्हय' [एक फूट]

तात्वीक चिंत्पाच्ये बुन्यादिचेर उभी केल्ली कविता;

'पाचवेंपण जिवेंपण

करगोन करगोन

दाधोसकायेचो काळ संपला' [उदकामूळ]

मनशापणाचेर असकत्यांचेर जांवचो जुलूम उत्रांनी फात्रांवची कविता;

'निरपराधी इमाजी पाटल्यान
कोयती पाजतेले
हात जोडन दिंबी घाल्तच
चामडें सोल्ताले' [हो देस]

विडंबनात्मक चिंत्पाची कविता;

'तो उमकळायिल्लो पास
अनिकी थंयचर आसा
आसुंदी सोडा
परत्यान परत्यान
हांवें गळो
पासाक लायजय' [पास]

ही कविता कांय वासतव समाजीक काणी सांग्ता;

'पूण कुक्करांतलें मास मात्र
भायर चरुनासा सवकास
परमळ जावन
चरूंक
दूद दीवंक' [मास]

कवितेचें अमाल चडंवची कविता ही;

'बेब्दो बापूय पूरपुरी मांय
हांची लडाय आबलेस सोडल्यार
नेणत्याचें रडणें
सोडल्यार घरभर मवन
वासच्या वोंटांक
पाळण्या गितांची जडाय' [थोड्यो चुकी]

कोंकणी कवितेंचे थोडे जमे हाच्याथीं हांवें बुकारुपार परगट केल्यात; दे।जोर्जी पींत आयकोळाचो पयलो कविताजमो 'जिविता सोभाण' (२००३), एच्चेमाचे 'कयद्याच्यो कविता' (२००४), आनी 'बामुणांचें चेडूं' (२००६), डा।आसटीन डी'सोज प्रभुचो 'आडोसांतलीं फुलां' (२००७), आंड्रू एल. डी'कुन्हाचो पयलो कविताजमो 'व्हळू व्हळू वाळ व्हाळया' (२००४), मेलवीन जेरालड वासाचो 'आटव्या रंगाचो धोणू' (२००७), अनील पेरनालाचो 'मुखां पाटलीं रुपां' (२००७), मा।बा।मेलवीन पिंटो नीरुडेचो पयलो कविताजमो 'म्होंव आनी मूस' (२००८) आनी हेर बूक. पूण थोड्या कविताजम्यांनी म्हाका ते परगट करुंक मन केल्ल्या खातीर भोव चड दाधोसकाय भगल्ली, तांतूं 'मोनी बोब' खंडीत एक जावनासा म्हणून प्रामाणीक जावन उचारणी करतां.

एका वाटेर आमी कोंकणी च्यार राज्यांनी उलंवची, पांच लिपियेंत परजळची, चाळिसांवयर बोलिंनी प्रचारार आसची ग्रेसत भास म्हणून हर्दें पेटतांव तर हकीगतेंत हे आपले देकून सारकें ते पयसिले देकून तांचें बरेंपण समजुंची श्याथी सयत नासचे कुड्डे आनी दोडें वेक्तित्व आपणायिल्ले हिपोक्रेत. आमचीं बरीं कामांच आमची पयली अभिव्यक्ती जांव. कोंकणेचो प्रामाणीक हुसको आनी अभिमान आसच्या कोणेंय एका कोंकणी मनश्याचेर करचो/केल्लो कसलोय गुन्यांव कोंकणेचेर करचो/केल्लो म्हणून समजुंची गरज आसा. आमचो कोंकणी स्पिरीत परमळ जावन मेरो उत्रोन वचुंदी; परमळीक वारें जावन, भलायकेचें उदाक जावन सागोराच्ये वाटेर व्हाळुंदी. आनी ह्या दिशेन ही मोनी बोब आयकुंक सरवांच्या कोशेडदाचीं दारां उगडुंदी म्हळ्ळेंच म्हजें खाल्तें मागणें.

– वल्ली क्वाड्रस

सुर्विलीं दोन उत्रां

कोंकणी साहितीक शेतांत म्हजो पयलो कविता जमो घेवन हांव आयलां. ह्या वेळार हांव म्हाकाच कोडगाचो विराज पेट कोंकणी क्रीसतांव कुटमांचो एक सादो प्रतिनिधी म्हण लेकुंक म्हाका अभिमान भोग्ता. कित्याक म्हळ्यार टिप्पुसुल्तानाच्या काळार मंगळूर प्रांत्या थावन झूज कयदी जावन क्रिसतांव भावाडता खातीर माडतीर जाल्या आनी कोडगाचे रायान दाखयिल्ले कुर्पेनिमती कोडगांतच वसती कर्न स्थळीय संसकृतिंचो, भाषेंचो हल्लो–प्रभाव सोसून आनी आतां मंगळूरांत कोंकणी उलयताना एका 'दलीत' तशें भोगच्या सर्व कोडगू क्रीसतांवंचो हांव एक सांसकृतीक प्रतिनिधी म्हण म्हाका भोग्ता.

म्हजी मायभास कोंकणी तरयी म्हजें काळजाचें भास कानडी. दीस रात बूकां भितर रिगोन साहित्याचोच उस्वास काडन आसलो म्हजो पप्पा देवादीन जोसेफ डी'सोजा म्हाका शेताची रूच चाकयिल्लो पयलो वेक्ती.. आनी हें वासचें पिशेंपण म्हाकाय लागलें आनी हांव सवकास बरोवंकयी लागलों. ह्या वेळार म्हाका दलीत–बंडाय–प्रगतिशील साहित्य चड रुचलें.

जर तर साहित्य वासतविकता थावन पयस सर्ता तेदना तें फकत सपण जाता. कोडगांत दुबळिकुटमांत जल्माल्या म्हाका दलीत–बंडाय–प्रगतिशील चिंताप चड वासतावीक जावन दिसलें.

कोंकणिंत म्हजो पयलो साहितीक मित्र देवादीन ल्यान्सी पिंटो आनी कोंकणिंत म्हजी पयली कविता पर्गट केल्ल्या 'किटाळ'चो संपादक बाब एच्चेम पेर्नालाक हांव ह्या वेळा आभारी जावनासां.

ह्या दिसानीं सबार साहितीक मित्रांचें इषटागत कर्चें भाग म्हाका मेळ्ळां पूण तेग साहिती मित्र म्हजो खरो ईषट जांवन हांव बरोवंक प्रेरण म्हण सांगुंक वर्तो अभिमान भोग्ता. ते बाब वल्ली क्वाड्रस, मा.बा. जोसी सिद्दके आनी बाब काजूरू सतीश. कोंकणी साहित्य कितलें ग्रेसत आनी विशिषट. हऱ्येका साहितीक आपले मायभासेचेर आसची जवाब्दारी कसली म्हण हांव बाब वल्ली क्वाड्रसा थावन शिकलों. हांव कोंकणेंत बरोवंक प्रेरक जावन, मार्गदर्शक जावन, ईषट जावन एक भावा सार्कें मोग दीवन म्हाज्या कषटांत तशें दुःखांत म्हाका धैऱ्य दीवन आज हो बूक फायस जावंक कारण जाल्ल्या बाब वल्ली क्वाड्रसाक हांव जीणभर आभारी जांवनासां.

तशेंच 'नमान बाळोक जेजू'चो संपादक मा.बा. जोसी आनी बाब काजूरू सतीशचो खरो मोग आनी 'प्रेरण' खातीर हांव सोम्याक आर्गां पाटायतां.

म्हजेर भर्वसो दवर्न म्हाका मोगान मार्गदर्शन दिल्ले कोंकणेचे नामणेचे कवी/साहिती बाब मेलवीन राड्रिगस, बाब आंडऱ्यू एल. डिकुन्हा. बाब डो.एडवर्ड नजरेत आनी बाब जी.वी.कारलो हांकां हांव आभारी जांवनासां. पेंयेटिक्स वाटसाप ग्रूपा मुखांत्र सर्व साहिती मित्रांचे मोग मेळाशें केल्ल्या बाब विल्सन कटील आनी म्हजें कविता पर्गट केल्ल्या सर्व कोंकणी पत्रांचे सांपादकांक हांव आर्गां पाटायतां.

म्हाका प्रेरक जावन आसच्या मा.बा.एडवर्ड विलियं सलडाना, मा.बा.स्टीपन पिरेर, बाब स्टानी ट्रिवेंड्रम, बाब माचय्य, फ्लाविया आलबुकर्क, म्हजो भाव बाब जेरोम, मांय मेरी, भयणी जाकलीन आनी रीटा सकडांकयी हांव ह्या वेळा उगडास काडतां.

काजारी जिविताचे राटावळिंत म्हजें हें पिशेंपण सोसून वच्च्यां म्हज्या पतीण ओलिवियाचो आनी भुर्गें जोत्स्ना चो पाटिंबो वर्तें जावनासा. आखेरीक हो बूक कोडगू कोंकणी साहितीक शेताक एक प्रसतावन जांवदी आनी आमच्या कुटमांनी कोंकणी भासेचेर मोग वाडोंदी म्हण आशेवन समेसतांक बरें माग्तां.

– जोन सुंटिकोप्प.

इमेयल: johnpaul.oliviya@gmail.com

कोडगू. नवेंबर २०१७

अर्पण

दोन शेकड्याधीं राजकीय कारणांक लागून
मायगांव सांडून क्रीसती भावाडताखातीर खबर
नासतांच माडतीर जाल्ल्या म्हज्या सर्व पुर्वजांक
अभिमानान ही म्हजी पयली कृथी समर्पितां
– जोन सुंटिकोप्प

१. जीब आनी रूक ..

तो वचोन
तेंप कितलो जालोगी...
दीस रात जावन
रात अनिकी काळकी जावन
प्राय भरोन पिंर्गता!
काळोकाचे कण कणयी
मांयची मांय
सुनेची सून म्हण
चाबोन पडल्यांत
मातियेंत माती जाल्ली
कूड अनीकयी सलवाना
ती जीब
ती जीब आतां खिरलोन
व्हड रूक जावन आड पडल्या
व्हाळच्या वाऱ्याकयी
कांठाळो.. दुर्सोण
जीब रूक जावन
रूक जीव जावन
एकेक पाळयी
मांय सून म्हण झगडताना
ह्या मातियेकी विराराय..
आतां
खंय थावनगी
उभोन आयिल्ल्या कावळ्यान
रुकाचेर वसती केल्या;
सूकल्ले जिबांक आतां
बंधनाचें भ्यें
बंधनाचें भ्यें..

– [सप्तेंबर, २०१६]

२. देवाचें राज

अब्बा!
अखरेक तरयी आयलेंच
देवाचें राज!

कितलेशे पुनेवंतगी
फात्रावंक फातोरच मेळानांत!
धर्णिचेर बरंवचो
खंय गेलोगी नेणा!

उजो पेटयिल्ल्या फारिजेवांनो
वेगिंच पार्ट्यो संपया..
जाताततिल्या 'बाराब्बासाची फवज'
भांदुंक जाय.

ये तूं जम्यांतल्या पेद्रू
तुकाय चत्राय
कुंकाड सोड
गाय बोबाटिनातल्यार जालें.

कोरोड देवांच्या देसांत
मोर्च्याधीं
हऱ्येक जीव किंक्राटता
'देवा तांकां भोगसी'

३. मन की बात

एक दुदाचें आयदान आसलें
अन्येक कोयतो;

भर्ती येंव
सुक्ती येंव
दोगयी वेळाकाचे ईश्ट

पयस थावन एक पावटीं
वयलो आवाज आयकालो;
''मेरे प्यारे देश वासियों..''
कोयतेकयी
दुदाच्या आयदनाकयी
कितें जालें नेणां..!?
गोर्वां सर्व गायो जावन
गायो सर्व देव जावन
देव म्हळ्यार कितें म्हळ्ळेंच नेणासले सर्व
देव रक्षक जावन..
अखेरीक देवच्च घुस्पोडून
मोडीं उमकळुंक लागलीं

उमकळच्या दुदाच्या आयदनाकयी
त्ये कोयतेकयी
आतां दिशाच दिसाना जाल्या..

दयकर्न समजून घेयात
मेरे प्यारे देश वासियों..

४. आवय

आवय...
चरित्रेचें पान जाल्या;
हांव मात
व्हाणों लिपवन मुर्गटतां,
मातियेचे कण कणयी
अवयचें पोट जाताना
हांव आशिंच पडतलीं;
आवय
खंयच्या मातियेंत माती जालिगी,
खंच्या तानेक बली जालिगी,
खंय म्हणून सोधूं!?
आवयचे पेंटांत आसल्ले
कितलेशे दीस म्हाका सतायतात,
भुकेचे-घामाचे उस्वास
भूस भूस सोडचे सुसकार
लोळुंक-सुखाक आडोव दवरलेल्या
त्या आवाज नासच्या किंक्राटिंक सयत
गर्भाभितर आयकुंक ना म्हणताय?
आवय..
ही चरित्रा कोणाक जाय सांग
पेंटाथावन उसक्याक
उसक्याथावन बावळ्यांक
उपरांत मोडकेक निसर्न निसर्न
चरित्रेचें पान जांवची
सदां आसचेंच..
थू... खोटो संसार
गोंगो येनाजाल्यार पुरो
अशिंच मुर्डतां..
बेश्टिंच पडतां.

[पयणारी.कोमचेर आसा केल्ल्या 'चित्रां-विचित्रां' कविता स्पर्ध्यांत 'मयन्याची कविता' इनाम आपणायिल्ली कविता]

५. कविता जांवची म्हळ्यार कितें?

पांय उकलन मुतोंक आयिल्ल्या
रसत्या पेट्याक
एक वीज खांबो विचारी

काळोका भितरल्या उज्वाडाक
उज्वाडा भितरल्या काळोकाक पळेवन
बांग दिंवचिच्च कविता म्हणालो पेटो-
वीज खांब्याकी नीज म्हण भगलांस्येता-
तितल्यार वीज वचोन
काळोका उज्वाडा मधें गलाटो जावन
रसत्यालांबायेक बांग दिंवची कविता जाली;

कविता जांवची म्हळ्यार कितें?
परपर उलो मारीत
पांय वोडन चल्तेल्या पिश्याक
एक रसतो विचारी..
उत्रा भितरल्या अर्थांक
अर्था भितरल्या उत्रांक पळेवन
गळगळ हासोन रडचिच्च कविता म्हणालो;

रसत्याकी नीज म्हण दिसलांस्येता-
तितल्यार 'तें-हें' खातेल्यां मधें झगडें जावन
उत्रांकयी अर्थांकयी झगडें जावन
रसत्या लांभायेक हासो-विळाप कविता जाली..

आयलेवारच...
वीज खांब्याकयी रसत्याकयी
वार्जीक जावन
कवितेचें मरण जालां..

६. एक मागणें

आवय...
म्हज्ये वाटलेंत कांय थोडी
क्रांती वोत...!
म्हज्या काळजा–गुंडायेंतलें
बंडायाचें कीट
पेटून जळुंदी..
एक पावटीं दीषट लाय..
म्हज्ये भितरलें किटाळ
पेटुंक उस्मडता.
उज्यानळी धरून
फू.. फू.. करून
फुंकून थकल्लो ब्रेकट
धुंवराच्ये धुंवरेक दुर्सोंचो वोल्टेर
दोळ्यां हुलोप सांगून
नपंयच जाल्यात.
रगत लेंवून लेंवून
शिजल्ल्या आत्म्यां थावन कितेंगी
त्या गिलोटिनाकच माती खेल्या
उरल्या म्हजी जीब मात्र..
पेंड जिबेज पास अंर्दुच्या पयलें
म्हजो प्राण पिसूड
एक पावटीं उज्वाडाक सुटका लाभूं...

७. देसांतर

एडीनबर्गाचें
थंड व्हारें एक
घाटाक चडलां:
दिषटीक पावता तितलें
दऱ्या विसतारायेचें पाचवें.
पावलां काडताय तितली
वोली, वोली रेंव.
दगदोणिच्या सूऱ्याच्या उज्वाडाक
पर्जळचें उदक तूं.
पाचवें? या निळशें?
म्हाका आज्याप,
म्हजी कात धवशेल्या.
म्हजे भितर आनी भायर
त्याच वीऱ्याचें आमाल.
शिराडी घाटिच्या घुंवडेंनी
व्हाळच्या ट्वीड – थेम्सांची सोभाय.
खडपांच्या इड्यांनी चल्ता
उग्तें मयथून.
थंयसर गावून आसा
कुरुबांचें खोमट.
ज्यास गिताराच्या नादाक
खबर नासतां फुलून आसा.
साद घाल्च्या कोंब्याकी आसा
अंतराषट्रीय वेळाकाळाचो दुबाव,
पिंजकर कांबळिंतलीं
हून हून स्वपणां
म्हजें आपलेपण
आपुडन पळेवन पार्कून आसात.
काळजाचे तानेक
अटलांटिकाचीं ल्हारां खाली कर्ता ना
मोळबाचेर पर्जळचो चंद्र
हासून हासून लिपून वेता.

(R.) ★ Konkani Langu
Mangalur

८. वायद्याची खोंकली

कितें खोंकलिगी.....!?

व्हय ... खोंकली...

तर आलोचन बंध कर

दोळे सोडल्यारी दीषट लायनाका

दरबसत बोल्स भरुंदी

कितें करूं....

म्हाका वायद्याची खोंकली...

तर पाजल्ली कोयती भुकेत

फांत्याफारार बंदूक सोधून येत

विराराय कित्याक,,,,!?

घे.... म्हजो विळास

कोयती बंदूकेंक विनती कर

'दयाकर्न दाक्षेनाकात....'

"............"

९. दुकिचे मिसतेर

तूं वेच्या पयलें
तशें जावंक न्हजो आसलें...
काळोका कुडांतल्या त्या
बारीक वाऱ्याकयी तुवें नेगारलेंय...
तुवें बिगदिल्ली तुज्या हाताची मूट
आनिकी तशीच आसा...

ताचे भितरलें म्हजें सपण
एदोळ कुसोन किरलोन
व्हड रूक जालां...
ताळो उन्रोन येनातल्या
तुज्या अस्पश्ट उन्रांक हांव
आनिकी डिकोड करीत आसां...
तें पुनरजिविताविशीं
जावंक पुरो...

तुज्या त्या निर्जीव पांयांक
रेंवोड मार्न उमो दिताना पुणी
तितलो निर्भावूक जावंक न्हजो आसलें,
अळे...
तुवें नेगारल्ल्या त्या
वाऱ्या-उज्वाडासंगीं हांव राक्ते आसां...

सूकल्ल्या धर्णींत किरलोंवच्या
बोंब बंदुकेंक कितलें म्हण
हुमटून काडूं?

तुज्या मोगाचो तांबडो रंग
आनी पुणी धवो जांवदी...

१०. जिहादिंच्या गांवांत

हांव गेल्लों
जिहादिंच्या गांवाक
भियेवन भियेवन घामेवन
मेट एक काडुंकी
पाटीं मुकार पळेवन . . .

थंयसर कुशिले वाड्यांत
एक म्हातारो खोंक्तालो
ताणे वोडच्या हुक्का खातीर
थांबडें थांबडें हडदें विंचतालो. . .

एक्सुरें प्रायेसत चेडूं
मार्गा देगेलें लांकडां विंचतालें
भांदल्लो भोरो उकलन दीवंक गेलों
भोऱ्यांत लांकडां नातलीं
लांब हाडांतले मास कूसल्लें दिसतालें . . .

चेडो एकलो खेळतालो
रगतांत भीजल्लें काळीज घेवन
रगताच्या शिरांनी बिगदून
बुगुरी खेळतालो;
म्हाकायी आपयलें
ये गुन्न खेळ्यां. . .

हांव धावोंक लागलों
जिहादी एकलो जांगे थापडून बोबाटलो

आनी खिणान हांव बुगुरी जालों.

११. संघटन

दोगां उलयतालीं
खासगी उत्रानीं
म्हजे हाजीरपण कळ्ळें ना तांका
या चिंतलीं कोण्णा–
हांवयी तांचे मधें एकलो!
    उलवणें चल्तालें
    हांच्या संघटना विशीं
    तांच्यायी संघटना विशीं
हांचें आक्रमण
तांचो एकवट
हांची येवजण
तांचो प्रतिरोध
कितलीं गायरां मायाक जालीं
कितलीं चेडवां गुर्वार जालीं
सगळें राषट्र केसरी जांवचे कशें
राषट्रा थावन पाचवें निकळांवचे कशें

हांव मात्र
खंतीर पडलों
चिंतुंक लागलों
खंचे केसरी?
खंचे पाचवें?
सगळानीं दिसोंक लागलें
तांबडे मात्र!

तीं मात्र
उलवनच आसलीं
मायाक जांवच्या
गायरांविशीं
गुर्वार जांवचा
चेडवांविशीं

१२. ट्रक्किंग

तीं दोगांयी चल्तालीं
संतोसान आनी उल्लासान
तडियंडमोळुच्या ट्रक्किंगाक

तर्नाटो मेटां काडतालो
पाटीर वोजें व्हाववन
दोगांयिची पेंट्ली एकलोच व्हाववन
तें चल्तालें सुडसुडीत
हासून हासून
कितलें सोबीत चेडूं!

सांज जाली
परत दिश्टीक पडलीं तीं
तर्नाट्याची पेंट्ली हळू जाल्ली
सुशेगात चल्तालो तो
आनी
ताच्या पाटल्यान
मेटां काडतालें तें कषटान
भीजल्ले दोळे
सूजल्ले तोंड
दोगांयचे वजन
तिचेर आसलें –
वजन वोडीत आसलें.

[तडियंडमोळू: कोडगांत व्हड शिखर, हांगासर ट्रक्किंगाखातीरच्च चड लोकांनी येंवचें]

१३. गरम

वेगान

घुंवचा

फांक्याक

अनिकी

म्हजें

कामूकपणाचें

गरम

थंड करुंक

जातच ना

तें गरम

व्हड ध्येत्य जावन

वणद वणदिनीं

आपटिल्ले बरी जावन–

भिंयान हांव

कूस पर्तून निदलों

रसत्या लांबायकी

घोंकल्लो सब्ध

१४. फूल फुल्चो वेळ

दबाव घालन केल्ले
मायपासाचे पेंशे
सुसकार जांवचांत
कितेंच मतलब ना
  मतलब आसचें
  तिच्या दोळ्यांतल्या
  रितेंपणांत
  वणद वणदिनीं
  प्रती गाजुंच्या
  मुग्रारी पणार
म्हाकाय आसा आशा
उस्वास काडुंक
सोभायेचें फूल फुलवंक
  पूण
  मरण पावल्ल्या
  मोगा मुकार
  वोमतेच पडून
  रुदान करिनाकाय
हे सायबा
तुजीच दया
जनेलां बागील
उग्तें दवर्‌न राकून आसां
आनी वणदी फुटवन घालुंक जाय
  वाडलां तें
  मुग्रारिपणाचें राक्कोस
  बागील जनेलांतल्यान
  भायर वेचें ना

१५. कूड

अबळे
जिण्येच्या कुडांत
वसतू बदलातेत नांत

भुकेल्ली जनेलांतली तान
दोळे थांबेवंक पळेता
पूण
खिळिंचो सब्द अनीकयी बदलोंक्ना
त्या मेज- कदेलांचो संबंध
अनीकयी तसोच आसा
थोडे पावटीं लागीं
थोडे पावटीं पयस
ह्या मधें
बर्पाकुरूचो सांखोव
ह्रांव बांदीत आसां

आनी तें खटलें
ताका अनिकी मरण ना
उचांबळलें तर्नाटपणच
वेळ विभाडुनासा
दार्वाटो उतर्न
वेदना येत म्हण
ह्रांवयी राकून आसां
पूण म्हजें भितरलो
दादलो तयार ना

बागलालागीं पडल्यात
त्यो व्हाणो
भोगणांचे जडायेक
भिगडोन गेलां
म्हाती लागोन
रंग नासतां कंगाल जालां

दोन वणदी मधें
बिगदिल्ले त्ये सरियेचेर
अनिकी भितरली मुसतायकी आसा
अंतसकर्नाचे जडायेक
इल्लेशें बाग्वालां

माती खेल्ल्या त्या बागलाच्या
खिळेक लजच्च ना
कितलें उगडास केल्यारयी
भितर आयलेल्यांचें लेक
मेळतच ना
भायर सरल्लीं कितलिंगी
आनी म्हाका
कुडांत भरलेल्या
ह्रासो-दूक-खरस
चड जावन
उस्वास बांदतासा

भोवशा
बेळशेल्ली घाण
कुडाच्या भायरयी आसा

१६. उशें

उशें
हात उभार्न?
आपयत आसा
एक मूट
सांत्वान जावन
    बांधून धरलेलें दूक व्हाळचें
    उश्यांतच्च.
    उज्वाडताना
    दोळे मात्र तांबडे तांबडे
कामूकपण नातल्लो मोग
मोग नातल्लें कामूकपण
उश्याची सुक्ती भर्ती?
केदिंच येनातलो बापूय
बरवंक जायनातली कविता
आरावन वेंग मार्ता
मोगान
    जल्म- मरणाच्या त्या
    चेक पोसटा भोंवारी
    पासायो मारुंक
    उशेंच पर्वणगी
उश्याच्या मोवाळायेंत आसा
कितली दादोसकाय
दीस रात चाबोन पडताना
निदेचें ऋण फारीक जायनासताना
    हांवयी राकून आसां
    मात्येक उशें कर्न घेवंक
    केदिंच पळेनातलीं स्वपणां
    दीस रात पळेवंक

१७. मोड्या तपासणी

मोड्यांच्या कुडांत
निदायिल्ल्या तिका
नाकभर पियेल्लो एकलो
चिरुंक लागलो
सोभायेच्या हर्द्यांत
चुरी रोंबतच
घाया थावन दोळ्यागोंगे
एका पाटल्यान एक
भायर सरुंक लागले
त्या दोळ्या गोंग्यां मधें
मोडें चिर्तेल्यांचेंयी दोळ्या गोंगे
खबर नासतां सेर्वालें

शिंदल्ल्या तिच्या
आकर्शक कुडी थावन घाय
बोटांक भायर घालें
बस्सांत रैलांत
पांयवाटेर या लिफ्टार
स्पर्शिल्लीं बोटां तीं
मोडें चिर्चो
दोळ्यागोंगे आनी बोटां काडन
विविंगड पेंट्लेंनी भर्तालो

टक टक मार्न
आखेरीक फूटल्ल्या
तिच्या कटृयाथावन
भ्यें–सूख–दूक सक्कड
सुटका मेळल्लेबरीं
भायर सरलीं
आनी तीं
घायांचें गायन जावन
अपापल्या पेंट्ल्यांनी भरलीं

चीर्न चीर्न
मोड्याच्या कुडांत
पेंट्लिंची रासच्च रास
आखेरीक
मरणाक कारण जाल्लो
मोग मेळ्ळो
मोग तिच्या पेंटांत आसलो
आनी तो
वाडत्त आसलो

१८. तूं गेल्ले रातीं

तूं गेल्ले रातीं
तें बागील उग्तेंच आसलें
काळजाच्या गुंडायेक
रोंबललीं तांबडीं पाळां
अपलेसतकीं चिर्तालीं
पांग्रयिल्ल्या तितलें निदानातल्ल्या
ह्या दोळ्या आस्डेंकयी
खांचियेनी देंवच्या
दुकांचे गुप्ताहेर
तूं गेल्ले रातीं
निजायकी चान्ने ना
आनी कितें म्हळ्यारी
त्या नेणतेंच्या दोळ्यांत
सोदुंक जाय
तूं गेल्ले रातीं
तांबड्याकयी - धव्याकयी
सोल्लो कर्ची जमात
ते दोगी मेटां काडन
आतां सगळो काळोक
व्हय व्हय
तूं गेल्ले रातीं
तें बागील उग्तेंच आसलें
बंदूकेच्या नळियेन
थोडेंच तीळल्लें
कोयती चुरियेंनी
थोडेंच तानेल्लें
श!!
माती पांग्रोन
निदलां बाळशें
जागें जायत
जागें जायत

१९. घाय

म्हजे भितरले घाय
गायन जावन
भायर सरलां

तें गायन
जब्बोर दुकीन
ताळ चुकोन
वणोदी वणोदिनीं
विराराय
जनेलां बागिलानीं उमाळे

म्हजे भितरल्या
सक्कड घायांकयी
मरण जिविताची चर्चा
कूडभर दूक
आत्म्याक मात्र ना खंत

आनी आतां
हांवच आत्मो म्हण चिंतून
घायांक दिवटी कर्ता
त्या दिवटी थावन
भायर सरल्ल्या उज्वाडान
जनेलां बागलांक
समाधान करूंक जाय
जिणी नंदन करूंक जाय

२०. गर्भापात

भुकेल्लो काळोक
सब्द कर्ता
रेवोड मार्च्या
सांगातपणा खातीर

हून उस्वास
कुडांत प्रतिगाजेता
धारूणपणाक साक्स जाल्ल्या
वणदी खातीर

खरस– असमधान
साक्स जाता
निगूढ मावनपणाखातीर

कुशीक नीदल्ल्या
पयल्या भुर्ग्याकयी
आत्तां रोव आयल्या
नेणतां भुर्ग्याकयी
कितें अंतर?
आमची प्राय
आमचें कामूकपण
थोडे पावटीं
पाळणे धल्ता
आनी थोडे पावटीं
खचऱ्या डब्बो भर्ता

रोव आयललें भ्रूण
तांबशे तांबशें थेंबेता
पळेनातल्ल्या नेणत्याच्या
मवन रुदानाक
नवेंच एक न्यापकीन
तांबडें जाता

२१. पुनर जिवंतपण

जागें जावंक जाय
आमी आनी तुमी
ह्या मरणा थावन

दिसा स्वपणांचो काळोक
शेकड्या शेकड्यांक पांग्रून निदला

थापड, उज्यागुळ्या थावन
कितेंच फायदो ना

हून रगत
अपूण व्हाळचें विसरलां
व्हाळचें रावून तेंप कितलो जाला

धगी घोड्या पाटल्यान धांवचें
आनी पुणी रावयां

सायभा
उजो वोंकचा बंदूकेची नळी
सुकण्यांचे गूड कर
दर्खलाबरी
आसलेले उज्यागुळे
मेणाबरी कर्गाशें कर
थंयसर मोगाच्यो रोंप्यो
पाळ रोंबोन व्हाडोंदीत
शिरा शिरांनी मायपास
व्हाळोंदी

२२. मरण

हांव मोर्चें आदीं
म्हज्या दोळ्या खांचियेनी
आनंदाची दुःखां देवोंक जाय
मात्येंत माती जावन
म्हाका सुटका मेळचा आदीं
पयल्या पावसाचो मात्ये पर्मळ
म्हज्या उगडासाक येवंक जाय

हांवयी मोरोंक जाय
सकटांबरी अवचीत पणान
भिंयेनासतां दळडीर संसाराथावन
खबर नासतां नपंयच जायजय
व्हय हांव सांत जायजय
मरणांतयी संतोस पावल्लो तो
बुद्ध जायजय

मेल्ल्याउपरांत
हांव एक सवाल जावनच्च
उरोंक जाय
कोणयी चलानातल्ल्या
वाटेंत चमकुंक जाय
निगूडपणाच्या सुळिंत शून्य जायजय
आनी परत हांव जल्माजाय
धर्न थांबेंवच्या तणा थावन
मनशाकुळाक जीव दिंवचो
रूक जावन
आखेरीक पूणयी निस्वार्ती जायजय

२३. एक फूट

इगर्ज मातेचो फातोर पेद्रून
जेजूक तीन पावटीं नेगार केलें
धर्म भषट जुदासान
फकत तीस शेकुलांक
मेसत्रीक उमो दिलो
विवेकी शीस थोमस
जेजुचेर दुभावलो

आनी म्हजे काणी
हांव फातोर
हांव भषट
या विवेकी नेणां

इगर्जेचें घांटिचो
अदभूत नाद
जिबेंत कर्गोंचो
पवित्र कुमगार
आनी त्या कुम्साराचें पवित्रपण
सक्कड म्हाका
गोंदोळ कर्तात
आनी हांव घुस्पोडतां

म्हजे खातीर जेजून
खुर्सार मोर्चें?
म्हळ्यार कितें
मोरून, तीन दिसांनी
परत उटचें म्हळ्यार कितें

भोवशा
पुनर जिवंतपण म्हळ्यार
फकत मरणाचें उपरांतले
विचार न्हय

२४. उदकामूळ

तो पयलो थेंबो
सुक्ये धर्णीक उमो दिताना
हुन्साणेन मातियेन
बंडायेचो पर्मळ पाचारलोना

थेंबो किडकिडोन
शिरांधारिचो पावस वोत्ताना
धुळिची माती
मोवाळायेंत बीजल्ली – थर्थरली

थंय
अबळे पळे थंयसर
खिरलाल्ल्या पयल्या रोंपियेन
पाचव्या राज्वटकेक
बुन्याद घाल्या

पाचवेंपण – जिवेंपण
कर्गोन कर्गोन
दाधोसकायेचो काळ संपला

आतां थंयसर पाचवेंपण ना
व्हड इमारतां आसात
पयशांचे पराक्रमे निमर्तीं
हवानियंत्रकच प्रकृती जालां

मार्गार माग्तालो एकलो
घामेवन भिजोन
सार्कें रावोंकयी पेचाडता
तकली उकलन पळेता
आनी पावसाचें मोड
केदिंच पाटीं पावानातल्ल्या
गांवाक चमकाता

२५. हो देश

ह्या डकायतिच्या रसत्यार चमकातात
पुरासाणेची तीं मेटां
भेटवणेच्या जडायेक बाग्वातात
उमकळायिल्ले रूक
कर्कट्या वोतांतयी सास्पतात
क्रूरपणाचो काळोक भरलले दोळे
राज्वटकेच्या व्हाणां पंदां
गळो मोडन सांपडतात
भषटाल्लीं नेणारी बेकुफां
    व्हाळच्या रगताच्या थेंब्या थेंब्यांनी
    उज्यागुळे भर्न काणगेल्लेले
    स्तुतिसतुती म्हण
    आपणाक स्पोटन कर्न घेतलेले
    धुंवर जावन धुंयेंस जावन
    गांवगांवाच्या हर्द्यांत रिगलेले
हात जोडन हासचे
धोल्केल्या पेंटांनी
मतदारांक भरलेले
हाडांमास चाबोन
घाम – रगत पियेवन
डर्र म्हण धेंक काडलेले
    निरपराधी इमाजी पाटल्यान
    कोयती पाजतेले
    हात जोडन धिंबी घाल्तच
    चामडें सोल्ताले
    हाडां मास विंगड कर्ताले
    आनी कितेंच घडुंक नातल्लेपरीं
    थंड हासतेले स्तुती कर्तेले
सायभा म्हज्या
हें सपण न्हय
हें सपण न्हय
वीर शूरांचो देस हो
माती खातेल्यांचो देस हो

२६. पास

उमकाळायिल्लो पास
अनिकी थंयसर आसा
घुंवच्या फांक्याक
एक पूर्ण विराम
दवरलेल्या बरी

ताणीं तिका
उकलन वेलां
आनी हांव
तिचे संगी एकवटलां

आदळून पडलेलें कदेल
उमकळचो पास
म्हजीं आर्गां आशेता
क्य
हांव तिचें संगी एकवटलां

कुडांत तीळन पळेंवच्या
तांचें हर्धें धडदडून आसा
आनी दोळ्यांनी दूक
'आसताना नातलेलीं
ना म्हणताना सास्पतात'
भोवशा म्हजे बरिच्च
पूण हांव
तिचे संगी एकवटलां

तो उमकळायिल्लो पास
अनिकी थंयसर आसा
आसुंदी सोडा
पत्यांन पत्यांन
हांवें गळो
फासाक लायजय

२७. उर्भा?

म्हजे उर्भेचें मूळ
म्हजें हर्धें जाल्यार
तुर्तान हर्धें
मोडन घाल्चेंच बरें
ना तर
ही कूड निर्वसीत जायत

ndation (R.) ★ Konkani Language
Mangalore

म्हजे उर्भेचें मूळ
म्हजें रगत जाल्यार
एकाच्छाणे सगळें रगत
आटंवचेंच बरें
ना तर
सगळी कूड निळशी जायत

म्हजे उर्भेचें मूळ
म्हजो उस्वास जाल्यार
एक पावटीं मरण पांवचेंच बरें
ना तर
स्वास स्वास सांगाता मेळोन
सगळो गांवच वायटाक पडात

म्हजे उर्भेचें मूळ
हो म्हजो आत्मो जाल्यार
सायभा म्हज्या भोगोस
तुर्तान आत्मो
नास कर्चेंच बरें
नातर
तें येमकोंड खुबाळीत

२८. मरण शासन

म्हज्या मोर्नाची
खबर मेळतच
दुकां गळयनाकात
बोव कश्टांत गेल्लो जीव
परत पाटीं येत

म्हज्या मोर्नाची
खबर पाचारुंक
इगर्जेची घांट मारिनाकात
उबच्यासुकण्यांक त्रास जायत
नेणत्यांक जाग जायत

म्हजें निर्जीव कुडीक
नवी मुसतायकी न्हेसयनाकात
त्या इगर्जेभायर माग्तेल्याचें
आंग धांपुंक जायत

म्हजें मरण
मरण जांवदी
दुःखां गळयनाकात
वायट स्वपण करिनाकात

म्हज्या फोंडावयर
फुलां दवरिनाकात
जळचा रग्ताच्या वोताक
सोबाय कर्पात

म्हज्या फोंडावयर
ग्रोटो भांदयनाकात
सुटका मेळल्ले म्हजे
कण कणयी
माती जावंक
त्रास जायत

२९. कानस्टिपेशन

तूं कुलो तेंकून
बसून जल्मायिल्लीं
तीं तुजीं
समाधानेचीं भोगणां
उगडासाक हाड
तेदना एक पावटीं पुणीं
आत्मो निर्मळ जायत

तूं जेदना जेदना
खंयसरयी
संतोसभरीत जाल्ल्या
त्या स्खलनांक पुणीं
उगडासाक हाड
एक पावटीं पुणीं
आत्मो स्वतंत्र जायत

न्हय
तूं कित्याक
ओपरेशनाक भियेताय?
स्वपणांक चीर्न
सलीसायेन शिवुंक जाय म्हण ना
खिरलव्येत
फुलव्येत
पूण आत्म्याक
सुटका मेळाजयच

३०. मास

पेंटेक म्हण गेल्लों हांव
घेतलें एक किलो मास
आतां पाटीं घरा पावोंक
लाग्ता म्हाका भ्यें
    थयलेंतलो रंग चिंतून कितें
    हांव घाबरेतां
    फुलां विकचो गोपी
    आनी तो बामुणांचो रवी
दुभावाचे नद्रेर घाल्तात दीश्ट
    हांव भियेतां घामेतां
    गल्लिंतले सर्व जण
    'तें-रक्षक' भाषेन दिसतात
    भोग्ताकी
    ह्न्येकल्याकयी कळीत जालां ;
    म्हजी मेटां
    धांवोंक लाग्तात आनी
    घरा पावतच
    बागील जनेलां बंद कर्ता
थयलेंतलें भायर काडलेले मास
कोयतो संगी झुजता
आनी सुशेगात रिग्ता कुक्करांत
उज्याचें हून लाग्तच
खंतीर पडता कुक्कर
वेळ पावतच
आंबेता कुक्कर अवचीतपणान
भिंयान कितें हांव
चडयतां टी.वी.चो आवाज
पूण कुक्कारांतलें मास मात्र
भायर चरुनासा सवकास
पर्मळ जावन
चरुंक
दूद दीवंक

३१. थोड्यो चुकि

चूक – १
फूटल्ली वोणद कांप्ता
पिंजल्ली मांद्री आंकुडता
नेणत्याचो जल्म
आन्येक भासावणी जावन
दुबळ्याच्या मोगाचे धाराळपण जावन

चूक – २
नेणत्याच्या एक्सूरपणाक
पळेंवच्या बायेचो सांगात
चेडवाची आशा कितें आसलिगी
इसकोल चुकंवचांत जालें सुध्राप

चूक – ३
बेब्दो बापूय– पुर्पुरी मांय
हांची लडाय अबलेस सोडल्यार
नेणत्याचें रडणें
सोडल्यार घरभर मवन
वासच्या वोंटांक
पाळण्यागितांची जडाय

चूक – ४
खंय थावनगी केन्नाय उसळता
इसकोलाक वेची उर्भा
फेंण्ण घाल्ले बरी
'बा बाले शालेगे'चें पाटिंबो
विरोध पाडतिबरी
सम्मिश्र सर्काराबरी

चूक – ५
बेब्द्याचे चुचुरि
आवयचे पिर्पिरो
चेडवाचें नेणतेंपण मात्र भंगाचें
अधिकारिंचे दबाव
धर्मार्त वांटपा खातीर
चेडूं स्वपणांतयी पिंर्गाता
इसकोल भुर्गें इसकोल भुर्गें

चूक – ६
चुकी अश्योच
जावनच आसतात
गरिबांच्ये जिण्येंत
भुर्ग्यांचें नेणतेंपण लक्ता
ह्या दुबळिकायेच्या रेगेर

31. ಥೊಡ್ಯೊ ಚುಕಿ

ಚೂಕ್ – 1
ಫುಟ್‌ಲ್ಲಿ ವೊಣದ್ ಕಾಂಪ್ತಾ
ಪಿಂಜ್‌ಲ್ಲಿ ಮಾಂದ್ರಿ ಆಂಕುಡ್ತಾ
ನೆಣ್ತ್ಯಾಚೊ ಜಲ್ಮ್
ಆನ್ಯೆಕ್ ಭಾಸಾವ್ನಿ ಜಾವ್ನ್
ದುಬ್ಳ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮೊಗಾಚೆ ಧಾರಾಳ್ಪಣ್ ಜಾವ್ನ್

ಚೂಕ್ – 2
ನೆಣ್ತ್ಯಾಚ್ಯಾ ಎಕ್ಸುರ್‌ಪಣಾಕ್
ಪಳೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಬಾಯೆಚೊ ಸಾಂಗಾತ್
ಚೆಡ್ವಾಚಿ ಆಶಾ ಕಿತೆಂ ಆಸ್ಲಿಗೀ
ಇಸ್ಕೊಲ್ ಚುಕಂವ್ಚ್ಯಾಂತ್ ಜಾಲೆಂ ಸುಧ್ರಾಪ್

ಚೂಕ್ – 3
ಬೆಬ್ದೊ ಬಾಪುಯ್– ಪುರ್ಪುರಿ ಮಾಂಯ್
ಹಾಂಚಿ ಲಡಾಯ್ ಅಬ್ಲೆಸ್ ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್
ನೆಣ್ತ್ಯಾಚೆಂ ರಡ್ಣೆಂ
ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಘರ್‌ಭರ್ ಮವ್ನ್
ವಾಸ್ಚ್ಯಾ ವೊಂಟಾಂಕ್
ಪಾಳ್ಣ್ಯಾಗಿತಾಂಚಿ ಜಡಾಯ್

ಚೂಕ್ – 4
ಖಂಯ್ ಥಾವ್ನ್‌ಗೀ ಕೆನ್ನಾಯ್ ಉಸಳ್ತಾ
ಇಸ್ಕೊಲಾಕ್ ವೆಚಿ ಉರ್ಭಾ
ಫೊಣ್ಣ್ ಘಾಲ್ಲೆ ಬರಿ
'ಬಾ ಬಾಲೆ ಶಾಲೆಗೆ'ಚೆಂ ಪಾಟಿಂಬೊ
ವಿರೋಧ್ ಪಾಡ್ತಿಬರಿ
ಸಮ್ಮಿಶ್ರ್ ಸರ್ಕಾರಾಬರಿ

ಚೂಕ್ – 5
ಬೆಬ್ದ್ಯಾಚೆ ಚುರ್ಚುರೆ
ಆವಯ್ಚೆ ಪಿರ್ಪಿರೊ
ಚೆಡ್ವಾಚೆಂ ನೆಣ್ತೆಂಪಣ್ ಮಾತ್ರ್ ಭಂಗಾಚೆಂ
ಅಧಿಕಾರಿಂಚೆ ದಬಾವ್
ಧರ್ಮಾರ್ತ್ ವಾಂಟ್ಪಾ ಖಾತಿರ್
ಚೆಡುಂ ಸ್ವಪ್ಣಾಂತ್‌ಯೀ ಪಿಂರ್ಡ್ಗತಾ
ಇಸ್ಕೊಲ್ ಭುರ್ಗೆಂ ಇಸ್ಕೊಲ್ ಭುರ್ಗೆಂ

ಚೂಕ್ – 6
ಚುಕಿ ಅಶ್ಯೊಚ್
ಜಾವ್ನ್‌ಚ್ ಆಸ್ತಾತ್
ಗರಿಬಾಂಚ್ಯೆ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್
ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಚೆಂ ನೆಣ್ತೆಂಪಣ್ ಲಕ್ತಾ
ಹ್ಯಾ ದುಬ್ಳಿಕಾಯೆಚ್ಯಾ ರೇಗೆರ್

मोनी बोब

जोन सुंटिकोप्पच्या कवितेंचो पयलो जमो



आशावादी प्रकाशन

आशावादि प्रकाशनाचो तेत्तीसावो बूक